वर्णमुद्रा

इ–नेमाळें
(मुद्रित प्रत,
फकत खासगी वितरणाखातीर)

वर्णमुद्रा

अंक सातवो / जानेवारी–फेब्रुवारी–मार्च 2026

देणगी मोल : रु. 150/– (मुद्रित प्रतीखातीर)

संपादक : शैलेंद्र मेहता

अनुक्रमणिका

। भायलें चित्र ।

राजन फुलारी

। भितरलीं रेखाचित्रां ।

प्रसाद पानकार, माधव बोरकार

। सुर्वेचीं कांय उतरां ।

शैलेंद्र मेहता

पडसाद : जयंत कोलवाळकार

। कविता (पावलां आनी नाद) ।

शरतचंद्र शेणै, नयना आडारकार, अँड्र्यू डीकुन्हा, मनोज नरेंद्र कामत, स्मिता तिंबले

। स्मरणसुक्त ।

फासिझम : नागेश करमली

। कला, चित्रां, रेखाचित्रां, छायाचित्रां ।

कलाकार जावप म्हणल्यार चारित्र्याक आकार दिवप : राजन श्रीपाद फुलारी

– एल आल्तावोज

। कथा ।

समाजसेविका : माया खरंगटे

एक अपूर्ण मोगाची काणी : जेसन पींत

। भावपणाचो सोद ।

आर्विल्ल्या स्वातंत्र्याचें नीतीशास्त्र : आंद्रे जिद : शैलेंद्र मेहता

। लेख/ ललित लेख/ टिपण/ मुलाखत ।

मुलाखत : उदय भेंब्रे –आमकां इतिहास आनी चरित्रांय वाचपाची संवय ना : अन्वेशा सिंगबाळ

भोवजनीय नदरेंतल्यान पुंडलीक नायक आनी एन. शिवदास हांच्या कथांचो तुळात्मक अभ्यास – कृपाली नायक

भांगरांतलें फुल : एके धुवेचें दायज आनी शेणिल्ली अलंकारांची भास – व्हिक्टर ह्यूगो गोम्स

। गंभीर वा मजेशीर ।

अध्यात्म : दामोदर घाणेकार

संस्कृतीक जाण म्हणल्यार कितें? : दीपक बोरगावे

काणीकणी : दादा हेगडे

। निर्मिती आनी वितरण साहाय्य ।

भाग्यश्री बनहट्टी, दिनेश मणेरकार

सुर्वेचीं कांय उतरां

इराणाआड अमेरिका आनी इझ्राएल हाणीं सुरु केल्लें झूज सद्याच्या दसकांतलें एक भिरांकूळ भूंयराजनीतीक संकश्ट जालां. 28 फेब्रुवारी 2026 दिसा व्हड प्रमाणांत हवाई हल्ल्यांतल्यान सुरू जाल्लो हो संघर्श रोखडोच वाडून विध्वंसक जालो आनी ताका लागून पुराय अस्तंत आशियांत व्हड प्रमाणांत लुकसाण जालां.

ह्या हल्ल्याचें एक वादग्रस्त आंग म्हळ्यार तेहरानांतल्या सुरवातीच्या हल्ल्या वेळार इराणाचो सर्वोच्च फुडारी अली खामेनी हाका लक्ष्य करून मारप. अशा उंचेल्या पांवड्यावेल्या राजकी आनी धर्मीक व्यक्तीचो खून जावप ही एक गंभीर गजाल.

झुजाचे मानवतावादी परिणाम खर जाल्यात. इराणांत ज्या लोकांक मरण आयलां तातूंत बायलो, भुरगीं आनी वैजकी कामगार हांचो आस्पाव आसा अशें अहवालां प्रमाणें दिसून येता. पुराय वसणुको, शाळा आनी मुळाव्यो बांदावळी इबाडल्यात वा नश्ट जाल्यात. आर्विल्ल्या झुजाचो नागरी लोकसंख्येचेर जावपी विध्वंसक परिणाम ह्या नाशाच्या प्रमाणांतल्यान स्पश्ट जाता.

इराणान प्रतिकार करून इझ्राएलाच्या वाठाराचेर आनी अस्तंत आशियांतल्या जायत्या देशांनी अमेरिकेच्या लश्करी तळांचेर क्षेपणास्त्र आनी ड्रोन हल्लो केला. पयलींच राजकी आनी अर्थीक नाजूकपणाक तोंड दिवपी प्रदेश अस्थीर जावपाची भिरांत आसा.

होर्मुझ सामुद्रधुनी–संवसारीक तेल पुरवण करपाखातीर एक म्हत्वाचो जहाज मार्ग–हो एक मुखेल फ्लॅशपॉयंट जाला, दर्यावेल्या येरादारींत व्यत्यय आयला आनी तेलाचे दर वाडत आशिल्ल्यान संवसारभर अर्थीक अरिश्ट निर्माण जावपाची परिस्थिती आयल्या.

संवसारभर झुजाक विरोध करपी लोकांनी व्हड प्रमाणांत बॉम्बस्फोट मोहीम आनी लक्ष्यबद्ध खून आंतरराश्ट्रीय कायदो आनी मनशाच्या स्वाभिमानाच्या तत्वांचो भंग करता असो युक्तिवाद करून बेपर्वा आनी अमानवी झुजाचो निशेध केला. दाट लोकसंख्या आशिल्ल्या वाठारांआड व्हड प्रमाणांत लश्करी बळगें वापरिल्ल्यान आर्विल्ल्या झुजाचें संचालन आनी संवसारीक शांतताय तिगोवन दवरपाखातीर बळिश्ट राश्ट्रांची जापसालदारकी हांचेविशीं गंभीर नैतीक प्रस्न उप्रासतात. इराणाचेर जाल्ल्या ह्या आक्रमणाचो अनेक देशांनी निशेध केला. स्वित्झरलँड सारको देश जाची दोनशीं वर्सां परस चड तेंप तटस्थ म्हूण नामना आसा, ताणें लेगीत अमेरिका आनी इस्राएलान सुरु केल्ल्या ह्या झुजाक उक्तेपणान विरोध केला.

बर्ट्रांड रसेल ह्या विचारवंताने बरोवन दवरलां, "War does not determine who is right - only who is left".

इतिहासाकडेन नदर मारल्यार एकाधिकारशाय हें झुजाचें एक मुखेल कारण म्हूण मुखार येता आनी त्या संदर्भांत स्मृतिशेश नागश बाब करमली हांची स्मरणसूक्तांतली 'फासिझम' आयच्या काळांत लेगीत समर्पक दिसता.

शैलेंद्र मेहता

गोयंकरपणाचें दायज, म्हाका कशें मेळटा?

आपला 'वर्णमुद्राचा' ऑक्टोबर-डिसेंबर 25 अंक Pdf स्वरूपात वाचला. खरोखरच आपला कोंकणीतील अंक इतका दर्जेदार व उत्तम आहे की तो मराठीतील नामवंत अंकांच्या तोडीस तोड आहे.

अंकातील विषयही माहितीपूर्ण आहेत.

'बरे विचार ही बऱ्या विचाराची बुन्याद', या हनुमंत कांबळी वरील लेखाने इतक्या उत्तम चित्रकाराची चित्रे, अणि माहिती प्रथमच समजली.

काझुओ इशिगुरो या जपानी लेखकाची, त्याच्या साहित्य शैलीची आपण करून दिलेली ओळख वाचून 'Remains of the day' हा चित्रपट पहावासा वाटतो.

या लेखांबरोबरच 'खूप फावट चार वळी जें कितें सांगता, तें चारशें वळी सांगीना', या माधव बोरकर यांच्या कवितेवरील भाष्याची प्रचिती आपण निवडलेल्या उत्तम कवितांतून जाणवली.

उदारहर्णार्थ, गोरख शिरसाट यांची, 'धर्माच्या कडक गांजाची, मदमस्त बेधुंद नशा', किंवा 'सकाळ ते सांजे मीरेन वर्चुअल संसारातलो म्हज्या भोंवतणचो दर एकलो'.

माधव बोरकर यांच्या तीन कविता व राधा भावे यांच्या लेखातून श्री अरुण बाब साखरदांडे या कवीची झालेली ओळख यामुळे खरोखरच वर्णमुद्रातून मलातरी प्रथमच समृद्ध कोंकणी साहित्याची जाण आली. या साऱ्यातून 'गोयंकरपणाचें दायज, म्हाका कशें मेळटा?' या प्रश्नाचे उत्तर तुमच्या 'सुर्वेचीं कांय उतरां'तील रॉबर्ट फ्रॉस्टच्या काव्यपंक्तींतून मिळाले :

The land was ours before we were the lands
She was our land more than hundred years
Before we were her people

जयंत कोलवाळकार
मुंबय

शरतचंद्र शेणै

कारणकार

इश्ट म्हणटा –
दळडीरपणाचीं चित्रां आनी रिलां
खूब पळयल्यांत हालीं!

हांवें म्हळें –
वाचुकूंय मेळ्ळां खूब साबार
एक न्हय तर चार भासांनी!

इश्ट म्हणटा –
शांतीची जीण जगपाक जायना
मन अशांत जायत वता
घुसमट मारता, कितें करूं?

हांवें म्हळें –
धर्मार्थ सेवा करपी संस्थ्यांक
दान दिल्यार पांवता?
दर वर्सा आमी अशें करी
भुरग्यांक नोटबुकां भेट दितात!

इश्ट म्हणटा –
म्हणन दिसता म्हाका
निरशेणीन आनी कडूपणान
आड्डून म्हणन दिसता
दळडीरपणाचीं चित्रां आनी रिलां
खूब दाखयल्यांत म्हाका
ह्या देशांतलीं, शेजराचीं
आनी पयसुल्ल्या देशांतलींय
आनी मुखार तीं दाखोवं नाकात!
दाखयात म्हाका हाच्या कारणकारांक
जीं तोंडां आजून लिपुनूच आसात
तींच मुखामळां दाखयात म्हाका!

हांवें म्हळें –
अशें कितें हे आदींय
कोणे तरी म्हळें आसुंये..

इश्ट म्हणटा –
सुंदर आसुंये तीं तोंडां
मायेस्त दिसुंये फोटवांनी
पूण तांची खरी वळख
संवसारा मुखार येवंक जाय न्हय!

ह्या आनी अश्या उतरांनी आमी
समाधानी जावंक सोदतना
अचकीत वयल्यान येवन
आमच्या पायां लागी पडलो
एक ल्हानसो हारसो!

आमी दोगांय आतां गोंदळ्ळ्यात
कोणें हो हारसो उडयला? कित्याक??
♦♦

आवय आनी अर्धांगिनी

आवयची याद आसा
तिच्या मोगाचीय याद आसा
तिणें वचून आतां
चार दसकां जाल्यांत
तरीय पूण तिच्यो यादी
पुसून वचूंक नात
हे म्हजे कुडींत
श्वास आसूं मेरेन
त्यो पुसून वच्यो नात

उपरांत आयली
जिणेच्या प्रवासांतली
सहचारिणी
जीवितांतल्या सुख दुखांची
सहभागिनी, सहधर्मिणी
म्हाका सदांचो सांगात
आनी तेंको दिवपी
म्हजी अर्धांगिनी

एकामेकाची आमकां वळख नासली
पूण वळखून घेवपाक
सगळी जीण आशिल्ली

तिचे विशीं आतां कितें बरोवं?
पुराय उतरां बंद करपी
एक म्हत्वाची जाणीव
जोगूल कशी म्हज्यांत उदेल्या

हांव बसून म्हजी लिखणी झरयतालो तेन्ना
ती झरयताली तिचीं हाडां..
♦♦

हारश्यांत कोण दिसता?

जागेर येवन उठ्टना, तोंड धुता आसतना,
हारश्यांत पळयतना, कोण दिसता?
चार दांत शेणिल्लो, माथ्या केंस पिकल्लो
हात पाय दुखतल्लो, जाणटो दिसता.

दनपारां जेवतना, तोंड धुता आसतना,
हारश्यांत पळयतना, कोण दिसता?
आवडीन जेविल्लो, वावरांत बुडल्लो,
कर्तव्यां करतल्लो, गृहस्त दिसता.

तिनसांज फुलतना, हात पांय धुतना,
हारश्यांत पळयतना, कोण दिसता?
च्या काफी पितल्लो, गीत गुणगुणायतल्लो,
पोरा कडेन खेळटल्लो, घोव दिसता.

रातचो वेळ जातना, न्हीद उडून वतना,
हारशा मुखार रावतना, कोण दिसता?
चिंतनांनी घुसपल्लो, भावनांनी शेणिल्लो
स्वताकूच विसरिल्लो, परकी दिसता.
♦♦



वोल्डेमॉर्ट

हॅरी पॉटराची काणी वाचली
वोल्डेमॉर्टाची वळख मेळ्ळी
मरण चुकोवपाक खंय बाबड्यान
आपल्या आत्म्याची वांटण केल्ली

तो दुश्ट आनी पापी खरो
पूण ताचे आनी म्हजे मर्दी
कितें तरी साम्य दिसता कितें ?
एक दुबाव काय हुसको उदेला.

कांय वांट्यान गोंयकार हांव
कांय वांट्यान केरळकार खरो
कांय वांट्यान हिन्दू जाल्यार
कांय वांट्यान क्रिस्तांव लेगीत

कांय वांट्यान कवी जाल्यार
कांय वांट्यान घरकारूय हांव
म्हजेय आसात सात वांटे
म्हज्यांत मेळत आनीकूय वांटे
तशें पळयतना, भावा,
हांवूंय बी एक वोल्डेमॉर्टूच!
♦♦

दीपावली

उजवाड लिपूंक सोदीना
उजवाडाक लिपूंक कळना
उजवाड काळखाक भियेना
उजवाड काळखाक वळखना.

व्हड आसो वा ल्हान
तो आपलें काम बरोबर करता
सतत करता, निरंतर करता.

उजवाडाची देख घेवंया
उजवाडाक भितर बसोवंया
तेजवंत जावंया
निर्भय जावंया.
♦♦

नयना आडारकार

दंगल

जेन्ना जेन्ना उसळटा दंगल
उसळटा क्रुरताय मेत्रान मेत्रां
आनी ओटीपोटांतल्यान गुळो येवन
आंवळत वतात अस्तुरेचीं गात्रां
कारण जेन्ना उसळटा दंगल,
फडकतात वासनेचेय बावटे, आनी
रोमतात ते आरपार चिरीत
अस्तुरेचें अस्तित्वूच, म्हणून
जेन्ना जेन्ना उसळटा दंगल
ओटीपोटांतल्यान गुळो येवन
आंवळत वतात अस्तुरेचीं गात्रां
दंगल उसळ्ळी काय...

♦♦

हांव तुमचो उपकारी...

आतां पर्तुनूय तुमी म्हाका
बसयलें सत्तेचे मठयेंत
मत घालून म्हजे होटयेंत
तुमकां राखतां राखतां
'हातचें राखपा'चीय तुमी
संद दिली बरी
म्हूण हांव तुमचो उपकारी...

हांव आयकतलों तुमचीं
दुखखां आनी कागाळी
येवजण्यांच्यो रोखड्योच हांव
खरडितलों वळी
तुमचें करता करता
'आमचेंय भरपाची' तुमी
संद दिली बरी
म्हूण हांव तुमचो उपकारी...

तुमकां नोकऱ्यो नात
दितलों नोकऱ्यो
आपरोजगारांक
अनुदानां भाकऱ्यो
तुमकां पोटाक लायतना
'सूर-रोंट' खावपाची तुमी
संद दिली बरी
म्हूण हांव तुमचो उपकारी...

तुमचे सेवेक
चलयतां सरकार
तुमचेच खातीर चलता
म्हजें घरदार
म्हज्या घरादाराचो
देशभर विस्तार करतना
मसत्ता हाताळपाचीफतुमी
संद म्हाका दिली
म्हूण हांव तुमचो उपकारी...

♦♦

तो कसो आसा

तो कसो आसा ?
विचारताले म्हाका कोणूय
मतेन्ना आसा, आसाफम्हूण
फुट्टालीं तोंडांतल्यान उतरां
आनी हांवूच आंग काडटालें.
मआसा, जितो आसाफ
मआसा, आसा म्हणून आसाफ
अशें कितेंशें हांव सांगतां
अशें म्हाका दिसतालें
आनी त्या किण्ण रातीक
निशब्द उरताली ती हॉस्पिटलाची
अजस्त्र उदकाची टांकी पलतडी
निशब्द अशें हांव आलतडी
मदीं निश्चल
फकत स्वास चलता म्हूण तो
महय, आसा हांव आसाफअशें सांगीत.
अजुनूय रातीचीं भिरांकूळ सपनां
म्हाका निशब्द करता तेन्ना
संथ लयींतलो तो स्वास
म्हाका पयशिल्ल्यान आयकूंक येता.

♦♦

दर्या आनी देग

दर्याक जायच आसता देग
दुकां झडोवंक
आनी देगेक आवडटा ताच्या
दुकांक आडोवंक

आसता दर्याच्या दुकांक
सुकती भरती
आसता ल्हारार ल्हारांची
चडटी देंवती

दर्याचीं दुकां येता
घेवन एक गाज
देग तांकां न्हेसयता
फेसयाळो साज

♦♦

अस्तुरी

अस्तुरी एक प्रतिकृती
मोग-भोग-त्यागाची.
तिका शिंगारतात
कितल्याच रुपांनी
नात्याच्या लेपांनी
आनी मारतात तिचेर
वशीकरण मंत्र.
मागीर अस्तुरी हांसता
एक शीम आंखून.
अस्तुरी रडटा
आपलीं दुकां जोखून.
हुमच्या भितरूय तिचेर
बंधनाचो घंयराव

आनी हुमऱ्या भायरूय
चांटे पावलार
अब्रुचे काशांव.
ती जिरयता आपलेच भितर
सोंशीकसाणेचो दर्या
ती भरशिता आपल्याच
सपनांची माती
आनी रचता एक नवें नगर
बांदपा खातीर
आपल्याच मनशांच्या
इत्सांच्यो इमारती.
♦♦

मनीसपण वाचयात

ही भूंय एका तेंपार
पाचवीचार रुपगर्विता
आतां तिनसांजची
परवड आयकुची तशी
आऱ्यापयऱ्यान
मवाचयात वाचयातफ्वी
आरड आयकता आनी
आयकता आयकता
आपल्या भितरूच हुडकेता.

एका तेंपार
तिणे केल्ली अपुरबाय
फुलोवपी फळोवपी मनीसजातीची,
आयज ती आयकता
मरानां वाचयात रानां वाचयातफ्वे साद
आनी कापिल्ल्या रानांतल्यान
आंग लिपयतां लिपयतां
पळयता रातीची वाट
एका तेंपार मनशान केल्ली
उदरगत पळोवन
तिचें हड्डें आयिल्लें फुलून;
आतां हांगा कत्तल थंय बॉम्बस्फोट
'धान्य वाचयात, पेत्रोल वाचयात,
मनीस जाला दुकळग्रस्त
ताची जीण वाचयात'
आयकून आयकून
तिचे कानूय गेल्या किटून

वराहरुपी विष्णु देवळांनी जाला बंद
आनी देवा धर्माच्या नांवान
चल्लां सगळ्याक बंड
आतां आयकूंक येता किंवाट्याचो गजर
'देव वाचयात, धर्म वाचयात,
वाचयात गांव, भास वाचयात,
ह्या देसा पसून तो देस वाचयात
चल्ला रक्तखेव
मनशा पसून मनशाक वाचयात'

भुंयेक आतां जायना सहन
आनी भूंय कांपता
त्सुनामी आनी ल्हावाच्या आक्रोशान
तिकाय हुलोप पेट्टा आनी
'आरे कोणीतरी मनीसपण वाचयात'
म्हूण ती आकांतून रडटा.
♦♦

अँड्र्यू डीकुन्हा

पेन्नु बेका पेन्नु

आज परत हातीं धरलें तें लांब पेन्न
आयकतां तेंच गीत
'पेन्नु बेका पेन्नु'

दोन वर्सां आद्ली याद
तीन शब्दांचो नाद....
लोकडाव्नाच्यो घड्यो त्यो..

लोकाचो गलाटो ना,
गाडयांचो आवाज ना
बिजय मार्केटिंतल्या कुंकडांची किंक्राटय ना
सुकण्यांचो आवाज सोडल्यार सगळ्यांनी मौन
त्या मदें व्हडल्यान आयकलो चलियेचो ताळो
'पेन्नु बका पेन्नु'

बाल्कनी थावन रस्त्याक तिळतना
एकसुरें गा यतालें भुरगें
हातीं लांब पेन्नां उबार्न
'पेन्नु बेका पेन्नु'

लोकडावनाच्या फुगासांवांत
भितरल्या भितर कांपच्या सर्व ताळ्यांची
आवय म्हळ्ळ्येपरीं व्हाळतालो...
हे चलयेचो मुग्ध मधुर ताळो
'पेन्नु बेका पेन्नु'

ह्या ताळ्यार्चीं कंपनां
म्हज्या काळजाचे उडियां मदें कांपताना
सोसूंक जायनासतां सरारां सकयल धांवलों
बिजय जंक्षना लागीं एकसुरें उबें भुरगें

विचारलें हांवें–
'पोलिसांचें तुका भ्यें ना?'
'भुक सांगाता आसताना
भ्यें कोणाचें अण्णा?!'

भुरग्याचे जापीक काळिज हाल्लें!
'पेन्नु बेका पेन्नु' तें गांवक लागलें
एक डजन लांब पेन्नां घेवनच आयलों

तीं पेन्नां आतां बरयनांत
पुण तीं उलंवक आनी गांवक लागल्यांत!
आप्रूप एकेक पेन्न हातीं धर्न
काळिज दीवन आयकतां
म्हज्या शिरां शिरांनी स्पिरीत भरुन
कणां कणांनी कंपन हाडचें तें
लोकडावनांतल्या त्या रिकाम्या रस्त्याक
जीव भरल्लें तें...
एके वोळिचें
तीन शब्दांचें
मुग्द, मुक्त गीत!

पेन्नु बेका पेन्नु...
पेन्नु बेका पेन्नु...
♦♦

सायरन

स्मार्टसिटी रस्त्यावयले
गूंड फोंड अनी रूंद पोंग लेकिनासतां
झजोंक वेचेपरीं गर्जोन
उडोन, उसळोन धांवालागली ऑटोरिक्शा

चालकाच्या मोबायलांतल्यान उठच्या
झुजा खबरेंच्या किंक्राट्यां मधें
म्हजी विनवणी 'सवकास चलय अण्णा'
ताच्या कानांक पडलीना!

'ह्या पावटीं तांका बचावी ना
आमचो मुखेली दुस्मानांक खाली करतलो
तांचो देश सगळो भस्म जातलो...'
मत भस्मुंचो क्रोध
ताचे दोळे उजो वोंकताले...

तितल्यार ताचें फोन गाजलें
स्पीकरार स्त्रीयेचो कांपचो ताळो
'सगळ्यांनी हेणें सायरन आयकाता
लक घरां थावन भायर आयला'
भुरग्यांनी व्हडल्यान रडचें आयलालें
'अप्पा वेगीं ये, भें दिसता...'

'हांवे अतांच वचाजे पडता...'
रिक्श्या देगेन थांबली. ताळो निवलो!
'वच वच, खंडीत वचाजे तुवें
अत्म्यांत तुज्या मनशापण जागेंच आसा
पुण सांग म्हाका – सोजेराचीं बाळां रडताना
तांनी झुजाथळ सांडून घरा फाटीं धांवचें कशें?'

मौन! ताच्या दोळ्यांतलो उजो पालवल्लो
♦♦

बामुणाच्या आंगणांत

बामुणाच्या आंगणांत
व्हाडोन रावलल्या त्या
प्राचीन रुकाचीं
पाळां वयर पडताना
बामुण सगळो विज्मित
पाळां तांच्येच वेवेगळे बोलींनी
ममणमणफकन आसल्लीं!

तांचीं 'मणमण'गाणां
बामुणाक समजालींनांत!
पाळां तीं पाळां,
खोंडल्यार रूक मरत
बामुणान मुळाक एक काटें बांद्लें
आनी सोभायेच्या आंगणाक, उत्सवान
नव्याच नांवान वोलायलें.
मसरस्वती आंगणफ

रूक विसतारून पालेला!
आतां त्या अंगण्यांतल्यान
पानांचीं, फांट्याचीं
सालिंचीं अनी सावळेचीं
संशधनां घडतात!

पाळां?
तीं आदिमागांचीं!
आजून 'मणमण' करतात!
खळानासतां थळांत घोळतात!
♦♦

पाकटे पाफुडचो राजा!

पाद्र्याब दाट्टु आवचीत घरा येताना
आंगणांत खुशेन उडकाणां घाल्न आसल्ल्या
म्हज्या धव्या कोंब्याक
म्हज्या बाबान धर्न उकल्न व्हेलो!

गोम्टी कातन सळसळ्या उद्कांत घाल्न
पाकां वोडूंक लागीं आपयलें म्हाका
म्हजें कुसुंकुसुं आयकोन विचारलें
'रडताय कित्याक रे?'
'म्हजो राजा!' हांव व्हडल्यान रडलों
कोंब्याचें उग्तें आंग आपड्न!

'आंगणांत खेळल्लो तुजो राजा
मांस खावन जिरल्या उपरांत
तुज्या जिवांत सुड्सुडीत उडतलो.
अळे! त्यो कुंडल्यांतल्यो मासळ्योय
उप्येतल्यो तुज्या रगतांत
अंत्य म्हळ्ळें ना देवाच्या रचणांक...'
म्हाका कितेंच समजालेंना, उटलों हांव!

नार्ल भेतल्ल्या आवाजाक धांवलो बाबालागिं
कांतळेक हांवें दांत तोंपताना
'पळे, नारलाक दुखलें ' बाबान तुक्लायलें!
गोड उदक शिरांनी व्हाळ्ताना
इल्लेशें कितेंगी सम्जाल्ल्यापरीं जालें!

आतां म्हाका सारकें समजालां!
सदां सूर्यो उजवाडताना
हद्यांत पाकटे फापुड्न
साद घालता म्हजो राजा!
♦♦

पानाची उडी

सुकण्यांक पळेवन रुखा पानाक
वाऱ्यार हूबची आशा उबजाली
पाखांक आपड्न विनवणी केली
'ए सुकण्या – म्हाका हूबोंवक शिकय'

'नाका नाका' समजयलें सुकण्यान
मजाय जायफपरातलें पानान
शिरांनी म्हज्या उजो सोसना
आकास चिंवची आशा तड्वना

फांट्यार घडलो सुकण्यां सम्मळ
तांचे पाखाटे फापुडचें वाजप
वाऱ्याच्या संभ्रमीक गायानांत
तुटलें पान, सुटकेची उडकी मार्न

मुक्त हव्यांत भोंवलें पान
भोव पयस आपल्या मुळा थावन
धरणीक तेंकूंक वाऱ्यान सोडलेंना
जिवीत खोली जाल्लें कळ्ळेंच ना!

थांबला उजो, आतां पाटीं वेची आशा
सुकणीं? तांकां तांचीच खंत आसा!
सुळिवारें नाचता, खोलयांक आंबुडता!
घायेल्लो देंठ आजून थंय व्हांवता!
♦♦

मनोज नरेंद्र कामत



अणू

बारिकांतलो बारीक
रसायनीक तत्वांचो मूळ
कण आनी पदार्थ हो अणू
प्रोटॉन, न्यूट्रॉन आनी
इलेक्ट्रॉन हांचो वांगड करीत
कूड घडयता मनशाची
पिळग्यो उत्क्रांत जावन
निर्मिता

परमाणू बॉम
पुराय विनाश करून
सोंपयता
मनशान जगयिल्लो
वाडयल्लो संवसार
पिळग्यो
ना नपयत करून
कांय खिणांतूच
प्रखर ऊर्जा निर्मणेंतल्यान

एक निसर्गाची निर्मणी
दुसरी मनशाची करणी
निसर्गाच्या विपरीत परिणामांची
♦♦

उदक

हे धर्तरेवयलें
रसायन
अजैवीक संयुग
जें जिवावळीक
आदार करता जियेवपाक

खंयच्यान आयलें काय
हें धर्तरेचेर ?
पांच महाभूतांतलें
एक तत्व
पुराय धर्तरेचो एक घटक
जावन

मनशाचे कुडीचो
व्हड भाग उदक
आनी स तत्वां :
प्राणवाय, कार्बन, हायड्रोजन,
नायट्रोजन, कॅल्शियम, फॉस्फरस

अवयवांची निर्मणी
फुफुसांनी घोळपी वाय
काळजांत घसघसपी प्रवाह
मुत्रपींडांत नितळपी रगत
मेंदवाची कार्यक्षमताय

वाळवंटांतलो ओएसिस
विचारांतलें मृगजळ
दोळ्यांतलें दूक
उगडासांतलो पाझर

वाफ
कूप
पावस

सगळेंच उदक
हेर गिऱ्यावळींत
तेंच ना!
सगळ्यांक वेगळावपी

कठीण उतरां :
अजैवीक संयुग – Inorganic compound
♦♦

पारो

मनशाची जीण
म्हणल्यार पारो कशी
धरपाक गेल्यार
हातांतल्यान सुटून
हळूच निस्तुपी
सुगावो लायनासून धांवपी
कणा कणांत शिंपडपी
संवासाराच्या घडितांनी
न्यूनगंड बाळगून

बऱ्या अणभवां वांगडा
वायटूय दशिल्ले आसतात
जिणेक
पाऱ्याच्या कणांभशेन
हाडूंक जाय एकठांय
हे सोबीत खीण
एकजीव करूंक जाय तांकां
तेन्ना दुखाचे खीण
आपुणूच पयस जातले
पाऱ्याक दशिल्ले
गरज नासून जिणेचो
भाग जाल्ले

सिनाबारांतल्यान पारो
जसो घडटा
तशीच घडोवंक जाय
आमची जीण
वेळाकाळार बदलपाची
शक्त बाळगून
जाय थंय
जाय तेन्ना
जाय तशी
जाय तितली
बागोवपाची दवरूंक जाय
तयारी विचारांक

थरमोमिटराच्या पाऱ्याभशेनूच
कुडीचो पारो
संतुलीत दवरूंक जाय
दुख-सुखाच्या
जिणेच्या खेळांत
शांत रस बाळगून

हेच सुखाचे खीण
संगठीत करूंक जाय
वाडट्या वयाचे उगडास म्हूण
पाऱ्याभशेन आकार नासून
खंयचोय आयाम घेवपाची
बाळगूंक जाय आत्मशक्त

तेन्नाच शेणत वचपी जीण
जियेवपाची आस जातली
ती पाऱ्याभशेन चकचकतली
हेरांचेय जिणेचो
भाग जातली
आपसूक
अळंग
जिणेतल्या सदच्या साच्यांतल्यान
भायर सरून
पुर्णत्वाकडेन पावत
♦♦

मॅग्मा

काळजांत द्वेश
आसचोच कित्याक?
हुलपतना भितरले भितर
भायल्यान शांत शांत
उदक, दोंगर, पर्यावरण
शितळ दिसपी दोळ्यांक!

ज्वालामुखी आक्रंदून
सरतच भायर
उजो, धुंवर करून
वितळिल्ल्या खडपांच्यो न्हयो
वाट सोदीत मेळत थंयच्यान
नपयत करीत स्रश्ट
हुलपावन

न्हिवतच परतून
घट्ट घट्ट जातना
भायल्यान
निश्क्रीय दिसत
खंयच्याय वक्तार
सक्रीय जावपाची
वाट पळयत!
धर्तरे प्रमाण
घडये दर एका मनशांत
आसता हो सबाव गूण
भायल्या आनी भितरल्या
दोन तासांचो

मनीस देखुनूच
हुलपत वता भितरले भितर
जिवो आसतनाच
व्देश बळावतकच

हो मॅग्मा
न्हिवोवपाचें जाय बळ
विचारांच्या वादळांत
मेंदवाचे वासाडींत
काळजाचे खोलायेंत
मुळासावन
यम आनी नियम आपणावन
ध्यान, धारणा आनी समाधी
योग सूत्र बाळगून
प्राण, बिन्दू, प्रणव माध्यमांतल्यान

गूण, स्वभाव, प्रकृती, रुची आनी
सामर्थ्याचो माग सोदीत

शांत जायत वचत
शांत जायत वचत
♦♦

स्मिता तिंबले

शब्दुलीं

मिरयां कशी बियां,
झालर कश्यो पाकळ्यो,
लोण्या परस मोव देठ!
एका फुलाचे
रंग अनेक,
अशी सादी, सोबीत शब्दुली!

सांजेची फुलवात
रातीची सोडटा साथ
नित्य नवीन फुलां
आनी झुडूप भरून पावलां
अशी गुणी, नाजूक शब्दुली!

येतले-वतल्याक करता प्रसन्न
मंद सुवास, भुलता मन..
रंगरूपाचो सुरेल संगम
अशी मोगाळ, दिलदार शब्दुली!

पदभ्रश्ट जाल्यार,
परत किल्लून, फुलूंक तयार!
देठ बागोवन फाती, जाता हातार!
तिका नवलायेची सुंदर किनार
अशी शाणी, अप्रूप शी
शब्दुली!

तुका ना मोल बाजारांत,
तरी स्थान तुका दर आंगणांत..
तुजें एक एक बिज मूल्यवान!
पावसा थेंब्यार, शांत समयार
किल्लून येतात बियां हजार
अशी उदार, म्होवाळ शब्दुली!

गुलबक्षी तू, दिलखेची तू..
भुरगेपणाची इश्टीण तू.
पयलें हुंगिल्ले फूल तू,
आयज मुजरत सांगता तुका
म्हज्या पोरसाची गो रसणाय तू!
म्हजी बालमैत्रीण शब्दुली!

♦♦

तळमळ शी

मूर्त तुजी उबी मनांत
तळमळ शी लागल्या उरांत
जाणा आमी आसा उशीर
जीव खीणात जाता अधीर

वल्या पातकड्यांनी आता
न थांबपा थारायलां
थातारील्ले मन आता
दुथड्यो भरून व्हांवूंक लागलां

पलतडीय फुलल्या बाग
राना वनांक आयल्या जाग
निवळ आकाश स्वच्छ प्रकाश
आसमंत परजळला

♦♦

मोर्चा

पयर रस्त्यार येदो व्हड मोर्चा जालो
मोर्चा पळोवप आमकां नवें न्हय.
रस्त्यार काम करतल्यांक, मोर्चाचें कितें ?
तांका वाट दिवपाक आमी–
मातयेर, फोंडांत, फुटपाथार
आनी न्हय थंय राविल्लीं.
मोर्चा वाल्यांनी हातांत दांडे धरील्ले
पाट्यो धरील्यो. आनी आनी..
फोंडकुलांचोच चित्र घेवन ते बोबाट मारताले.
रस्त्यांवेली फोंडकुलां बेगीन पुरयात.
रस्ते बेगीन करात. मनशांचो जीव वाचयात..

आमी, फोंडकुलांनी रोमिल्ली तीं मनशां न्हीं काय ?
आमची पोरां चिरगुटां पांगरून,
उगत्या पायांनी फातराक आडुतात, तांकां दुखना काय ?
आमच्या आंगार जावपी धुल्लाचो फवारो
आमच्या फुफुसांनी भरना काय ?
मोर्चा चलला मनशांखातीर
आमी मनशां न्ही काय ?

♦♦

आमी मरत चलल्यात

कोविडच्या पयली, आनी आतां यबी,
आमी मात्शे मात्शे मरत चलल्यात
आमकां दोळे आसात पूण दिश्टी पडना
मेलो–गेलो जाल्यार दोळयांनी दुकां व्हांवनात
सगलें कानार पडटा, पूण आयकूंक येना.

कोविडच्या पयलींय आनी आयजूय
आमी इल्ले इल्ले मरत चलल्यात
आमी उतरां शिकल्यांत पूण उलोवंक येना.
बरोवप सोडात, बरयल्लेंय वाचूंक येना.
आमी कोणाक ''जय'' करतात तेंच खबर ना,
सांगलां ते आमी करतात, कित्याक तेंच होलमना

आमी थोडे थोडे सोपतूच चलल्यात
आमचे रगत हून जायना
आमच्या कपलार शीर तिडकना
आमी पेटून उठून विरोध करीनात
केल्या विरोधाकूय तेंको दिनात

आमची गात्रां थंड जायत चलल्यांत
आमकां आता रंग वळखूंक येनात
जळून खाक जाल्लेंय आमकां अस्वस्थ करीना
व्हिल्ली केळ उमथल्यार आमकां जाग येना
सवण्यांचो घोटेर मोडलो म्हूण आमी धांवनात

मरत–मरत आमी आता जगूंक शिकल्यात
फटीचें हांसूंक आनी दिसूंक शिकल्यात
आभासाक सत्य मानूंक शिकल्यात
विचारांचे रूपडें बांदून जगूंक शिकल्यांत
मरत–मरत आता आमी जगूंक शिकल्यात

♦♦

बेवारशी रानफुलां

रितें, मोडकें घर.
घराच्या वसवणेंत
फुलपी रानफुलां. घोळक्यांनीं..
मस्तेन किटकिटत, नदरो चुकयत,
फुलतात अगणित.
उचांबळून नाचीत..
तांकां ना दनपारचो हुस्को, ना फाल्यांचो
या रानफुलांच्या मुळाक ना उदका थेंबो
ना मातयेचो वास, ना सा-याचो घास.
तरीय..
कुचकुचीत फुलां हांसतात
नदरांक खुणायतात..

सांजेर, घडये वादळ येत,
झाडाचें आंग विस्कटावूनय वचत.
अकस्मांत घालोय पडत..
दुकाळांत फुलां सुकुनय पडत

रानफुलांक सगळें आसा खबर
तांका ना दार ना घर.
: ना कितेंय शेणपाचोय ''डर''.
मोडक्या घराची फाटली सुवात.
आशेची इतलीच वात

आता घडये फुलांची बियां हुबून वचत
गांवच्या वेशीर किल्लूनूय येत!
बेवारशी रानफुलां ..घोळक्यांनी
परत एकदा..अनेकदा फुलत.

किटकिटत, घोळक्या-घोळक्यांनी
मस्तेन..नदरो चुकयत..
निमणें, निर्माल्य जावपाक, परत फुलपाक.
कोणाखातीर? कित्याखातीर??

♦♦



फासिझम

नागेश करमली

नागेश करमलीच्या काव्यांत अभिव्यक्तीचें सादेंपण आनी भावनीक – तत्वगिन्यानी खोलाय आशिल्लें शांत खर सौंदर्यशास्त्र आसा. ताची काव्यसंवेदना जियेल्ल्या अणभवांत रुजल्या, जंय सादारण खीण, दृश्यां आनी नातें चिंतनाचीं स्थळां जातात. अलंकृत भाशेचेर वा किचकटीचे रचणुकेचेर आदारून रावचेपरस करमलीचें सौंदर्य बळगें संयम, स्पश्टताय आनी सुचवणी हातूंत आसा.

पयलेच फावट
ते आयले ते
मायभुंयेच्या मोगान
सामके पेटत,
नारे गाजयतः
देश महान्!
लोक महान्!

आमी महान्!
सगळ्यांनी तांचो
जयजयकार केलोः
तांणी म्हळेः
देशाखातीर घाम गळयात!
देशाखातीर रगत वारयात।
परतय तांचो

जयजयकार जालोः
लोकांनी म्हळेः
हाकाच म्हण्टात देशभक्ती!
हाकाच म्हण्टात खरी शक्ती!
कांय दिसांनी
मागीर ते
आपणाल्या धर्माचे
धर्मबांधव
सोदीत आयले;
तांणी म्हळेः
आमचोच धर्म खरो!
आमचोच धर्म बरो!
परतय तांचो
जयजयकार जालो...
पूण
बरेचशे लोक
काचाबूल जावन
दारां धांपून आपापल्या
घरांनीच रावले.
मोन्यानीच प्रार्थना
करीत रावलेः
देवा, आता खऱ्यांनी
तूंच आमकां सांबाळ;
ह्या देशांत
आमकांय थाकाय दी.
आमचो ग्रास
जोडपाक आमकांय
शांती दी!
उप्रांत,
कांय दिसांनी
ते परतय आयलेः
हे खेपे,
आपणाल्या पोशांनी
ते देवांच्यो
रासभर मुर्त्यो
घेवन आयिल्ले
तांणी हुकूम सोडलोः
फकत ह्याच देवांक पुजात!
ह्याच देवांचीं
देवळां बांदात!
हेच देव–
आमचे राष्ट्रदेव!
ह्या देवांक मानिनात
तांकां
देशाचे दुस्मान लेखात!
तांकां तन्नाक म्हारग करात!
अन्नाक म्हारग करात!
तांकां
जीव नाका पुरो करात!
देवांच्या नांवान
परतय जयजयकार जालो.
भंयाभीत–
दारां धांपून घरांतच
मोन्यानी प्रार्थना करपी मात
देवाक होरायत
तशेच रावले;
संकश्टांतले निवार
म्हणीत रावले!
कांय दिसांनी
ते कांय पुस्तकां
घेवन आयलेः
तांणी म्हळें :
देशभश्ट्यांनी रचिल्लो
तो आदलो इतिहास
पिंजून आतां
भायर मारात.
ह्या पुस्तकांनीच
आमचो खरो
इतिहास आसा;
तोच वाचात–

तोच शिकात.
तोच आमचो
खरो इतिहास म्हणात!
मागीर आयले
तांचे बावटे हुबोवपी
संत, महंत आनी बाबा;
तांणी म्हळें :
सगळ्यांक समान हक्क
सगळ्यांक समान अधिकार
हें सगळें फट...
सामकें फट;
आसल्यारय तें फकत
कागदार.
कारण, संवसार निर्मणी
मुळांतच,
असमानकायेचेरच
आधारिल्ली आसा.
जशीं ल्हान झोपां, व्हड झोपां,
जशे ल्हान रूख, व्हड रूख,
तेच भशेन
हांगा गरीब जाय.
गिरेस्त आसतलेच, आसचेच...
हांगा जात आसतली,
आसचीच...
वयली जात,
सकली जात,
शाणी जात,
अर्दशाणी जात,
आनी सामकीच
'हय सायबा' म्हणपीय जात...
हें सगळें
आदल्यांनीच थारावन दवरलां :
तांचें मानात.
तरच देश तरतलो–
वयर सरतलो.

जो कोण हाका
विरोध करतलो,
तो धर्माचो, देशाचो
दुस्मान थरतलो!
ह्या वेळार कोण तरी
आवाज काडूंक वेताले...
पूण तांणी म्हळें :
आतां तुमी
कसलीच जाप काडपाची
गरजच नाः
तुमी फकत आयकात!
हे मुखार,
तुमचे खातीर
चिंतपाचें आनी उलोवपाचें
काम
फकत आमी आनी आमीच
करतले!
कारण
परंपरेन तो अधिकार
आमकां दिला–
ती जापसालकी आमची!
देशाची ही चौगरीत–
हीच सुसंस्कृताय,
व्हडविकाय!
लोक वोग्गी!
भौस वोग्गी! सामको चिप्प!!
तरीपूण,
विरोधांत कांय हात
वयर सरलेच;
ते हात तांणी
सारके मेजले!
फुडल्या कांय दिसा मदें,
त्या हातां मदले
कांय हात गोमट्यां सयत
खंय तरी

गळून पडले, नाच्च जाले.
कशे, कितें
कोणाकच कांयच कळ्ळें ना–
केन्नाच कळ्ळें ना.
कोणाक विचारपाकय
कोणाक काळीजच जालें ना
कारण,
दर एकाक आपापले
हात आनी गोमटीय
शाबूत राखपाची आसली!
सगळें पळोवन
आनी अणभवून–
रावंक नजो जावन,
एक दीस
आपशीच
म्हाका म्हणूंक आयलेः
हो देश महान् ,
खऱ्यांनीच जाता आतां ल्हान,
ही जनता महान्
खऱ्यानीच जाता आतां
सामकी सान...
इतलेंच,
आनीक कांयच ना;
म्हजे लागीं ना शस्त्र, ना अस्त्र
तरी पूण,
ते म्हाका सोदीत आयले.
तांणी म्हळें :
तुजेर देशद्रोहाचो
आरोप आसा;
तुज्या उतरांनी
तुवें देशाचो अपमान केला --
देशांतले जनतेचो
अपमान केला;
देशाक ल्हान केला,
जनता ल्हान जाल्या.
म्हाका तांणी
उलोवंकच दिलें ना;
असहमती खातीर हात
वयर काडूंकच
दिलो ना.
ते पयलींच
दोनूय हात
बेडयांनी अडकल्ले!
तेय परिस्थितींत
म्हाका उतर फुटलेः
आरे देवा,
देशाक आतां तूंच सांबाळ!
तांणी म्हाका
दटायलो, दबकायलो,
म्हळें :
देशाक सांबाळ ?
राव,
आतां आमीच
तुका सांबाळटले...!
आनी ते उप्रांत
बरेच दीस,
म्हजी जागमाग
कोणाकच कळ्ळी ना!
म्हजो ताळो
कोणेच आयकलो ना!

❑

(थांग अथांग)

आमची काणी

आमची काणी
दोन उतरांची
आमची काणी
चार उतरांची
आमची काणी
मंत्रां गजरांची
आमची काणी
मोन्या वेदनांची
आमची काणी
हुलपां तापांची
आमची काणी
काणये कणांची
आमची काणी
मनशां मात्रांची
आमची काणी
दुखां वझ्यांची
आमची काणी
सुखां सपनांची
आमची काणी
घायां रगताची
आमची काणी
मळबा तळाची
आमची काणी
मनीस मनाची

❑

(थांग अथांग)



कलाकार जावप म्हणल्यार चारित्र्याक आकार दिवप : राजन श्रीपाद फुलारी

एल आल्तावोज

समकालीन भारतीय कलेच्या सदांच उत्क्रांत जावपी वातावरणांत कांय व्यक्ती सातत्याचे आनी सृजनशील अस्वस्थतायेचे आदर्श म्हूण उबे रावतात. तातूंत राजन श्रीपाद फुलारी फकत एक कलाकार न्हय तर भौआयामी कथन म्हूण उदेता एक निर्मातो, शिक्षणतज्ञ, क्युरेटर आनी दृश्य संस्कृतायेचो राखणदार, जाच्या जिवितांत आनी वावरांत परंपरा आनी नवनिर्माण, थळावी अस्मिताय आनी संवसारीक वेव्हार हांचे मदलो एक सहज संवाद दिसता. ताची कला निश्क्रिय न्हय; तें गतीचें मूर्त रूप ताची कला फकत शैलीगत वर्गाची प्रतिनिधी न्हय तर जियेल्लो अणभव उक्तावपी सौंदर्यशास्त्राचो पुरावो.

शिवोले गांवांत जल्मल्ल्या फुलारीचो कलेचो प्रवास औपचारीक शिकवणेतल्यान न्हय तर दिसपट्ट्या सांस्कृतीक पद्दतींच्या दृश्य जगांतल्यान सुरू जालो. गोंयच्या उत्सवांचो जितो परिवेश आनी रांगोळी सारक्या परंपरीक अभिव्यक्तींतल्यान ताच्या सुरवातीच्या दृश्य स्वरुपा कडेन आशिल्ल्या संबंदांक आकार मेळ्ळो, जाणें ताचे विस्तारीत आनी चिंतनशील कला जिणेची बुन्याद घाली.

वेवसायीक उत्क्रांती

तो सांगता, ''म्हजें सुरवातीचें जिवीत अनेक थरांच्या संस्कृतीक वातावरणांत किल्लून आयलें.

थंय प्रतिमा, संस्कार, हस्तकला आनी समाज अविभाज्य आशिल्ले. देवळांची प्रतिमा, थळावे उत्सव, हातान रंगयल्ले बोर्ड, कापडाचे नमुने, भक्तीचे छाप, आनी दिसपट्ट्यो दृश्य कविता म्हजे भोंवतणीं आशिल्ल्यो. हें सगळें ''कला म्हूण फ्रेम केल्लें नाशिल्लें, तरी लेगीत तातूंत खोलायेन सौंदर्यबुद्धी आशिल्ली.''

ह्या अणभवांविशीं तो विस्तारान उलयता, ''रस्ते म्हजी पयली गॅलरी आशिल्ली. गणेश उत्सव, थळावो तियात्र, मिरवणूक, भौशीक जिणेची सादरीकरण संस्कृताय हांणी म्हाका कला मनशा खातीर आसता हें शिकयलें. सामुहीक अणभवांतल्यान ती उस्वास घेता. ह्या सुरवातीच्या उक्तावणान प्रतिमा तयार करपाचे म्हजे समजणेक एकसुरेपणांतल्यान न्हय तर सहभागी गजाल म्हूण आकार दिलो. कला ह्या खिणां वेळार आव्हान म्हूण आयली. उपरांत म्हजें कुटुंब, इश्ट आनी शिक्षकां वरवीं– खास करून म्हजे शाळेचो शिक्षक रमेश ऐनकार आनी लागींचे इश्ट आलेक्सीझ आनी जोएल हांचे वरवीं ताका आदार जालो.

उपरांत गोवा कॉलेज ऑफ आर्ट आनी वडोदरा हांगाच्या फॅकल्टी ऑफ फायन आर्टस् हांगा म्हजे मुळावे जाणीवेंत अंतर्ज्ञान औपचारीक रितीन खोलायेन वाडलें. रस, भाव, ध्वनी सारक्यो संकल्पना हांवें अंतर्ज्ञानान आत्मसात केल्ल्या गजालींक तत्वगिन्यानी बुन्याद दिताल्यो. कला म्हणल्यार फकत प्रतिनिधीत्व न्हय हें म्हाका दिसूंक लागलें; ती थारायिल्ल्या अर्थाचें उक्तावण आशिल्ली अभिव्यक्ती.''

भारतांतल्या लोक, अभिजात आनी आधुनीक परंपरेच्या सहअस्तित्वाक लागूनय राजन फुलारीची संवेदनशीलताय घडली. संस्कार आनी बंड, पौराणीक कथा आनी आधुनिकता, शिल्प आनी संकल्पना हातूंत विरोधाभास सुसंवादान सहअस्तित्वांत आसात तें पळोवन तो व्हड जालो. उपरांत हें द्वैत ताच्या प्रिंटमेकिंग वावरांत मुळावें जालें: परंपरा आनी प्रयोग हांचो मेळ, शिस्त आनी व्यत्यय हांचो मेळ.

दरेक कलाकाराच्या करिअरांत एक परिवर्तनकारी खीण येता, जाका लागून कलेची पद्दत मुळाव्यान बदलता वा एक निर्णायक मोडण घेता. राजन म्हणटा, ''जायतीं मोडणां आयलीं, पूण एक खोलायेन परिवर्तनकारी टप्पो म्हळ्यार, प्रिंटमेकिंगाकडेन उत्पादन न्हय तर प्रक्रिया म्हूण म्हजी तिगून उरिल्ली संलग्नताय.''

''प्रिंटमेकिंगान म्हाका नमळाय शिकयली. प्रत्यक्ष चित्रकलेभशेन प्रिंटमेकिंगांतली प्रतिमा मध्यस्थी, मॅट्रिक्स, दाब, शाय, उरफाटेपणा वरवीं जाता. प्रक्रिया पुराय जाय मेरेन निमाणो निकाल तुमकां दिसना. ह्या कळावाक लागून धीर आनी शरण येवपाचे गुण म्हजेभीतर आयले. आनी एक निर्णायक खीण म्हळ्यार कले कडेन सजावट न्हय तर चवकशी म्हणून पळोवपी कलाकार आनी मार्गदर्शकां कडेन म्हजो संपर्क. वरिश्ठ कलाकारां कडेन संबंदीत, राश्ट्रीय आनी आंतरराश्ट्रीय कार्यशाळांनी वांटो घेवप, आनी प्रदर्शनां क्युरेट करप, खास करून विंगड विंगड कलाकारांक एकठांय हाडपी प्रदर्शनांक लागून म्हजी नदर 'प्रतिमा तयार करप' हाचेवयल्यान 'संवाद तयार करप' हाचेकडेन थळांतरीत जाल्या.''

''तशेंच व्यंगचित्रकार आलेक्सीझ हाणें समाजीक टिप्पणीं कडेन आजीवन दवरिल्ल्या संबंदाचो म्हजेर खोलायेन प्रभाव पडलो. विनोदी तरी लेगीत विमर्शीक, सूक्ष्म तरी तीक्ष्ण उरपाची ताची तांक कलेन विचार करपाक जाय, कलेंत करुणा आसूंक जाय, हाची सदांच याद करून दिता. उपरांत कामाक लागून म्हज्या संस्कृतीक सुवातींच्या थळांतरांवरवीं आनी वेगवेगळ्या मळार बऱ्याच वळखीच्या आनी

वरिश्ठ कलाकारां कडेन आनी हेर व्यक्तीं कडेन म्हजे संलग्नताये वांगडा म्हजी नदर सार्वत्रिक समजूती कडेन बदलली आनी सगळ्यांक एकूच म्हूण पळोवपा खातीर जिवीत शांतपणान निर्माण करपाक आनी जगपाक जाय हें जाणवलें.''

समाजीक– राजकी जाणिवेचे विशय

समाज, याद, पर्यावरण आनी मनशाची लवचीकता हे ताचे कलेंत परत परत येवपी हुस्के अशें तो मानता. ''शारी आनी दर्यादेगेवेल्या भौसाच्या दृश्टीकोना मदीं रावून हांव खूबदां पर्यावरणीय नाजूकपणाचेर, खास करून गोंया सारक्या सुवातींचेर चिंतन करतां, जंय नेटान जावपी उदरगत संस्कृतीक आनी पर्यावरणीय समतोलाक धोको निर्माण करता. संरक्षण आनी प्रगती हांचे मदलो ताण म्हज्या दृश्य शब्दसंग्रहांत परत परत दिसता,'' तो सांगता.

ताच्या सुरवेच्या कलाकृतींनी बुद्ध–ख्रिस्त–गांधीच्या प्रतिमालेखनाचो वापर करपी समाजीक राजकी संदर्भ स्पश्ट दिसतालो. उपरांत दादले आनी बायल मुद्दाम वापरप ताच्या रेखाटनांनी, चित्रांनी आनी प्रिंटांनी मुखेल दृश्य भाशेचो एक भाग जालो.

आनिकूय एक परत परत येवपी विशय म्हळ्यार वेवस्थे भितरली मनशाची स्थिती, जी समाजीक, राजकी, तंत्रीक आसता. व्यक्ती सत्तेचे संरचणूकेकडेन कशे तरेन वाटाघाटी करतात? यंत्रीक काळांत संवेदनशीलताय कशी तिगोवन दवरतात?

''प्रत्यक्ष आनी रूपक ह्या दोनूय प्रकारांनी छापपाची कल्पनाय म्हाका ओडून घेता. आमी फाटल्यान खंयचें निशाण सोडटात? इतिहास आमचेर खंयचे छाप सोडटा? माध्यम म्हूण प्रिंटमेकिंग सैमीक रितीन ह्या प्रस्नां कडेन जुळटा. निमाणें म्हजें काम चड करून सादे पूण कीटकटीचे चवकशेंत परतता: कला मनीसपणाविशींचीं कशी उरूंक शकता?''

भौमान आनी शिक्षणीक दायज

फुलारीच्या योगदानाक जायते पुरस्कार आनी भोवमान मेळ्ळ्यात. कारकिर्दीचे सुर्वेक ताका गोंय सरकाराचो युवा स्रुजन पुरस्कार फाव जाल्लो. तशेंच भारत सरकाराची राश्ट्रीय शिश्यवृत्ती आनी कनिश्ट फेलोशिप, राजस्थान ललित कला अकादेमीचो राश्ट्रीय पुरस्कार, एआयएफएक्स पुरस्कार (ऑल इंडिया फायन आर्ट्स अँड क्राफ्ट सोसायटी, नवी दिल्ली) ताका मेळ्ळा. ते भायर ताच्या वावराक संवसारीक स्थळांनी सुवात मेळ्ळ्या इटली आनी जर्मनी थावन फ्रांस, स्कॉटलंड आनी कॅनडा मेरेन ताचो वावर आनी ताची शिक्षणीक नदर ह्या दोनूय गजालींक समृद्ध करपी व्यापक आंतरराश्ट्रीय नामना ताका मेळ्ळ्या.

एक खासा म्हत्वाचो मैलाचो फातर म्हळ्यार फ्रांसांतल्या शामालॅर हांगाच्या गॅलरी म्युनिसिपल द आर्ट कंटॅम्पोरेनांतल्या इकराव्या वर्ल्ड प्रिंट त्रिवर्सुकींत ताणें एकल प्रदर्शनांत वांटो घेतिल्लो. थंय ताचें काम रेम्ब्रां सारक्या इतिहासीक व्यक्तीं वांगडा सादर जालें मुद्रण परंपरेंतल्या भारतीय कलाकारा खातीर एक दुर्मिळ आनी उल्लेखनीय कामगिरी.

पिळग्यांनी अर्थ प्रसारीत करपाचे क्षमतेन कला मेजली जाल्यार फुलारीचें दायज ताच्या शिक्षणतज्ञ आनी मार्गदर्शक हे भुमिकेंत रिगलां. लखनौ विद्यापीठ आनी वर्ल्ड युनिव्हर्सिटी ऑफ डिझायन ह्या





संस्थांनी शिकोवपाच्या माध्यमांतल्यान ताणें असंख्य विद्यार्थ्यांचे सौंदर्य संवेदनशीलतेक आकार दिला, तांकां तंत्रीक निपुणताय आनी बौद्धिक जिज्ञासा ह्या दोनूय गजालींनी उपाट समृद्ध केल्यात.

ताच्या शिक्षणीक तत्वगिन्यानांत समग्र निर्मितीचेर भर दिला जी क्राफ्ट आनी संकल्पनेक सारकें मोल दिता आनी कलेक व्यापक संस्कृतीक, इतिहासीक आनी समाजीक मॅट्रिक्सांत दवरता. जायत्या उदयाक येवपी कलाकारां खातीर ताचे वर्ग फकत शिकोवपाची सुवात न्हय तर विचारांची चांचणी, आव्हान आनी रुपांतर करपी प्रयोगशाळा.

चडांत चड डिजिटल आनी वेगान चलपी संवसारांत कला शिकवपाक ताकां खंयच्या आव्हानांक तोंड दिवचें पडटा हाचेर तो सांगता, ''आयज शिकोवप रोमांचक आनी आव्हानात्मक अशें दोनूय प्रकारचें आसा. डिजिटल संस्कृतायेच्या वेगान विद्यार्थ्यांचें लक्ष बदललां. खिणांभितर व्हड व्हिज्युअल आर्कायव्हज तांचेमुखार उक्ताडार येतात. हो प्रवेश बळिश्ट आशिल्ल्यान ते उपरांत फुडली गुंतवणूक निर्माण करूंक शकतात. ते प्रतिमा नेटान, परावर्तन करिनासतना उपभोगतात. एक व्हड आव्हान म्हणल्यार धीर वाडोवप. कले खातीर निरिक्षण, पुनर्विलोकन, अपेस हांचे वांगडा मंद जावप लेगीत गरजेचें. बेगीन उत्पादनापरस प्रक्रिया चड म्हत्वाची, अशी विद्यार्थ्यांची खात्री करप चड कठीण जाता.''

ताच्या मतान, एआय (कृत्रिम बुद्धिमत्ता)आनी डिजिटल साधनांचे भुमिके विशीं वाटाघाटी करप हें आनीक एक आव्हान, कारण विद्यार्थी तांचेर मोहित जातात आनी तें योग्यच. ''एक शिक्षणतज्ञ म्हूण म्हजी जापसालदारकी म्हळ्यार ह्या तंत्रगिन्यानांक न्हयकार दिवप न्हय तर तांकां संदर्भांत हाडप.

विद्यार्थ्यांक हांव विचारपाक प्रोत्साहन दितां: निर्मिक कोण? आयज मौलिकताय म्हणल्यार कितें? क्राफ्ट खंय रावता?'' तो सांगता.

फुडें तो म्हणटा, ''स्कूल ऑफ व्हिज्युअल आर्ट्स-डब्ल्यूयूडी सारक्या संस्थांनी एक व्हिज्युअल आर्टिस्ट आनी डीन म्हूण आमी हाताची कुशळटाय आनी संकल्पनात्मक विचार हांचेमदीं समतोल दवरपाचो यत्न करतात. हात-दोळे समन्वय, साहित्या कडेन शारिरीक संलग्नताय आनी सहकार्यान शिकप हांचो आस्पाव आशिल्ले व्यायाम विद्यार्थ्यांक मूर्त सरावांत जमनीचेर दवरपाक मदत करतात. निमाणें, तंत्रगिन्यानाक लागून फकत चवकशीची सुवात घेवचे परस कल्पनाशक्त वाडटा हाची खात्री करप हें आव्हान आसा.''

शिस्त, प्रामाणीकपण आनी कलेचो आजीवन प्रवास

फाटीं पळयता तेन्ना सुर्वेक मेळिल्लें शिक्षकांचें मार्गदर्शन म्हत्वाचें आनी तें आयज लेगीत प्रतिध्वनीत जायत आसा अशें ताका दिसता. ''तांचो एक सल्लो, जो सदांच मनांत उरता, तो म्हणल्यार: माध्यमाक मान दिवचो, आनी तें तुमकां उक्तें जातलें. म्हज्या शिक्षकांनी शिस्तीच्या कडक अर्थाचेर न्हय, पूण प्रतिबद्ध अर्थाचेर भर दिलो - स्टुडिओ भितर दर दिसा वावरात; उलयतात ताचे परस चड निरिक्षण करात. तशेंच तंत्र हो सृजनशीलतेचो दुस्मान न्हय असोय तांणी आग्रो धरलो; ती ताची बुन्याद. कलेचेर प्रभुत्व मेळयल्यार स्वातंत्र्य मेळटा. तितलेंच म्हत्वाचें आशिल्लें तांणी नमळायेचेर दिल्लो भर. कला हो आयुश्यभर चलपी प्रवास. पुरस्कार, प्रदर्शनां, मान्यताय, हीं मार्गदर्शक तत्वां, निमाणी सुवात न्हय. कलाकार जावप म्हणल्यार फकत काम करप न्हय; कलाकार जावप म्हणल्यार चारित्र्याक आकार दिवप आसता, हें तांकां लागून म्हाका कळळें.''

कलाकारान स्वताक प्रस्न विचारत रावप म्हत्वाचें, हाचेर राजन फुलारीचो खर विस्वास. तो सांगता, ''हांव सतत विचारतां : ''हांव प्रामाणीक आसां? कलेंत प्रामाणीकपण म्हणल्यार आत्मचरित्र न्हय; ताचो अर्थ वावराची प्रामाणीकता असो जाता. म्हज्या वेळाक हांव खरो प्रतिसाद दितां काय ना? म्हज्या माध्यमाचें हांव खोलायेन आयकतां काय ना? दुबाव म्हाका दुबळो करचे परस परिश्कृत करता काय ना? आनीक एक प्रस्न उरता तो म्हणल्यार, हें काम म्हजेर आनी हेरांचेर कसलो छाप सोडटलें? एक दृश्य कलाकार म्हूण प्रिंट मेकिंगची कल्पना प्रत्यक्ष आनी अस्तित्ववादी अशी आसता. दरेक कृती एक चिन्न सोडटा. कले वरवीं हांव फाटीं सोडटां त्या चिन्नां कडेन संवेदनशीलताय, चिंतन आनी मनीसपणाची वचनबद्धताय आसची, हाची खात्री करपाचो हांव यत्न करतां.''

राजन फुलारीची कला शैली, माध्यम वा पिळगेच्या वेवस्थीत मर्यादे भितर आळाबंदा हाडपाचेर आडनदर करता. ताचे बदलाक, वैयक्तीक अणभव, समाजीक संलग्नताय, संवसारीक संवाद आनी शिक्षणीक वचनबद्धतेन सतत आकार दिल्ले गतीचें तें एक कथन. छापणावळ, चित्रकला, वा क्युरेटरी प्रॅक्टीसा वरवीं आसूं, फुलारीचें काम मनशाचे स्थितीचेर सतत चिंतन करपाक आपयता, प्रेक्षकांक निश्क्रीय निरिक्षक म्हूण न्हय तर चालू आशिल्ल्या दृश्य प्रवचनांत सक्रिय भाग घेवपी म्हूण वांटो घेवपाचें आवाहन करता.

❑

समाजसेविका

माया खरंगटे

''अंजू, मम्मा खंय गो?'' राजेशान घरांत भितर सरतनाच विचारलें.

''मम्मा, बॅडरुमांत गेल्ली येदोळ. दार धांपून बसल्या.''

''म्हणजे, ते मुलाखत घेवपाक येवपा आशिल्ले ते लोक आयलेनात अजून?''

'येवन गेले ते. ते वतकच मम्मा बॅडरुमांत वचून दार धांपून बसल्या. च्या घेवपाक सुद्दां भायर येवंकना.''

'आरे, येद्या व्हड भायल्या पेपरान ताची मुलाखत घेतल्या. ताचें नांव, ताणें भोगिल्ले भोगणार खंयचे खंय पावतले, केदो भौमान हो आनी हें दार धांपून भितर बसलां.''

''पप्पा, तिका भौमान बी खंय जाय रे. कोणेय भौमान करतां, पुरस्कार दितां म्हणल्यार ती सामकी बेजार जाता. नाका म्हणून हट्ट करता ती. पूण लोक म्हणून खंय आयकतात. बळजबऱ्यां तिका आपोवन व्हरतात. ती उपाय ना थंय वता खरी पूण येतकर अशी बेजार जाता.''

''हय गो, खरेंच. हांव पळयतां लक्ष्मीचें कितें जालां तें.''

राजेशान बॅडरुमा भायर रावन लक्ष्मीक उलो केलो. लक्ष्मीन दार उगडलें. ताचे दोळे रडून रडून तांबडे जाल्ले.

''लक्ष्मी, कितें जालें?''

''कांय ना रे, तांची प्रस्न विचारपाची तराच अशी आशिल्ली, हांव घडघड करून सगळें सांगत

गेलें. आतां वायट दिसता.''

''कित्याक वायट दिसता. तुवें म्हाका लागून जे भोगणार भोगल्यात ते लोकां मुखार येवंकूच जाय. मोट्या यत्नान म्हाका परत मनीस म्हणून उबो केला तुवें. तुजे हे त्रास, दगदग आयकून लोकांक स्फूर्त मेळटली. तेच पासत तर अश्यो मुलाखती घेवन प्रसिद्ध करतात.''

''आसूं रे राजेश, तकली कणकणटा म्हजी.''

''बरें आड पड तूं. तुका कडक बरी च्या हाडटां, ती पितकच बरें दिसतलें तुका.''

''बरें. हे तें मात्शें बाम दी.''

लक्ष्मीच्या कपलाक बाम लावन राजेश भायर गेलो.

मुलाखतकारांनी विचारिल्ल्या प्रस्नांनी लक्ष्मीच्या यादींच्या माल्यार फातर बशिल्ले वरी जालें. काळ्या यादींचे गांजीलमूस ताच्या मनांत खवदळ घालूंक लागले.

लग्न जावन घरांत आयिल्ल्या त्या पयल्या दिसाची ताका याद जाली. कितें म्होंवाळ उलयतालो राजेश तेन्ना. अळारपणान ताणें लक्ष्मीचें मन जिखिल्लें. पयलींच ताचें राजबिंडे व्यक्तिमत्व, तातूंत जीव लावपी सभाव. लक्ष्मी सामकें फुलारून गेल्लें. रोखडेंच अंबू जालें. दोन वर्सांनी अनूज जालें. लक्ष्मीची संवसार वाल तरतरून वाडटाली.

भुरग्यांच्या बाळलिलेंत लक्ष्मी घुस्पून गेल्ले. राजेशांत जावपी बदल ताका कळळेच नात. राजेश पुराय बदलिल्लो. पाट्यांच्या निमतान बऱ्याच उसरां घरांत येतालो. पयलीं पयलीं घरांत येवन वोग्गी न्हिदतालो. न्हिदे भारार तो पिवन जाम जावन येता हें लक्ष्मीक कळळेंच ना.

लक्ष्मीक राजेशा विशीं कळळें तेन्ना खूब वेळ जाल्लो. राजेशाच्या बिझनेसाचे तीन तेरा जाल्ले. ताचें पिवपाचें वेसन वाडिल्लें. दिसाचो लेगीत तो पिवन येतालो. लक्ष्मीन कितेंय विचारल्यार पयलीं पयलीं फकत गाळी घालतालो. मागीर हातय उबारपाक लागलो

भायल्यान लक्ष्मीक कळळें, ताच्या बिझनेस पार्टनरानूच सोऱ्यान बुडोवन दवरिल्लो आनी बिझनेसांत सामको फटवल्लो. सगळें लुकसाण दाखोवन ताका रिकाम्या हातान भायर काडिल्लो. ह्या दुख्खान राजेशाचें पिवप वाडिल्लें. तो सामको हाताभायर गेल्लो.

सगळें आयकून लक्ष्मीचेर आकांत आयलो. इल्ल्याश्या भुरग्यांक आतां कशीं वयर काडप ह्या विचारान ताका थरथरो भरलो. ताची शिक्षिकेची नोकरी आसली. तीय खाजगी जाल्ल्यान पगार व्हडलोसो आसनासलो. ताणें खंय खंय भुरग्यांच्या फुडारा पासत पयशे दवरिल्ले. एफ. डी. करून दवरिल्ल्यो. राजेश त्यो मोडून सोऱ्यार वगडायतालो. लक्ष्मीक कांयच उलोवपाची गती नाशिल्ली. ताणें कितेंय विचारल्यार राजेश ताका मार घालतालो, ताची तकली वण्टीक आपटितालो. आतां आतरे पयऱ्यान ताची उसळटाली. मार खावन खावन ताचें आंगूय दुखरू कशें जाल्लें.

राजेश असो लक्ष्मीक मारता ताचो दोगांय भुरग्यांनी धसको घेतिल्लो. तो घरांत आयलो काय भुरगीं लिपून बसतालीं.

राजेशान जमोवन दवरिल्ले सगळे पयशे सोंपतकर तो लक्ष्मी कडेन पयशे मागूंक लागलो. ताणें ना म्हणल्यार ताका धोडायतालो. एकदीस ताणें लक्ष्मीच्या हाताचीं दोनूय भांगरा कांकणां ओडून व्हेलीं. लक्ष्मी आपल्या जिवाक सामकें उबगल्लें. कितें करून राजेशाक जाग्यार हाडप ताका कांयच कळनासलें.

त्या दिसा सांजवेळा भुरग्यांचो अभ्यास घेवंक तें बशिल्लें. तितल्यांत राजेश बडबडत भितर सरलो आनी थयथयाट करून पयशे मागूंक लागलो. पूण राजेश खंय आयकुपाच्या मनस्थितींत आशिल्लो?

''चड सुबेज उलयनाका'' म्हणत ताणें लक्ष्मीची तकली वण्टीक आपटिली आनी ताच्या गळ्यांतलें मंगळसुत्र ओडून घेवन ताणें धांव मारली. रगताचो व्हाळ व्हावूंक लागलो. फाटीं वळून पळयनासतना राजेश धांवलो.

आतां मात लक्ष्मीची सहनशक्ती सोंपली. तें तशेंच उठून रांदचे कुडींत गेलें. गरजेक कित्याकय जायत म्हणून एक बाटलीभर पेत्रोल ओट्या पोंदा दवरतालें. ती बाटली काडून ताणें पेत्रोल आंगार ओतयलें. ताचे हात थरथरताले. तशेंच ताणें देवाऱ्यांतलें फस्क काडलें आनी पेटोवपाचो यत्न करूंक लागलें. तेन्नाच ताचीं दोगांय भुरगीं रांदचे कुडींत आयलीं आनी ताच्या पांयाक वेंग मारून म्हणलें, ''मम्मा, तुका भू जाला न्ही, यो वखद लावया.''

भुरग्यांच्या उतरांनी तें साबुद्दीर आयलें. ताणें फस्क थंयच उडयलें आनी दोगांय भुरग्यांक वेंगांत घेवन हामेर घालून रडूंक लागलें.

रडपाचो ओग देंवतकर तेच भिरकेंत तें उठलें. ताणें आपले कपडे बदलले भुरग्यांचेय कपडे बदलले. राजेशा पसून लिपोवन दवरिल्ले पयश घेतले, तिगांयचेय चार-चार कपडे बॅगेंत भरले आनी, 'परत ह्या घरांत केन्नाच पावल दवरचे ना.' असो निश्चेव करून भुरग्यांक घेवन घरांतल्यान भायर सरलें.

सोसायटीच्या गेटी भायर मेरेन तें नेटान आयलें. खंय वचूं? हो प्रस्न मनांत आयलो आनी ताचीं पावलां थंयच आडखळली. ताका कांयच येवजना जालें. चार पावलां मुखार वतकर मारूतीचं देवूळ आशिल्लें. थंय वचून तें बसलें. खांब्याक तकली तेकोवन तें बसलें. ताच्या दोळ्यांतल्यान दुकां गळटालीं. अंबिका आनी अनुजय ताच्या म्हऱ्यातच बशिल्ली. तीं दोगांय अस्वस्थ जाल्लीं. तीं लक्ष्मीच्या तोंडाक पळयत वोग्गी बशिल्लीं.

बऱ्या वेळान लक्ष्मीन दोळे पुसले. ताणें भुरग्यांक म्हणलें, ''चलात भायर वचून खेळात. हांव हांगाच बसतां.'' ''ना, मम्मा, आमी खंयच वच्चीं नात. हांगाच, तुज्या म्हऱ्यांतच बसतलीं. तूं रडूं नाका हां, आमकां भंय दिसता.''

लक्ष्मीन आपल्याकय सावरून घेतलें. रडपाचे कड ताणे भितरले भितर चिडून दवरले आनी भुरग्यांक फुसलावन खेळपाक धाडलीं.

खांब्याक तकली तेंकोवन तें येवजूंक लागलें... घरांत परत वचप ना म्हण थारायलां खरें, पूण खंय वतलीं?... हॉटेलांत रावपा इतले पयशे सुद्दां ना म्हजेकडेन... आनी, आमी ना तीं पळोवन ह्या मुखान घरय विकून उडयलें जाल्यार... ताचें कांय सांगूं नजं... पयर कांकणां व्हेल्लीं म्हजीं, आज मणी व्हेला... ताचो मार खावन खावन म्हजें सगळें आंग दुखता. तकली एकदां उसळूंक लागल्यार थांबच ना. कितें करूं? परत घरा वचप म्हणल्यार मार खावप... जीव सुद्दां दिवंक शकना... म्हजीं पोरां वाऱ्यार पडटलीं... तांकांय व्हरून विकूंक फाटी ना तो... काय बरो भांगरा सारको मनीस आशिल्लो जाणा हो... मायेस्त कितलो? आमकां सादी थंडी सुद्दा जाल्यार ताचो जीव वयर सकयल जातालो ... तोच मनीस ह्या पाडपडिल्ल्या सोऱ्यान इतलो बदलायलो... एका मोगाळ, म्होंवाळ मनशाचो इतलो हैवान करून सोडलो... पाडपडूं ह्या सोऱ्याचें... सगळ्या बारांक उजो लावचो सो दिसता.

मनाच्या विचारांत शेणून गेल्ल्या लक्ष्मीक ह्या दोन बायलांच्या उलोवण्यान सावचीत केलें. ताचे

पसून मात्शें पयस बसून उलोवपी ह्या दोन बायलांचें उलोवणें ताका स्पश्ट आयकूंक येतालें. एकटी बायल रडून दुसरेक सांगताली, ''वैनी, तुवें सांगिल्लो उपाय म्हाका बऱ्याक पडलो. तुजे उपकार कशे मानू कळना. ताचो मार खावन खावन म्हजें सगळें आंग दुखरू कशें जाल्लें. पयल्याच दिसा चार दांडे ताच्या पांयार, फाटीर माल्ले हांवें. तो वळवळटा तें पळोवन म्हजो जीव कळवरलो पूण वयल्यान कठोर जावन हांव दांडो घेवन ताच्या मुखार उबें रावलें. त्या दिसाच्यान तो आतां म्हज्या आंगाक हात लायना.''

लक्ष्मीक सट्ट जालें... आरे हो उपाय हांवूय करून पळयतां...पळोवया आमगेल्याचेर कितें परिणाम जाता तो... हांव घरांतल्यान भायर सरलां खरें, पूण खंय वतलें? अशें उगड्यार ह्या भुरग्यांक घेवन म्हज्यान रावंक जातलें? आनी भायर आशिल्ले देंवचार, तांचें हांव कितें करतलें?... ना ना, घर सोडून खंयच वच्चें ना हांव... आतां तिणें सांगला तोच उपाय करून पळोवप... हो विचार मनांत आयले बरोबर तें भुरग्यांक घेवन घरा परतलें. वाटेर ताणें चिंतलें... खरेंच अशें पळून वचून प्रस्न सुटचे नात... आनी मार चुकोवनूय कोता येवचें ना... राजेशाक हातूंतल्यान भायर काडूंकच जाय... एक निश्चेव करून तें घरा परतलें

त्या दिसाच्यान लक्ष्मीन चंडिकेचो अवतार घेतलो. पयलेच दिसा ताणें बडी घेवन घोवाक बडयलो. ताचो अवतार पळोवन राजेश घरांतल्यान पळून गेलो. मागीर मात लक्ष्मीचे हात गळसणले. बडी सकल उडोवन तें खोळसां फुटून रडपाक लागलें, कितले फावटी तरी ताणें राजेशाक मनांतल्यान सॉरी म्हणलें. पूण कोडू वखद बऱ्याक पडिल्लें. त्या उपरांत लक्ष्मीन मात्सो आवाज चडयलो काय राजेश बिलू कसो जातालो.

लक्ष्मीचो मार चुकिल्लो, पूण ताचें सोऱ्याचें वेसन कशें सोडप हाचो ताका हुस्को जाल्लो. तें दीस रात हेच चिंतेन बुडिल्लें. ताचे एके इश्टिणीन ताची हीय चिंता सोंपयली.

सीतापुराक एक वेसनमुक्ती आश्रम आसा. ताचे विशींची सगळी म्हायती तिणें लक्ष्मीक सांगली. थंय सोऱ्यांत बुडिल्ल्यांक ड्रग एडिक्टांक दवरून घेतात आनी पुराय निवळटकच ताका घरा धाडटात.

लक्ष्मीन सारकी वासपूस केली आनी राजेशक कांयच सांगिनासतना त्या आश्रमांत घेवन गेलें. तीन म्हयने राजेश थंय उरलो. आनी हळू हळू निवळपाक लागलो. लक्ष्मी आतरे पयऱ्यान आश्रमांत वतालें. तांचें काम ताणें समजून घेतलें. तेंय तांकां आदार करूंक लागलें.

तीन म्हयन्यांनी राजेश निवळ्ळो खरो, पूण परत सोऱ्याच्या भकीक पडूंक शकतलो. अशे जायते जाण सोऱ्या फाटल्यान लागिल्ले. मागीर मात तांकां सांबाळपाक कुस्तार जातालें. लक्ष्मीन मोट्या यत्नान राजेशाक परत सोऱ्या कडेन वचूंक दिलो ना. लक्ष्मी आतां आश्रमाचोच एक वांटो जाल्लें.

राजेश पुराय तरेन निवळिल्लो. ताणें नव्यान बिझनेस सुरू केलो. पूण लक्ष्मीन तो आश्रम सोडलो ना. ताणें समाजकार्य करपाचो सोपूत घेतलो आनी आपली पुराय जीण अश्या लोकां पासत घालोवपाचो ताणें निश्चेव केलो.

आज इतलीं वर्सां जालीं तें वेसनी लोकांचें, तांच्या सोयऱ्यांचें ताई जावन वावुरता. वेगवेगळ्यो संस्था, कॉलेजी ताका वेसन मुक्तीचेर उलोवंक आपयतात. आनी तें उमेदीन वता. हायस्कुलां, कॉलेजींतल्या भुरग्यां पासत मदीं मदीं क्लासीय घेता.

पूण कोणेंय सत्कार करता म्हणलो, काय ताका आवडना. तें स्पश्ट नकार दिता. पूण कांय

जाणांच्या मोगाळ हट्टा मुखार ताका बागोवचेंच पडटा. आज मात ह्या पेपराच्या संपादकान खास गळ घालून ताची मुलाखत मागिल्ली. संपादक ताचो वर्गमित्र. तातूंत लक्ष्मीन भोगिल्ले सगळे भोगणार ताका खबर आशिल्ले. म्हूण खासा संपादक आपली टीम घेवन ताची मुलाखत घेवंक आयिल्लो.

''लक्ष्मी, च्या घेवंक यो.'' राजेशान उलो मारलो. विचारांचीं जळमटां फाफडून लक्ष्मी भितर गेलें.

❑

एक अपूर्ण मोगाची काणी

जेसन पींत

पॅरिसाची नगरी, मोगाची नगरी... मोग करणाऱ्यांचें एक खाशेलें शार...

दुसरें म्हाझूज जावन तीन वर्सां पाशार जाल्लीं. तरी पॅरिसकारांनी शाराची सोबाय परतून जल्माक हाडली.

आदीं थावन संवसारभर शिंपडल्लो कोंकणी लोक, पॅरिसांत सयत आसलो. कांय गोंयच्या मुळाचो, तर कांय करावळ कर्नाटकाच्या कोंकणी मुळाचो. थोडे हिंदू जाल्यार, थोडे क्रिस्तांव. धर्म पाळिनासले नासतीक कोंकणी मनीस सयत पॅरिसांत जियेताले.

कार्ल आनी फे एकामेकाक केन्नाच मेळूंक नात. पूण तांचें संगीत एकामेकाक मेळ्ळां. तांकां एकामेकाची वळख ना. तरी एकामेकाचे संगीत रचने विशीं तांकां बरी माहेत आशिल्ली.

कार्ल फेक मेळूंक अथ्रेकतालो, आनी फे कार्लाक. एकामेकांकडेन तांकां जायतें उलोवंक आसलें. जायत्यो गजाली मारूंक आसल्यो. एकामेकाक शाबासकी दिवंक आसली. एकामेकांच्या खासगी जिविता विशीं जाणा जावंक आसलें. एकामेकाचे वेंगेंत जायतो वेळ सारूंक आसलो.

दोगांय संगीतकार...

कार्ल उतरां बरोवन, ताळ बसोवन गितां रचतालो, आनी आपल्या मधूर ताळ्यान तीं गायतालो. फे उतरां मात बरयतालें, गितां गायनासलें. फ्रेंच जांव, इंग्लीश जांव त्यो दोनूय भासो तीं बरीं जाणा आसलीं. फ्रेंच तासूंक, इंग्लीश भोंवडेकारां कडे घासूंक.

पॅरिसाचें शार कलाकारांचें शार, तशेंच मोग करणाऱ्यांचेंय शार. मोग कसो व्यक्त करचो तें कोणेंय हांगाच येवन शिकूंक जाय. कवनां, गितां, पिंतुरां, फुलां, तांतूंय वेगवेगळे रंगाचे गुलाब वेगवेगळे रितीन दिवंचे प्रकार पॅरिसकारां कडल्यान अध्ययन करचो विशय. थंयच्या सँटांक सयत, ताच्या परमळा प्रकार एक विशेस अर्थ आसा. खंयचो सँट खंय, खंयच्या संदर्भार घालूंक जाय म्हण तेच जाणा आसले. ऑफिसाक वेतना घालचो सँट मोगाचे भेटेक उपकारना!

कार्ल आनी फे गोंयच्या मुळाचीं. तांचे आदीं कितलेशे गोंयकार थंय पावल्यात... पयल्या म्हाझुजा आदीं सयत.

साबार वर्सां आदीं आबे फारिया तसल्या गोंयकार कोंकणी मनशान संवसाराक भूलविद्या वा संमोहन शास्तीर (hypnotism) शिकोवन जालां. गोंया थावन एक मठवाशी जावन आपल्या बापाय सांगाता तो ह्याच शाराक आयिल्लो. फ्रेंच क्रांतींत तो भागिदार जाल्लो. ताका बंदखणीचें दार सयत पळोंवचें पडलें. घडये संवसारभर आशिल्ल्या म्हान कोंकणी मनशांची जायत्यांक विसर पडल्या!!!

काळांतरान जायतीं कोंकणी कुटुंबां पॅरिसांत येवन जियेल्लीं. कार्ल आनी फेचे घराबे हांतलेच. शाराच्या दोन वेगळ्या कोनशांनी एका शेंकड्या आदीं तांणीं वसती केल्ली.

पॅरिसाचें वर्णन केल्यार एक वाचपाघर उबें करूं येता!

आस्तीक जांव नास्तीक जांव.... सर्वांक हें शार आकर्शीत करता. सां पेद्रूचें म्हामंदीर जांव, जेजूच्या भोव पवित्र काळजाक भेटयिल्लें साक्रा क्वोर म्हामंदीर जांव..... दिसाक तीन पावटीं घांट वाजोवन लोकांक जागयता. एका तेंपार त्या शारांत जायते क्रिस्तांव आशिल्ल्याची गवाय तीं म्हामंदिरां दितालीं. पूण ती घांट मारची रावोवंक, लोकांक त्रास जाता... म्हळ्ळी अर्जी शाराचे नितीसभेंत एदोळूच पाविल्ली.

थंयच्या फुलांचे वाटिकांनी जी सोबाय आसा ती खंयच्याकूय सर करूंक जायना. त्या फुलांक परमळ आनी परजळ दोनूय आसा. देखून सुकण्यांची थंय लुटूच लूट. सीन न्हंय, बगलेचे बियेब्र न्हंयंत मिसळ जातना ताची धाकटुली गाज ट्रॅमांनी पाशार जांवच्या लोकांक आयकूंक मेळटा.

पॅरिसाचें शार खरेंच कलाकारांचें शार. कलाकारांक आनी तेंय सर्जनशील कलाकारांक भांगरा तसलें मोल.

कोनशा कोनशांनी पिंतुरकारांचे देखावे. भोंवडेकारांनी तीं विकतीं घेवंक त्या पिंतुरकारांक तांकां विनोवणी करची गरज नासलीं. तीं पिंतुरांच तांकां आपयतालीं.

पॅरीस शाराच्या मॉन्समार्त्रेंत 1872 थावन 1914 वर्साच्या ह्या काळांत कलाकारांची रासूच रास. देखून आतां वाचपाघरां, नाटकघरां, चित्रघरां, अजापघरां (museum) तुका जाय तें हांगा मेळटा. ''हांव तुजो मोग करतां'' म्हळ्ळें मोग करणाऱ्यांनी उचारचें हें मंत्र साबार रितींनी थंयचे एके वणतीर बरयिल्लें. घडये विसाव्या शेंकड्यांत ताचेंच प्रेरण घेवन फ्रेद्रीक बारॉन आनी क्लॅर कितोन 250 भासांनी तें मंत्र थंय बरयलां. आज प्रेम नगराचें हें एक विशेस आकर्शण. फेन जायते पावटीं हांगा भेट दिल्या. तिचे संगीत रचनेंत थंय खर्पिल्ल्या उतरांचो प्रभाव दिसतालो. पाबलो पिकासो नांवाचो लोकामोगाळ चित्रकार म्हाझुजा आदीं थंयच वसती करतालो. कार्लान ताचीं पिंतुरां साबार पावटीं आफडिल्यांत.

क्वातोर्ज जियुलिये (Quatorze juillet) म्हळ्यार जुलाय म्हयन्याची चवदा तारीख.

ह्याच दिसा 1789 त्या साद्या फ्रेंच लोकांनी तेन्नाच्या राजकारबाऱ्यां आड झुजून एक क्रांतीचो

ऐलान केल्लो. बासिलाच्या (Bastille) बंदखणींत बॉम्बांचो शिंवर ओतून थंयच्या कैद्यांक सुटका लाभयिल्ली. तशेंच 1790 आंत ह्याच दिसा, ह्या घडिताच्या फुडल्या वर्सा तांणीं आपल्या राष्ट्राचो एकवट घडयिल्लो. हो दीस तांचो राष्ट्रीय दीस! फ्रान्स देसा भायर संवसाराच्या वेगवेगळ्या कोनशांनी हो दीस तांचो लोक समारंभतालो.

कार्ल आनी फेन आसच्या पॅरिसाच्या ह्या इतिहासीक शारांत तो एक खाशेलो दबाजोच म्हणूं येता.

कार्लान जेन्ना पयले पावटीं फेन रचिल्लें संगीत रेडियोचेर आयकल्लें तेन्ना थावन तो तिका मेळूंक आशेतालो. फेक रेडियोचेर प्रसार जांवचो कार्लाचो ताळो ओडी लागलो. एकामेकाक भेटनासतना सयत तीं एकामेकाच्या मोगार पडिल्लीं.

पॅरिसाच्या मोन्समार्त्रेंत आबे फारियान प्राण सोडिल्ल्या त्या एका वाड्याचे व्हडले एके चावडेंत (street square) फ्रेंच लोकांच्या राश्ट्रीय दिसाक, कार्ल आनी फेची संगीत कार्यावळ एकेच सुवातेर आशिल्ली. हो एक संयोग काय तांचें नशीब.... वा विधी? देव जाणा!

तेग गोंयकार, एकलो देवाधीन आनी दोगां मोगांत लीन!

****

आज जुलायाची चवदा तारीख.... क्रातोर्ज जियुलिये!

कार्ल आपलें खास संगीत लोकां मुखार सादर करूंक सोदतालो. पूण फे तशें करूंक सोदिनासलें. तिणें पयलेंच खूब नांव जोडिल्लें, गितांक उतरां बरोवन. पूण दोगांय एकामेकाक मेळूंक सोदतालीं, तें मात खरें.

कार्ल आनी फे.... जुलायाची चवदा तारीख...

फ्रेंच लोकांक राष्ट्रीय अभिमानाचो दीस. कार्ल आनी फेक एकामेकाची निर्मळ आतुराय पूर्ण करचो दीस.

काऱ्यावळ सुरू... पयलें फेन घडयिल्लें संगीत एका पंगडान गायलें... तिचें नांव धा पावटीं उचारतना कार्लान आयकलें. मागीर कार्ल माचयेर आयलो. ताणें एक गीत गायलें. लोकाची रास म्हणतना तो फेक दिसलो ना. फकत तिका ताचो ताळो मात आयकलो. दोगांय थंय आसात म्हण तांकां एकामेकाक कळ्ळें.

तांचीं प्रदर्शनां सोंपलीं, पूण सोदनां न्हय.

कार्ल एके वाटेन तिका सोदतालो, जाल्यार फे आन्येके वाटेन ताका सोदतालें

तेन्नाच.... तो विशेस परमळाचो सँट ... मोगाचे भेटेक घालचो, तांच्या नाकाक आदळ्ळो. तीं एकामेका समोर आसलीं....

सोल्फां आनी सूर... गाज आनी आवाज ... नाद आनी साद... ताळे आनी ताळयो... ताळ बोवाळ... बोब बोबाट.... किळंच गर्जना.... करंदाय आराबाय... पिंर्गवणी गर्जोवणी... धडधड धबधब.... घसघस कसकस....परजळ आनी परमळ ते चावडेंत आसलें सर्व त्या खिणा मौन जालें.

कलाकारांचीं चित्रां मोनीं जालीं. मोगाचे वणतीर आशिल्ल्या त्या उतरांचो अर्थ व्यर्थ जालो. म्हामंदिराच्यो त्यो घांटी वाजल्यो नांत. फुलांनी परमळ शिंपडावंक इनकार केलो. सुकण्यांची ती लूट त्या खिणा कोणेंय चोयली ना.

वाजंत्रांच्या गितांची मधुराय खंय गेली ? पिंतुरकारांच्या पिंतुरांची सोबाय खंय गायब जाली ?

लोकाची खेट थंय आसली, पूण कार्लाक एकसूरपण भोगतालें. फेक कार्ल दिसतालो पूण तें ताका वळखलें ना! लिकलीक तिचे दोळे एका कुड्ड्याक चोयताले. धडधड कार्लाचें काळीज उलयतालें. गुलाबाचें फूल ताणें ताच्या बोल्सांत चेपयिल्लें.

सक्कड एकाच्चाणें राविल्लें बरीं भोगतालें.

कार्ल कुड्डो दिश्ट नाशिल्लो. फे मोनें जिबेक त्राण नाशिल्लें. तरी दोगांय संगीतकार.

कार्ल फेचे मुखार उबो आसलो. पूण तें थंय आसा म्हण ताका दिसलें ना. फे कार्ला फुडें उबें आसलें.... पूण तो कार्ल म्हण विचारूंक तें सकलें ना.

थूत!!! पाडें नशीब...

मोगाच्या त्या नगरांत....दोगां नीज मोग करणार एकामेका सामकार आसून सयत, एकामेकाक भेटलींच नांत. वर्सां वर्सांचे अश्रेक घेवन आयिल्ले हीं दोगां प्रेमी पॅरिसाचे ते गर्देंत भरसलीं..... फुडारांतूय भेटलीं नांत.....

❑

आर्विल्ल्या स्वातंत्र्याचें नीतीशास्त्र : आंद्रे जिद

शैलेन्द्र मेहता



आंद्रे जिद (1869-1951) हाका आर्विल्ल्या युरोपीय साहित्यांत एक खाशेली आनी चड करून अस्वस्थ करपी सुवात आसा. नैतीक नवनिर्माण करपी आनी मुल्यांचो भ्रश्टाचार करपी म्हणून निशेध जाल्लो जिद हो असो एक लेखक जाणें सवस्तकायेक खरपणान न्हयकार दिलो–आपल्या खातीर आनी वाचप्यां खातीरय. 1947 वर्सा साहित्याचो नोबेल पुरस्कार फाव जाल्लो तेन्ना नोबेल समितीन आर्विल्ल्या मनीसजातीच्या परिस्थितीविशीं 'सत्याचो निर्भय मोग' आनी 'तीक्ष्ण मानसीक अंतर्दीश्टी' आशिल्ल्या ताच्या साहित्याक लागून ताका लागून ताका हो भौमान दिला अशें नमूद केलां. तरी लेगीत, ताचें म्हत्व फकत अधिकृत मान्यताय वा शैलीगत साध्यतायेंत उणें करूं येना. ताचें साहित्यीक योगदान स्वातंत्र्य, प्रामाणीकपण आनी जापसालदारके विशीं ताणें विचारिल्ल्या नैतीक प्रस्नाकडेन संबंदीत आसा. जियेल्लो अणभव आनी साहित्य स्वरुप हांचे मदल्या आजीवन संवादांतल्यान ताणें हो प्रस्न मुखार हाडलो.

युरोपीय संस्कृतायेंत खोलायेन बदल घडटाले अशा इतिहासीक काळांत जिद हाणें आपली बरपावळ केली. धर्मीक अधिकाराची झीज, आर्विल्ल्या मानसशास्त्राचो उदय, अस्थीर जावपी लैंगीक नेम आनी दोन म्हाझुजांचो विनाशकारी परिणाम हाका लागून नैतीक अनिश्चिततायेचें वातावरण ह्या काळांत निर्माण जाल्लें. विचारधारा वा सौंदर्यात आलाशिरो घेवपी पलायनवादांतल्यान ही

अनिश्चितताय सोडोवपाचो यत्न जिदान केलो ना. ताचे बदला ताणें ते अनिश्चिततायेक आपले कलेचो केंद्रीय प्रस्न केलो. ताच्यो कादंबरी, निबंद आनी नेमाळ्यांनी बरयिल्ले लेख परत परत विचारतात, 'ज्या संवसारांत दायजान मेळिल्ल्या नैतीक वेवस्थेक लागून आतां प्रस्न विचारल्याबगर आज्ञा पालन जायना, त्या संवसारांत खऱ्या अर्थान जगप म्हणल्यार कितें?'

सुर्वेचे दिस :

पॅरिसांत एक समृद्ध प्रॉटेस्टंट कुटुंबांत जल्मल्लो आंद्रे पॉल गियोम जिद हाका जिणेचे सुरवेकच एक धपको बसलो. कायद्याचो प्राध्यापक आशिल्लो ताचो बापूय जिद इकरा वर्सांचो आसतना मेलो आनी तो घरांत आवयच्या खर नैतीक अधिकारा खाला उरलो. प्रॉटेस्टंट काटकसर, बौद्धिक खरसाण आनी भावनीक संयम हाणीं ताच्या तरणाटे पिरायेची व्याख्या केली. परत परत दुयेंत जावन नेमान शाळेंतल्यान गैरहाजिर रावचो पडिल्ल्यान ताचो भितरलो स्वभाव तयार जालो देखून आत्मनिरीक्षण आनी स्वताची चवकशी करपाक ताका प्रोत्साहन मेळ्ळें. अनेक प्रस्नांचो सोद घेवपाखातीर साहित्य हो ताचो आलाशिरो आनी हारसो अशे दोनूय प्रकार जाले. ताची बरीच बरपावळ, खास करून सगळ्यो कादंबऱ्यो इंग्लिशींतल्यान आनी हेर बऱ्याच भाशांतल्यान अणकारीत जाल्यात.

वाचपाचो ताका प्रचंड नाद. सुरवातीच्या वाचनांतल्यान ताणें अभिजात ग्रीक संस्कृतायेंतल्यान स्पश्टताय, सुसंवाद आनी समतोल हे आदर्श आत्मसात केले; मॉन्टेन्या आनी पास्कल ह्या फ्रेंच नैतीकतावाद्यांकडल्यान तो आत्मपरीक्षणाची कला शिकलो. हें अभिजात रूप आनी नैतीक अस्वस्थताय हांचें दोट्टी संयोजन ताचे बरपावळींत आयुश्यभर उरलें.

ताच्या सुरवेच्या 'ले काहि द आंद्रे वाल्टर' (1891 Les Cahiers d'André Walter / इंग्लिश -The Notecooks of André Walter) ह्या पुस्तकांत प्रतीकवादी आत्मनिरीक्षणांत बुडून गेल्ल्या तरणाट्या लेखकाचें पडबिंब आसा. तातूंत आध्यात्मिक आदर्शवाद आनी कुडीची इत्सा हांचेमदल्या तणावाचें नाटकीय चित्रण केलां. कादंबरीपरस एका तरणाट्याची अध्यात्मिक दिसपटी, अशें ह्या पुस्तकाचें वर्णन करुं येता.बऱ्याच जाणांनी हें पुस्तक चड करून अपरिपक्व मानलें तरी उपरांत जिदाच्या केंद्रीय हुस्क्यांत परिपक्व जावपी विशय ह्या ग्रंथांत जाहीर केल्यात: दडपशायेचे धोके, शुद्धतायेची तळमळ आनी अस्सलपणाची भिरांत.

बौद्धिक बदल :

1890 च्या दसकांत उत्तर आफ्रिकेंत केल्ले भोंवडे उपरांत जिदाच्या जिविताक एक निर्णायक मोडणं मेळ्ळें. युरोपीय बुर्ज्वा समाजाच्या नैतीक निरीक्षणांतल्यान पयस गेल्ल्यान जिदाक एकाच वेळार मुक्त जाल्ल्याचो आनी थंय पावतकच अस्थीर करपी स्वातंत्र्याचो अणभव आयलो. हांगा ताका पयलेच फावट आपले समलिंगीक इत्सेचो सोद लागलो आनी ताचो भुरगेपणांतलो आदर्शवाद मोडून पडलो. ही जागृताय फकत लैंगीक न्हय तर तत्वगिन्यानी आशिल्ल्यान नैतीकतेच्याच बुन्यादींचो ताका परत विचार करचो पडलो. इत्सा ही नैतीक जिणेखातीर धोको म्हूण पळोवचे परस दडपशाय हो चड खोल धोको अशें ताका दिसूंक लागलें.

ह्या बौद्धिक बदलाची पयली व्हडली साहित्यीक अभिव्यक्ती 'ल'इमोरालिस्ते' (1902

L'Immoraliste/इंग्लिश -The Immoralist) हे कादंबरींतल्यान ताणें केली. आपल्या लागींच्या इश्टां कडेन दिल्ले कबुलीच्या स्वरूपांत रचणूक केल्ली ही कादंबरी मिशेल ह्या विद्वानाची कथा सांगता, जो जिवाक धोको आशिल्ल्या दुर्येसांतल्यान बरो जाल्या उपरांत कामुक जिवीत आनी आत्मसाक्षात्कार हांच्या फाटबळाचेर परंपरीक नैतीकता न्हयकारता. मिशेलाच्या ह्या रुपांतराक नैतीकतेचे फास्केभितर हाडपाक जिदान न्हयकार दिला, देखून मिशेलाची मुक्ती खरी, उमेदीची लेगीत दिसली, तरी ती नैतीक नदरेनय त्रासदायक आसा. तातूंत अहंकार आनी हेरां कडेन उदासीनताय हांचो आस्पाव जाता. लेखकीय निर्णय राखून दवरून जिद वाचप्यांक स्वातंत्र्याचेच अस्पश्टतायेक तोंड दिवपाक बाध्य करता.

ल'इमोरालिस्ते एकुणिसाव्या शेंकड्यांतल्या नैतीक वास्तववादाक विराम दिवपाचो संकेत दिता आनी आर्विल्ल्या साहित्यांतल्या नैतीक दुविधांचो अदमास करता. नैतीकतायेचें चित्रण मुल्यांची एक स्थिर पद्दत म्हणून करचे परस जिद आत्मसाक्षात्कार आनी जापसालदारकी हांचे मदल्यो नाजूक वाटाघाटी म्हूण सादर करता. 'जिदाच्या वावरांतल्यान निवडीच्या साहित्याचें उक्तावण जाता, तातूंत व्यक्तींनी हमी नासतना स्वातंत्र्याचो भार घेवचो पडटा' अशें उपरांत झां–पॉल सार्त्र हाणें हे कादंबरीचेर भाश्य केलें. सोंपेंपणान आनी वयल्या वयर विचार करून जिणेंतले विरोधाभास सोडोवंक न्हयकार हो जिदाच्या साहित्यीक योगदानाचें एक व्याख्यात्मक खाशेलपण जालें.

जिवितांतले विरोधाभास :

स्वातंत्र्याक वेंगावन लेगीत जिदाच्या वैयक्तीक जिवितांत विरोधाभास उरले. 1895 वर्सा ताचें ताची मामेभयण मॅडलीन रोंदो हिचेकडेन लग्न जालें. तो तिचो उपाट आदर करतालो. तिचे कडेन खोलायेन भावनीक संबंद आसून लेगीत जिदान तांचे संबंद प्लॅटोनिक आनी आध्यात्मिक संयोग आशिल्लो अशें केल्लें. तो दोट्टी जिवीत जियेतालो. हेर दादल्या जोडीदारांकडेन लैंगीक अणभव घेतनाच तो मॅडलीन वांगडा शांत घरगुती जिवीत सांबाळटालो. 1916 वर्सा मार्क आलेग्रे ह्या 15 वर्सां पिरायेच्या भुरग्यावांगडा जिद लंडनाक गेलो. ताचेर प्रतिक्रिया म्हूण मॅडलीनान ताणें तिका बरयल्ल्या पत्रांचो व्हडलो संग्रह नश्ट केलो, 'म्हजेभितरलो सगळ्यांत बरो भाग' लासलो अशें ताणें ते घडणुकेचें वर्णन केलें. वेगळेंपण आनी संघर्श आसून लेगीत 1938 वर्सा तिच्या मरणामेरेन तांचें लग्न तिगून उरलें.

'ला पोर्ते इतव्हॉत' (1909, La Porte étroite/इंग्लिश– Strait Is the Gate) हे कादंबरींत ताणें आध्यात्मिक परिपूर्णतेच्या सोदांत सुख सोडून दिवपी बायलेचे कथेवरवीं नैतीक निरपेक्षतावादाच्या विध्वंसक परिणामांची तपासणी केल्या. नैतीक शुद्धताय क्रूरपणाचे एक प्रकार जावंक शकता अशें ही कादंबरी सुचयता. नैतीक आदर्श म्हूण त्यागाक ती न्हयकारता. हातूंत जिद इत्सेच्या अविवेकीपणाचें समर्थन करीना पूण मनशाच्या अणभवाची किचकट न्हयकारात्मक आदर्शांनी केल्ली हिंसा उक्ती करता. ताची टीका सुक्षीम आसून ती वादविवादापरस कथात्मक संयमावरवीं दिसता. हे कादंबरींत जॅरॉम आपली मामेभयण एलिसाचो मोग करता, पूण खरे आध्यात्मिक शुद्धताये खातीर भौतिक मोगाचो त्याग करचो पडटा अशें तिचें मत. नैतीक परिपूर्णतेच्या सोदांत ती सुखाचो बळी दिता, जाल्यार जॅरॉम भक्ती आनी इत्सा हांचे मदीं आडखळून उरता.

भ्रम, भावुकतेचो अतिरेक आनी रोमँटिक सपनाची निरशेणी उक्तावपी 'इजाबॅल' (1911) हे जिदाचे कादंबरींत एक तरणाटो इजाबॅल नांवाच्या बायलेच्या आदर्शीकृत चित्राचेर पिसो जाता, खरो

मनीस ताच्या कल्पनाविलासापसून पयस आसा हें ताका मागीर कळटा. ही कादंबरी रोमान्टिक आदर्शवाद मोडून उडयता आनी स्वताची फटवणूक उक्ती करता. कल्पनाविलास विरुद्ध वास्तव आनी इत्सा विरुद्ध सत्य हे दोन विरोधाभास हे कादंबरींतल्यान दिसतात.

'ला सिम्फनी पास्तोराले' (1919, La Symphonie pastorale / इंग्लिश– The Pastoral Symphony) ही ताची ल्हानशी कादंबरी. नैतीक कुड्डेपणाक नैतीकअधिकार समजूपाची चूक हातूंत दाखयल्या.

एक प्रॉटेस्टंट पाद्री एके कुड्डे अनाथ चलयेक पोसकी घेता आनी तिचे विशीं आपल्यो भावना शुद्ध धर्मार्थ आसात हाची स्वताक खात्री करून दिता. जेन्ना तिका नदर परत मेळटा तेन्ना ताच्या 'सद्गुणा' सकयल आशिल्ली भावनीक फटवणूक तिका समजता. स्वताचें नैतीक समर्थन आनी अधिकार विरुद्ध प्रामाणीकपण हो विरोधाभास हे कादंबरींत चित्रायला.

'ले काव्ह दु व्हातीकान' (1914, Les Caves du Vatican / इंग्लिश The Vatican Cellars) ही कादंबरी म्हळ्यार नैतीक निश्चीतताय आनी कुड्ड्या समजुतीचेर व्यंग्यात्मक हल्लो. पोप बंदखणींत आसा अशें मानपी एका ताळतंत्र नाशिल्ल्या कटांत पात्रांचो एक पंगड घुस्पता. तातूंतलें एक पात्र हेतविरयत खून करता. ती कृती जिद मुळाव्यान मुक्त आनी भयानकपणान रितेंपणाची म्हूण सादर करता. समजणेची विसंगती हो हे कादंबरींतलो मुखेल ताण.

नैतिकतेबगर स्वातंत्र्य :

जिदाच्या नैतीक नदरेचे केंद्रीय सुवातेर प्रामाणीकपणाची संकल्पना आसा. ताचे खातीर प्रामाणीकपण म्हणल्यार सादी कबुली वा पारदर्शकताय न्हय, तर आपणें जियेल्ल्या सत्याचेर निश्ठा, मागीर ती कितलीय अस्वस्थ करपी वा समाजीक नदरेन मान्य नासूं. ह्या तत्वाचें सगळ्यांत बरें स्पश्टीकरण ताच्या आत्मचरित्राच्या पयल्या खंडांतल्या 'सी ल ग्रा न मॅह ' (1926, Si le grain ne meurt / इंग्लिश If the grain does not die) ह्या ग्रंथांत मेळटा. ह्या ग्रंथांत जिद आपलें भुरगेपण, लग्न आनी लैंगीक जागृताय पुराय स्पश्टपणान सांगता. ह्या पुस्तकान जायत्या वाचप्यांक अस्वस्थ केले, तरीपूण आर्विल्ल्या साहित्यांत आत्मचरित्रात्मक प्रामाणीकतायेचोय नवो मानक स्थापन केलो.

जिदाची प्रामाणीकपणाची वचनबद्धताय वैयक्तीक उक्तावणापरस औपचारीक प्रयोगामेरेन पातळ्ळी. ताची सगळ्यांत महत्वाकांक्षी कादंबरी ले फॉ मॉनायु (1925, Les Faux-Monnayeurs / इंग्लिश The Counterfeiters) परंपरीक कथात्मक रूढिवादांकडेन निर्णायक वेगळेंपण दाखयता. रेखीव कथानक आनी मानसीक पारदर्शकता न्हयकारून कादंबरी पात्रां, नदर आनी एकमेकांभितर गुंथिल्ल्या कथांचें एक किचकटीचें जाळें सादर करता. पुस्तका भितरलें एक पात्र कादंबरीकार, वाचक वाचता तेच कादंबरीचेर चिंतन करून एक जर्नल बरयता. हातूंतल्यान बनावट पयशांनी बनावट जिविताचें पडबिंब दाखोवपी एक कथानक तयार जाता. उपरांतच्या आधुनिकतावादी आनी उत्तर आधुनिकतावादी तंत्रांची सुलूस दिवपी अशी स्वताची चिंतनात्मक रचणूक जिद तयार करता.

ह्या पुस्तकाच्या विशयात्मक मुळाकडेन प्रामाणीकतेचो प्रस्न आसा. बनावट पयशांचें रूपक मनशा मनशा मदले संबंद, कला निर्मिती आनी नैतीक भूमिका हांचेमेरेन पावता. खरी भावना विरुद्ध अनुकरण, सादरीकरण विरुद्ध मुक्तताय हांचे मदीं भेद करपाक पात्रां वावुरतात. अशे तरेन जिदाचो

औपचारीक प्रयोग ताचे नैतीक चवकशीपसून वेगळो करपाक मेळना. समाजीक भुमिका आनी वैचारीक रुपड्यांनी पुराय भरिल्ल्या संवसारांत प्रामाणीकपण मेळोवपाची अडचण हें विखंडीत कथन दाखवता.

पूण हे जायत्या आधुनिकतावाद्यांभशेन जिद शून्यवादाक शरण वचना. नैतीक निरपेक्षतायेविशीं ताणें उक्तायल्ल्या दुबावाक लागून नैतीक उदासीनताय निर्माण जायना. ताचे बदला तो सतत स्वताची तपासणी करपाची गरज आसा अशें दाखवता. ते नदरेन जिदाचो आधुनिकतावाद आर्विल्ल्या अनिश्चिततायेक तोंड दितना लेगीत स्पश्टताय आनी प्रमाण हांचेविशीं अभिजात हुस्को तिगोवन दवरता. प्रामाणीकता ही साध्य करपाची स्थिती न्हय तर सतत नूतनीकरण करपाची पद्दत अशें ताच्या वावरांतल्यान दिसून येता.

राजकारणाकडेन जिदाचो संबंद ताच्या नैतीक स्वातंत्र्याचें आनीक स्पश्टीकरण दिता. 1930 च्या दसकांत साम्यवाद हो बुर्ज्वा पाखंडीपण आनी भांडवलशायी शोशणाक हांकां नैतीक पर्याय अशें मानून तो साम्यवादाच्या लागीं गेलो. ताचे सुरवेचे उमेदींत समाजीक न्याय आनी इतिहासीक अर्थ सोदपी युरोपीय बुदवंत लोकांमदीं आशिल्ली चड व्यापक प्रवृत्ती दिसून आयली. तरी लेगीत 1936 वर्सा जिदाची सोव्हिएत युनियनाची भेट ताका खोलायेन निराश करपी थारली. सेंसरशिप, अनुरूपताय आनी वैयक्तीक स्वातंत्र्य दडपशाय हाका लागून अस्वस्थ जाल्ल्यान ताणें 'ह्तु दे ल यु एस एस आर' (1936, Retour de l'U.R.S.S./ इंग्लिश Return from the USSR) ह्या आपल्या पुस्तकांत सोव्हिएत समाजाचेर स्पश्ट टीका केली.

वैचारीक निश्ठा ह्या नांवाखाला जायत्या लेखकांनी स्टालिनवादी कृतींक दिल्ल्या काळांत जिदाचे समीक्षेक बरोच नैतीक धैर्य जाय पडलें. ताणें सत्याक राजकी वचनबद्धतेच्या अधीन करपाक न्हयकार दिल्ल्यान ताका इश्टागत आनी प्रभाव हांचें मोल दिवंचें पडलें, पूण ताकाच लागून ताणें बौद्धिक प्रामाणीकपणाचेर धरिल्लो आजीवन आग्रो हें ताचें खाशेलपण जालें. टोनी जट हाणें नोंद केल्ले प्रमाणें, जिदाची निरशेणी युरोपीय मानवतावाद आनी विसाव्या शेंकड्यांतलो राजकी अतिरेक हांचेमदल्या दुखेस्त झुजाची देख दिता.

लेखकाची सत्याची जापसालदारकी :

उपरांतच्या वर्सांनी जिदान आपले दिसपटी बरपावळीचेर चडांत चड लक्ष दिलें, ह्यो दिसपट्यो कितलीशींच दसकां मेरेन पातळ्ळ्यात आनी सदांच गतींत आशिल्ल्या मनाच्यो त्यो असादारण नोंदी. ह्या दिसपटयांनी एक लेखक आपलीं मतां सतत सुदारता, अणभवाच्या आड आपल्या धारणांची चांचणी करता हें उक्तें जाता. जिदाचो खरो विशय खंयचीच विचारसरणी वा सौंदर्य चळवळ न्हय, तर नैतीक जावपाची प्रक्रिया.

1947 वर्सा जिदाक दिल्ल्या नोबॅल पुरस्कारान ताचे खंयचेय एकसुरे कामगिरीपरस ताच्या पुराय नैतीक प्रक्षेपवृत्ताक मान्यताय दिली. पुरस्कार घेतना जिदान आपल्या भाशणांत समाजाचें सांत्वन करप वा एकमत जावचे परस सत्या कडेन लेखकाचे जापसालदारकेचेर भर दिलो.

लैंगिक अस्मिताय, नैतीक अस्पश्टताय आनी आत्मविभाजन हांचेविशींच्या भासाभासांक कायदेशीरपण दिवन गंभीर साहित्याच्यो विशयीक शक्यतायो ताणें वाडयल्यो. ताचो प्रभाव सार्त्राच्या अस्तित्ववादी नीतीशास्त्रांतल्यान, कॅम्यूच्या नैतिक स्पश्टतायेंतल्यान आनी उपरांतच्या लेखकांच्या

संस्कृतायेंतल्या कबुली दिवपाच्या प्रयोगांतल्यान दिसता. शिक्षणवादांत वा निरशेणेंत घुस्पनासतना साहित्य नैतीक प्रयोगाची सुवात म्हूण काम करपाक शकता, हें ताणें दाखयलें.

चड व्यापकपणान गिडे आधुनिकतावादाचे पर्यायी आदर्श दिता. ताणें आर्विल्ल्या दुबावाकडेन अभिजात संयमाचो संयोग केल्ल्यान आर्विल्ल्या साहित्यान नैतीक गंभीरताय सोडची पडटा अशे समजणेक आव्हान मेळटा. ताचे बदला अनिश्चिततताय स्वता नैतीक खरपणाचो स्रोत जावंक शकता हें जिद दाखयता आनी आर्विल्ले जिणेंतल्या नैतीक दुविधां कडेन स्पश्टपणान उलयत रावपाची खात्री करता.

❑



उदय भेंब्रे – आमकां इतिहास आनी चरित्रांय वाचपाची संवय ना

अन्वेशा सिंगबाळ

अन्वेशा सिंगबाळ : हॅलो, नमस्कार आनी पॅज टर्नराच्या आनीक एका ऍपिसोडांत तुमकां सगळ्यांक मायेमोगाचो येवकार! फाटल्या दोन ऍपिसोडांत आमी नवे लेखक, नवे अनुवादक, नवीन पुस्तकां आनी पुस्तकांची नवीन पानां तुमच्या मुखार हाडलीं, तुमच्या मुखार चाळ्ळीं आनी आयजूय बी पॅज टर्नराच्या ह्या ऍपिसोडांत अशेंच एक पुस्तक, असोच एक लेखक आमी तुमच्या मुखार घेवन येतात. आयज आमच्या सांगातान जे लेखक आसात तांची वळख खरें म्हणल्यार हांवें तुमकां वेगळी करून दिंवची गरज ना. आमच्या वांगडा आसात नामनेचे लेखक, विचारवंत आनी कोंकणी म्हालगडे, आमच्या सगळ्यांचे प्रेरणास्थान उदयबाब भेंब्रे. उदयबाब येवकार तुमकां.

उदय भेंब्रे : नमस्कार!

अन्वेशा सिंगबाळ : उदयबाब, आमी तुमच्या पयल्या कादंबरीक खूब तेंप रावताले. आमी जाणां आशिल्ले तुमी इन्किजिशनाचेर वाचतात, ताचो अभ्यास करतात. आनी बऱ्याच तेंपान व्हडलें घर आमच्या हातांत पडलें आनी खरें सांगचे म्हणल्यार व्यक्तीक म्हाका सुद्दा दिसलें कादंबरीकार उदय बाबाक आमी खूब वेळान मेळ्ळे, खूब वेळ आमकां रावचें पडलें पूण तातूंत तितलीच खोस जाता की त्या पयल्या कादंबरे उपरांत दुसरी कादंबरी दिवपाक तुमी आमकां खूब वेळ दवरले ना, खूब वेळ

तिश्टायले ना. आनी आतां कातर रे भाजी ही आबे द फारीय हांच्या जिविताचेर आदारिल्ली कादंबरी घेवून तुमी आमच्या मुखार येतात. तुमकां खूब खूब परबीं उदयबाब आनी देंव बरें करूं हांव ही कादंबरी तुमी आमच्या मुखार हाडटात.

उदय भेंब्रे : देव बरें करूं हांवें म्हणूंक जाय.

अन्वेशा सिंगबाळ : उदयबाब, ह्या कादंबरीचें बींच तुमकां खंय सापडलें आनी अशा विशयाचेर कादंबरी बरोंवची अशें कित्याक दिसलें?

उदय भेंब्रे : चरित्र वाचिल्लें, एक दोन तीन चरित्रां वाचिल्लीं पूण बरोवपाची प्रेरणा म्हाका मेळ्ळीं ती गोवा विद्यापिठाच्या एम. ए.च्या वर्गांत. तूं जाणा आसतलें की गोवा विद्यापिठांत हांवें चार वर्सां शिकयलां. जे दोन विशय हांव शिकयतालो तातूंतलो एक विशय आशिल्लो शणै गोंयबाबांची समग्र बरपावळ आनी ते बरपावळींत दोन चरित्रां आसात. एक राम कामतीचें आनी एक आबे फारीयाचें. ल्हान आसा पूण आसा. तें सुरू करचें पयलीं हांवें विद्यार्थांक एक प्रस्न विचारलो आबे फारीय हें नांव तुमी आयकलां कांय म्हणून. एकय हात वयर सरलो ना. आबे फारीय हो गोंयकार कांय पुर्तुगेज हें जाणांत कांय म्हणून, परत एकय हात वयर सरलो ना. पणजेंत पालासी कडेन एक पुतळो आसा तो पळयला कांय म्हणल्यार एक सात आठ हात वयर सरले. तो कोणाचो? तो कित्याक बांदला खबर आसा? ना. म्हणटकर हाचे वयल्यान म्हाका दिसलें की तां ही तरणाटी पिळगी पूण तरणाटे पिळगेक जर हाची वळख ना. जाणट्यांकय ती कितली आसत म्हणपाचो म्हाका दुबाव दिसलो.

अन्वेशा सिंगबाळ : बरोबर.

उदय भेंब्रे : आनी त्या खातीर दिसलें की ही वळख घडोवची, निदान कोंकणी भाशीक समाजाक घडोवची. कोंकणींतल्यान म्हणटात तशें. आनी परत तोच जो प्रस्न म्हाका व्हडल्या घराच्या वेळार दिशिल्लो तोच हांगाय हांवें लागू केलो. तो कितें की जसो आमकां इतिहास वाचपाची संवय ना तशींच आमकां चरित्रांय वाचपाची संवय ना. कित्याक वाचतलो जाल्यार कोंकणींत दोन आसात. मराठींत एक ल्हानशें आसा. फ्रँचेंत एक आसा, पुर्तुगेजींत एक आसा आनी तीन चार इंग्लीशींत आसात. म्हणटकच भाशेची तशी अडचण ना. पूण वाचपाची पळय जी एक इच्छा आसूंक जाय तीच उणी आसा. म्हणल्यार ते खातीर हो विशय साहित्यांतल्यान मांडचो, जसो तो विशय मांडिल्लो तसोच होय बी चरित्र बरय नासतना कादंबरिच्या रुपांत मांडचो. अडचणी हांव जाणा आशिल्लो, अडचणी खूब आशिल्ल्यो कित्याक थंय मटेरियल खूब मेळटालें. हांवेंच आवळून तें कमी केलें भितर, वाडयलें ना. हांगा मटेरियलूच कमी मेळटालें आनी ताका लागून जातलें कांय ना जातलें, म्हज्या एका इश्टान तर दुबावूच दाखयिल्लो की ताचेर कादंबरी कशी जातली कांय म्हणून. हांवें म्हणलें पळोवया, हांव प्रयोग करतां. आनी त्या प्रमाणे ती कादंबरी बरोवपाची प्रेरणा म्हाका थंय मेळ्ळी. म्हणटकच तो विशय पयलीं शिजिल्लो तकलेंत खंयचो? हांवें युनिवर्सीटींत वचचे पयलींच बरोवंक सुरवात करी इतल्यान तें आमंत्रण आयलें. म्हणटकर पयलीं तें बरोवन सोपयतकीर मागीर हांवें ताका हात घालो. आनी एक कारण आसा, वेळ जावपाक किंवा हें मागीर घेवपाक. दोन तीन चरित्रांनी म्हाका मेळ्ळें की आमी बरयलां तें खंय तरी वाचून, आयकून अशें. हाचें खरें अथोरिटेटीव चरित्र बरयलां तें डॉ. जलासियो दाल्गादान. डॉ. जलासियो दाल्गादान म्हणटात तो न्युरोसर्जन आनी आमच्या मोन्सेन्योर रुदोल्फ सेबिस्तियांव

दाल्गादाचो भाव, पुर्तुगालाक आशिल्लो. ताणें फ्रांसाक वचून जाच्या जाग्यार तो राविल्लो म्हूण मेळटा थंय थंय कितें खात्रीची बातमी मेळटा किंवा दस्तावेज कसलो मेळटा, मरण अमके कडेन जाल्लें जाल्यार त्या मरणाची सर्टिफीकेट मेळटा कांय कितें, अमके कडेन शिकयिल्लें जाल्यार थंय कितें रॅकोर्ड मेळटा कांय कितें अशे पद्दतीन एक चरित्र बरयलें. पूण घडलें अशें की तें चरित्र 1906 वर्सा प्रशिद्ध जालें फ्रेंच भाशेंत आनी 2004 वर्सां एका फ्रेंच डॉक्टरान तें इंग्लीशींत हाडलें. तें म्हाका गोंयांत मेळना जालें. म्हणून हांवें म्हज्या इश्टाक अमेरिकेक कळयलें कारण कॅनडांत प्रसिद्ध जाल्लें. तो रावतालो अमेरिकेक अनुवादक. कॅनडाक चौकशी केली मेळना, हांगांय चौकशी केली मेळना. निमाणे कडेन म्हाका तें डॉ. राजेंद्र (6.32- 6.34) पुस्तकां मदीं मेळ्ळें आनी मागीरच हांवें ती बुनयाद धरून म्हणल्यार हेर खंयचेंय चरित्र न्ही, सगळीं चरित्रां कुशीक दवरलीं आनी हें चरित्र दोळ्यां मुखार दवरून ह्या कादंबरीची आंखणी केली.

अन्वेशा सिंगबाळ : उदयबाब, तुमी म्हणलें तशें ही कोंकणींतली पयली चरित्रात्मक कादंबरी म्हणू येता हाका.

उदय भेंब्रे : मातसो दुबाव आसा म्हज्या मनांत पूण नवलिका आनी कादंबरी असो जर फरक केलो जाल्यार हिका पयली कादंबरी म्हणू येता. कित्याक म्हणटा हांव, प्राद्यापक कल्पीता राउत देसाय हांणी संत सोयरोबानाथ आंबियेचेर एक नवलिका बरयल्या आनी ती कादंबरीच्या रुपांत आसा. पूण तिचो आंवाठ ल्हान आशिल्ल्यान तिका आमी नवलिका म्हणटात. म्हणटकच पयली नवलिका असो विचार केलो जाल्यार ती जाता आनी पयली कादंबरी म्हूण स्पश्ट पळयलें जाल्यार मागीर तिका बोट दाखोव येता.

अन्वेशा सिंगबाळ : उदयबाब, चरित्रात्मक कादंबरी जशें तुमी म्हणलें की ताची एक वेगळी धाटणी आसा आनी चरित्रात्मक कादंबरी बरोवपाची बी आव्हांना वेगळीं म्हणटकच कशें तरेचें आव्हान आशिल्लें म्हणल्यार तुमी म्हणटात तशें तुमच्या इश्टान विचारलें कशी जातली, कादंबरीच्या फोर्मान कशी जावं येता म्हणटकर तें आव्हान कशें आशिल्लें आनी चरित्रात्मक कादंबरी म्हूण तुमी कितें वेगळें तंत्र वापरला कांय कितें ह्या कादंबरी खातीर?

उदय भेंब्रे : म्हज्या पद्दतींत हांवें ल्हान ल्हान बदल केल्यात म्हणजे कादंबरी बरोवपाची जी रित आसा तातूंत म्हजे पद्दतींत. पूण हांव ताका मोटे बदल म्हणचो ना आनी मोटे तंत्रय म्हणचो ना कळ्ळे न्ही. चॅलेंजीस आशिल्ल्यो त्यो अश्यो की पंदरा वर्सां मेरेन तो गोंयांत आसा मागीर ताका बापायन पुर्तुगालाक व्हेलो. पुर्तुगालच्यान ते रोमाक गेले आनी दोगूय शिकले रोमांत, दोगायनी डॉक्टरेट केली रोमांत. परत लिसबोआंत आयले, लिसबोआंत कांय वर्सां रावले आनी सारकीं 64 वर्सां तो जियेलो आबे फारीय. 32 वर्सां ताची लिसबोआंत पुर्ण जालीं आयुश्याचीं आनी उरिल्ले अर्द आयुश्य फ्रांसांत गेलें. आतां म्हजी अडचण आशिल्ली ती अशी की गोंयचो वाठार आमकां वळखीचो, पुर्तुगाल वळखीचें न्हय, रोम तर न्हय आनी फ्रांसय न्हय. म्हणटकर ती एक अडचण आशिल्ली की त्या त्या देशांतली परिस्थिती त्या काळांत कितें आनी एकंदर तांची संस्कृताय हें लक्षांत घेवून तें बरोवचें पडटलें. फ्रांसाच्या बाबतीन आनीक एक अडचण आशिल्ली जाणे डॉ. दाल्गाताक पसून अडचण हाडिल्ली ती

अशी की तांच्या आयुश्यांत खंय दोन वर्सां, खंय तीन वर्सां, खंय पांच वर्सां, खंय सात वर्सां नी खंय इकरा वर्सां येदे गॅप मेळटात आनी खंयचो चरित्रकार सांगूक शकना की ह्या वेळार तांणे अमके केलें म्हणून, ते सायलंट रावतात. डॉ. दाल्गादाचेरूय तीच परिस्थिती आयली पूण डॉ. दाल्गादान तितलें टाळून म्हणजे तर्क केले नात. जें कितें मेळ्ळें खरें तेंच सांगलें पूण हें गॅप उरलें, जें गॅप दवरप म्हाका परवडनाशिल्लें म्हणटकच थंय हांवें कल्पनेचो आदार घेवन ताचे जिवना कडेन सुसंगत अशे पद्दतीन कांय कल्पना, तर्क करून ते मांडले. जाप म्हजी इल्ली लांब जातली पूण देखीक दितां, एक देख अशी की ताका मार्सय शारांत मॅडिकल सोसायटींत आपलो मॅम्बर करून घेतलो. खंयचोच चरित्रकार सांगना कित्याक. आतां ताचे कडेन कांय मॅडिकल डिग्री नाशिल्ली किवां तो दोतोरकी वा त्या पद्दतीचें कसलेंय कांय करनाशिल्लो. ताका मॅम्बर कित्याक केलो हें कोण सांगना म्हणल्यार म्हाका तें रॅशनलायज करचें पडलें. आनीक एक गजाल, तो जुगडी घरांत वतालो पॅरिसाक. डॉ. दाल्गादाक तें मात्शें कठीन जावपाक लागलें एक्सेप्ट करपाक की हो एदो व्हडलो मनीस, पाद्री मनीस, तो जुगडी घरांत कित्याक वतलो आनी तांणी वचून चवकशी केली आनी ताचें वाक्य अशें की इट लूक्स बिजार बट इट इज ट्रू. डॉ. दाल्गादाचें वाक्य. ताणें थंय वचून खबर काडली आनी ताका कळ्ळें की तें खरें म्हूण पूण तो कित्याक वतालो आनी तो वचपाचो बंद कित्याक जालो हें कोण सांगना. म्हूण थंय म्हाका तर्क करचो पडलो तो कित्याक थंय गेलो आनी कशे रितीन तो थांबलो. तशींच हीय खबर, मार्सय तो अकादमींत गेल्लो शिकोवपाक आनी ताचो विशय काय शिकोवपाचो मॅडिसीना कडेन संबंधीत न्ही. थंयच्यान ताचो संबंद त्या सोसायटी कडेन कसो आयलो आनी तांचे मुखार ताणें कशे प्रयोग केले आनी तांका कशं पटोवन दिलें की हो मॅडिसिनाचोच एक भाग जाता म्हूण देखीक तुज्यान कसलेंच वखद दिनासतना भुलविद्येच्या आदारान दांत काडूंक जाता, दूख येवूंक दिनासतना. कोणूय बायल बाळंत जावपाची आसा आनी तिका वेणो येवन दुख आयिल्ली नाका अशा वेळार तिका भुलविद्येच्या रुपांत दूख नासतना तिचें बाळंतपण करूं येता. आनी हेर मागीर बारीक बारीक अशो गजाली, ह्यो ताणें प्रयाग करून ताचे मुखार दाखयल्यो सोसायटी मुखार आनी तेन्ना ताका तांणी एक्सेप्ट केलो की तूं जें करता तें आमच्याच क्षेत्रांतलें म्हणून. शेवटी तूं मनशाक बरो करता. ताचें जें कितें दुर्येंस आसा तातूंतल्यान तूं ताका निवळायता आनी हीं कामां करपाक तूं सोंपें करता आमकां कित्याक म्हाका डॉक्टरानी सांगला त्या प्रमाणे त्या काळांत एनेस्थिशया तर नाशिल्लीच, पूण क्लोरोफोर्म पसून नाशिल्ले, स्थेतोस्कोप नाशिल्लो. असलो काळ तो, म्हणटकर त्या काळांत ताणें हें करून दाखयलें तांका तेन्ना तांकाय पटलें की हें आमच्याय शास्त्राक लागू जाता म्हणून ताका मॅम्बर केलो.

अन्वेशा सिंगबाळ : ना आनी ही तारेवयली कसरत एका तरेन कारण जशें तुमी म्हणलें की चुकीचेंय बी हातूंत दिसपाक जायना म्हणल्यार लोक म्हणपाक शकतात की अरे तूं कितें, तो कसो वचपाक शकता जुगाड घरांत कांय म्हणून.

उदय भेंब्रे : सामकें खरें, सामकें खरें कित्याक जें तूं सांगता तें बुद्धीक पटपा सारकें आसूंक जाय न्ही. तर्क पसून केलो जाल्यार तो तर्क पटूंक जाय. आतां हातूंतली एक मजा पळय. घडला अशें डॉ. दाल्गादान बरोवन दवरला, ताचे पयली बॅकग्राउंड सांगता. सुमार आबे फारीयच्या मरणा उपरांत पन्नाशेक वर्सांनी अलेक्झांडर ड्यूमा हो फ्रेंच भाशेंतलो एक मोटो लेखक. ताणें द काउंट ऑफ मॉंटे

क्रिस्तो ही एक कादंबरी बरयली, बरी येदी मोटी कादंबरी. आनी ते कादंबरेंत आबे फारीय ह्या नांवाचें एक पात्र घालें. सामकें स्ट्रेट आबे फारीय आनी तो इतालीयन पाद्री अशें दाखयलें. गोंयचो वा एशियन म्हूण दाखयलो ना. आनी तो एक खजिनो आसा म्हणपाचें ताका खबर आसा आनी तो खजिनो सोदून काडपा खातीर तो वावुरता. कित्याक तो स्वता करूंक शकना म्हणून ताका बंदखणींत एक सेलर मेळटा, ताचेरय अन्याय जाल्लो आसता. त्या सेलराक तो मॅप बीन दिता आनी त्या प्रमाणे ताका पळून वचपाक मदत करता. ताका मागीर तो खजिनो मेळटा. म्हणल्यार कादंबरींत मदींच खंय तरी एक दोन चॅप्टरांत तो येता पयलींय ना मागीरूय येना. आतां पळय हो बॅकग्राउंड न्ही भोवतेक चरित्रकार सांगतात की ताका धरलो आनी बंदखणींत घातलो आनी कितलो तेंप, इकरा वर्सां. आतां इकरा वर्सां जर कोणाकूय बंदखणींत दवरतात जाल्यार तो गुन्यांव बरोच व्हडलो आसचो पडलो, तो सांगनात कसलो तो पूण ताका धरलो आनी बंदखणींत घातलो आनी थंय तो इकरा वर्सां उरलो. आतां जाता कितें हो डॉ. दाल्गाद जेन्ना फ्रांसांत वता ताचे विशीं खबर काडपाक तेन्ना तो जे खानावळींत रावतालो मादाम चिबले म्हणटात ती तिची एक खानावळ. थंयच तो रावतालो म्हणल्यार जेवणाची वेवस्था जाताली, रावपाचीय जाताली. त्या खानावळीच्या जाग्यार तो गेलो तेन्नाय एक व्हडलें हॉटेल उबें जाला. कित्याक तो पावलो २०व्या शेंकड्यांत आनी हो गेला १९व्या शेंकड्यांत. थंय जी रिसॅप्शनिस्ट आसता तिका तो विचारता, हांगा पयलीं मादाम जिबलेची खानावळ आशिल्ली? हय म्हणटा ती. ते खानावळींत आबे फारीय नांवाचो एक पाद्री रावतालो, ताचें विशीं आपल्याक हांगा कोणूय सांगू शकत म्हयती कितेंय. ती खो खो करून लागता हासूंक. तो म्हणटा तूं हांसता कित्याक? तर तो म्हणटा खरो मनीस न्हीं. तो अलेक्झांडर ड्यूमाच्या कादंबरींतलें पात्र म्हणून, ताचें विशीं तुका कोण सांगतलो.

अन्वेशा सिंगबाळ : बरोबर!

उदय भेंब्रे : म्हणटकर तो बाबडो कपलार हात मारता आनी परत येता. म्हणल्यार इतली कशी परिस्थिती जावन गेली.

अन्वेशा सिंगबाळ : पुराय काल्पनीक पात्र.

उदय भेंब्रे : म्हणटकच ह्या अडचणींतल्यान ताणेंय वाट काडली पूण गॅप्स उरले जे म्हाका तर्कान भरचे पडले.

अन्वेशा सिंगबाळ : उदयबाब, हो प्रस्न हांवें तुमकां हाचाय पयलीं विचारला पूण मोह जाता म्हूण विचारतां की व्हडलें घर धरया किंवा कातर रे भाजी धरया, तुमकां इतिहास स्वता कडेन ओडटा अशें म्हाका सदांच दिसतां आनी अश्या परिस्थीतींत जंय आयज आमी आयकतात की कित्याक इतिहासांत वयचें, कित्याक इतिहास परत खणून काडचो किंवा इतिहास हो एक बोरींग सब्जॅक्ट अशेंय खूब जाणांक दिसता. अश्या वेळार तुमकां कित्याक इतिहास सदांच साद घालता आनी तुमच्यो दोनूय कादंबऱ्यो पळयल्यो जाल्यार तातूंत इतिहास बऱ्याच प्रमाणांत येता आनी तुमी तें थोडेशें पथ्यूय बाळगितांत की इतिसाक तुमी खंय हात लायनात. कित्याक इतिहास तुमकां अशे तरेन लागीं ओडटा?

उदय भेंब्रे : कळना म्हाका, एक शक्यता अशी आसा की हांवें जेन्ना बीए करपाचें थारायलें तेन्ना म्हाका सोंपें पडटलें अशे विशय घेतले. तातूंतले आठ पेपर पॉलिटिकल सायन्स कित्याक हांवें राष्ट्रमतांत पांच वर्सां काम केल्लें, ताच्या फाटली खबर ही. म्हणल्यार सादारणशी लोकशाय आमची कशी चलता,

पॉलिटिकल राज्य कशें चलता ताची कल्पना आशिल्ली. दोन मराठी घेतले आनी दोन इतिहास, मेळून सगळे बारा पेपर. आनी इतिहास पळय घेतलें ताच्या खातीर जी पुस्तकां म्हाका अभ्यास करचीं पडलीं तातूंतल्यान म्हाका इतिहासा विशींची आवड निर्माण जाली अशें हांव धरतां कित्याक ताचें पयलीं हांवें इतिहासाचेर खूब कितें वाचिल्लें शें कांय घडूंक ना कित्याक विद्यार्थी काळ न्ही तो म्हणल्यार जाय, गरजेचें तितलेंच वाचप जातालें. म्हणटकच म्हाका दिसता त्या कारणाक लागून इतिहासा विशीं एक आवड निर्माण जाली आनी ती आवड निर्माण जाल्ल्यान हांव मागीर गोंयच्या इतिहासा विशीं चड करून, आमचो इतिहासूच असो आसा की तो कसो कसो बदलत गेला ताची कल्पनाच येना. जें जें पुस्तक मेळटा तें वाचपाक, आवड म्हणून हां, केवळ आवड म्हणून, इतिहासाचेर हांव कितेंय बरयतलो किंवा ताचेर कितेंय साहित्य रचतलो अशी चुकून पसून कल्पना केन्ना आयली ना मनांत आनी वाचत वाचत गेलो आनी म्हज्या हातांत हें प्रॉ. प्रियोळकारालें गोवा इन्क्विजिशन हें पुस्तक पडलें. हें केन्ना हांव मुंबय आसतना आनी तें पुस्तक मेळटकच म्हाका दिसलें की हो सगळो नाट्यमय इतिहास म्हणजे आमच्या एकंदरीत इतिहांसांत तो काळ पळय जो आसा तो इतलें घडलां की जें नाट्यमय आसा आनी जातूंतल्यान बोध घेवपा सारकें आसा हें म्हत्वाचें. म्हणटकच हांव त्या विशयाचेर मेळटा तें पुस्तक घेवून दवरूंक लागलो, त्या वेळार वाचूंक पावलो ना आनी जेन्ना जेन्ना म्हाका वेळ मेळटा तेन्ना तेन्ना हांवें ती पुस्तकां वाचपाक सुरवात केली. ताका लागून त्या विशया विशींची म्हजी जी पळय गोडी किंवा एक चडांत चड जाणून घेवपाची इत्या आसा ती वाडत गेली आनी एक सादारण नदर आयली की खरे कितें आनी काल्पनीक कितें हाचो अदमास येवंक लागलो आनी तातूंतल्यान आमकां बोध घेवपा सारकें जाय तें आसा म्हणपाची जाणीव जाली. आतां हांवें एकदं बरोवपाचें येवजीलेंच ना अशें सांगलें न्ही ताचें कारण हांव गितां बरयतालो. सुरवातिच्या काळांत कॉलेजीक आसतना कांय कथा बरयिल्ल्यो पूण मागीर कथा बीन बरोवप जालें ना आनी मागीरचो सगळो काळ असो गेला वयांत येतकच की तुका लांब कितेंय बसून बरोवपाचो वेळूच नाशिल्लो. केतेंय गितां रचल्यात त्या काळांत तितलींच. बरयतलो अशेंय येवजिलें ना आनी बरोवपाची कला म्हज्या आंगांत आसा अशेंय धरलें ना. आनी हांवें म्हज्या कादंबरीकार इश्टाक हो विशय सुचयलो की बरो विशय आसा, नाट्यमय विशय आसा आनी पुस्तक म्हजे कडेन आसा. तूं तें व्हरून जर वाचलें आनी बरयलें जाल्यार एक बरी कादंबरी जावं येता. ताची कितें अडचण आशिल्ली म्हाका कळना पूण ताणें व्हडलीशी त्या विशीं आस्था दाखयली ना. कांय वर्सां गेलीं, कांय वर्सां वतकच आमगेर महाबळेश्वर बाब सैल आयिल्ले. कसल्या तरी कामाक आयिल्ले. तांकाय हांवें तोच विशय म्हणलो की हो एक विशय आसा जो विशय म्हज्या दृश्टींत कादंबरीचो विशय जावं येता आनी पुस्तकां म्हजे कडेन आसात, तीं तुज्यान व्हरून तो विशय बरोवंक जाता. तांणी इत्या दाखयली. तीं सगळी पुस्तकां व्हेलीं आनी तातूंतल्यान तांची युगसांवांर म्हणटात ती कादंबरी आयली. कादंबरी बरी जाली पूण म्हजें समाधान जालें ना. ताचें कारण आमच्या इतिहासाच्या वेगळ्या वेगळ्या पांवड्यांचेर एक पांवड्याचेर धर्मांतर आसा आनी तें धर्मांतर थोडी वर्सां जातकत मागीर इन्क्विजिशन येता पूण म्हजें तकलेंत जें नाट्यमय कितें आशिल्लें तें धर्मांतरण न्ही. त्या धर्मांतरणाचेर पुस्तकां आनीकय आयिल्लीं, कांय कथा आयिल्ल्यो. इन्क्विजीशन, जो विशय देशी भाशेंतल्या खंयच्याच साहित्यांत येवंक नाशिल्लो म्हूण सामको नवो विशय. म्हणटकच युगसांवांरांत म्हजो तो प्रस्न तसोच उरलो मनांत आनी मागीर एक दीस विचार आयलो की जर हांवें इतलो अभ्यास केलां. कांय ना

म्हणल्यार तीस पस्तीस पुस्तकां हांवें जमयलीं आनी वांचलीं. रिपीटेशन आशिल्लें खुबशें पूण प्रत्येकाचो आपलो म्हूण व्यूव आसता, बरोवपाची आपली म्हूण तरा आसता ती मेळ्ळी म्हाका आनी तातूंतल्यान हांव येवजूंक लागलो की म्हज्यान बरोवंक जायत कांय म्हूण आनी येवजीता येवजीता म्हाका दिसलें की प्लॉट बरो तकलेंत शिजता. बरोवचें, प्रयत्न करचो तातूंत कितें आसा आनी ती कादंबरी बरोवंक घेतली हांवें आनी त्या प्रमाणे ती कादंबरी आयली.

अन्वेशा सिंगबाळ : उदयबाब, जशें तुमी म्हणलें की इतिहासांतली इतली पानां वाचल्यात आनी दोन कादंबऱ्यो जाल्यात. आनीक खंयचे विशय आतां तुमच्या तकलेंत घोळपाक लागल्यात कांय कितें?

उदय भेंब्रे : घोळटात पूण म्हाका आतां अडचणीन दिसतात. अडचणीन दिसतात त्यो अश्यो की वय जाला ताका लागून मोठें कितेंय हातांत घेतलें जाल्यार तें पूर्ण जावंक पावतलें कांय कितें? इतली चिकाटी म्हजे कडेन उरतली कांय कितें? हो विचार एक मनांत येता आनी ताका लागून ताका हांवें हात घालूंक ना अजून पूण एक विशय म्हजे तकलेंत घोळटा, आतां मेरेन ज्यो चॅलेन्जीस आशिल्ल्यो ताचे परस चड आसात. आनी तो विशय म्हणटात तो महाभारतांतल्या अंबेचो. जें कितें घडला तिच्या संबंदान तें इतलें नाट्यमय आसा पूण थंय कांय अडचणी येतात. तांचेर जर हांव उपाय काडूंक शकलो जाल्यार म्हजे नदरेन हांव तिका हात घालूंक सोदतां. व्हडल्या घरा संबंदांत अभ्यास करतना आनीकय कितलेशेच प्लॉट मेळटाले. हांवें तो मोह टाळ्ळा म्हूण हांवें सांगलें पळय, तांचेरय बरोवंक जाता पूण ते परत परत तोच विशय परत परत तोच विशय अशें दिसतलें, म्हाकांय तें दिसतलें म्हणून हांव तें टाळटां पूण तो एक विशय सद्या म्हजे तकलेंत घोळटा. पूण तयारी अजून जावंक ना.

अन्वेशा सिंगबाळ : आमी इतलेंच मागतात उदयबाब की ती तयारी जांवची आनी तुमी म्हणला तशें महाभारत हो खूब व्हडलो विशय आनी मेन म्हणजे चॅलेंजीस म्हणच्या पेक्षा ताचेर खूब साहित्या आसा, तरेतरेचीं महाभारतां आसात पूण तरीय आसतना तुमकां तुमी जें सोदतात तें मेळूं आनी आमकां ती कादंबरी वाचपाक मेळूं अशें हांव मागत. उदयबाब कार्यावळ सोपोवच्या पयली कात रे भाजी आमच्या भेटेक येता आनी हांव मुजरत तुमचे कडेन मागन की तातूंतल्यो कांय वळी जर आमच्या आयकुप्यांक तुमच्या तोंडांतल्यान आयकुपाक मेळ्यार आमकां खूब बरें दिसतलें.

उदय भेंब्रे : अवश्य अवश्य... आनी हांव वांचता तें प्रकरण आबे फारीयाच्या मरणा उपरांतचें. गरिबांतल्या गरिबां खातीर दवरल्या ती कोटेस आबेक दिली. आदी ताचो काशांव इंगर्जेत व्हरूंक दिलो ना. मागीर ताच्या शिश्यांनी आबेन देव धर्म केन्नाच सोडलो ना हें सांगून आग्रो धरतकूच काशांव इंगर्जेत व्हरूंक दिलो फकत पांच मिनटां खातीर. हें बरें जालें ना, मीस सांगपाक एकूय पाद्री तयार जालो ना. मास सांगनासतना इतेर जालो? हय तसोच जालो. तांका बुद्ध देवान दिल्ली कांय सैतानान दिल्ली अशें म्हणचें? जोकीन मनांतली खंत दाबून धरली जोकीन हो आबे फारीयालो इश्ट, जो तो मरतकच पॅरिसाक पावता. आनी लुसियान हो ताच्या दुसऱ्या इश्टाचो पूत जो ताका मसंडेंत घेवन आयला आनी तांचे मदीं उलोवप जाता. जोकीन मनांतली खंत दामून दवरली. लुसियानाक विचारलें आनी मागीर काशांव घेवन सॅमिनारींत गेले. थंय एके कुशीक गरिबांतल्या गरिबांक खातीर जमनीचो कुडको आसा. त्या

कुडक्याच्या एका कोनशाक फोंड खणिल्लो, थंय आबेची कूड मातयेक लायली. लुसियानाचें मुखामळ रागांत तांबडें जाल्लें. आवाजाक तिडकिची धार आशिल्ली. जोकीची भावना वेगळी निशिल्ली मात जाणटेपणाच्या नात्यांत ताणें लुसियानाच्या खांद्यार हात दवरून मातसो थांबलो. लुसियान समजलो, थोड्या वेळान तो शांत जालो. जोकीन म्हणलें म्हाका सिमित्रींत वचूंक जाय, फोणार नदर घालूंक जाय. कांय खीण ताच्या नदरेंत नदर गेली. ताणें जोकीनच्या नदरेंतलो निश्चेव पारखिलो, विचारलें आतां या? या, दोगूय भायर सरले आनी घोड्याचे कार्र करून सां. रॉश पार्रोतीचे सिमित्री कडेन पावले. सिमित्रींत भितर सरतुकूच लुसियान मात्सो गोंधळ्ळो. इंतेरोगेशनांत ताचे आबे फारियाचेर जाल्ल्या अन्याया विशींचे विचार घोळटाले. ताका गरिबांतलो गरिब म्हूण लेखला म्हूण तकली तापिल्ली. मनाचे ते अवश्छेंत तांणी सिमेत्री सारकी पळोवंकूच नाशिल्ली. फोण सोदपाक तो चारूय कोनशे भोंवलो. एकाय कोनशाक जमीन व्हडलीशी निवळ नाशिल्ली. चारूय कोनशांत गुणे, शेंकरे पडिल्ले थंय तो जमीन पळयत गेलो आनी भुसभुशीत मातये वयल्यान ताणें फोण सोदून काडलें. जोकीक ताणें म्हणलें हो तो फोण, जोकी फुडे सरलो. त्या पुरिल्ल्या फोणा कडेन वचून तो फोण पळयत रावलो. भितर न्हिदिल्ल्या पाद्री झुजेक पळयिल्ल्या सारकें आनी सट्ट करून ताणें दिमी मारली. दोनूय हात एकठांय करून पोसो केलो आनी त्या वतांत मळबा वशीन पळयत मागलें, सायबा जे चुकल्यात तांचे गुन्याव भोगोस आनी सासणाच्या न्हिदेंत गेल्ल्या ह्या म्हज्या इश्टाच्या आत्म्याक शांती दी.

अन्वेशा सिंगबाळ : केदी व्हडली शोकांतीका ही उदयबाब म्हणल्यार जें आमी आयकतात की शणै गोंयबाब जेन्ना भायर पडिल्ले तेन्नाय तांच्या मरणाक हाताच्या बोटार मेजपा सारके लोक आशिल्ले.

उदय भेंब्रे : आठ-णव लोक आशिल्ले.

अन्वेशा सिंगबाळ : आनी तीच गत म्हणजे व्हड मनीस आमकां गेल्ल्या उपरांत तांचे काम कळटा आनी तें केदें व्हड तें कळटा. उदयबाब खूब खूब बरें करूं, तुमी आयज तुमच्या नव्या कादंबरी विशीं आमच्या कडेन उलयले आनी जितलीं इतिहासाचीं पानां तुमी आयज मेरेन चाळ्ळ्यात ताचेय परस चड आमकां तुमच्या साहित्यांतली पानां चाळपाक मेळूं इतलेंच हांव ह्या वेळार मागन. आमच्या सगळ्या आयकुप्यांक परत एक फावट देव बरें करूं म्हणटा. ह्या एपिसोडांत तुमी आमकां जोडले आनी रुड्य ऍण्ड बुक्स पलाश अग्नी स्टुडियोज हांणी हाडिल्लया पेज टर्नर ह्या कार्यावळींत हाचे मुखारूय तुमी आमकां जोडटले आनी आमच्या ह्या कार्यावळीक उपाट प्रतिसाद दितले अशी आस्त बाळगीतां. आमच्यो पॅजीस, आमच्यो सोशल मिडिया हँडल्स फॉलो करा अशें परत तुमचे कडेन मागतां. हें पुस्तक जंय उपलब्ध आसा ताची म्हयती तुमकां स्क्रीनीचेर दिसता, मुजरत 'कातर रे भाजी' विकती घेयात, वाचात आनी ताची प्रतिक्रिया उदयबाबा मेरेन मुजरत पावयात. तुमकां सगळ्यांक परत एक फावट देव बरें करूं.

उदय भेंब्रे : अन्वेशा, तुंवें उक्तायल्या ती इत्सा फळाक येवं अशें मागतां आनी तुकांय देव बरें करूं म्हणटां.

अन्वेशा सिंगबाळ : देव बरें करूं!

❑

(पुराय मुलाखत पळोवंक https://www.youtube.com/watch?v=iOxpI2vOBzY&t=724s ह्या लिंकाचेर क्लिक करात.)

भोवजनीय नदरेंतल्यान पुंडलीक नायक आनी एन. शिवदास हांच्या कथांचो तुळात्मक अभ्यास

कृपाली नायक



सारांश

कोंकणी कथेचो विचार जाता तेन्ना शणै गोंयबाब, चंद्रकांत केणी, दामोदर मावजो, गोकुळदास प्रभू, महाबळेश्वर सैल, एडव्हीन जे एफ डिसैजा, हेमा नायक, मिना काकोडकार, माया खरंगटे आदी लेखकां वांगडा पुंडलीक नायक आनी एन. शिवदास हांचोय कथाकार म्हण उल्लेख जाता. ह्या दोनय लेखकांनी चड करून अंत्रूज म्हाल आपल्या कथांतल्यान चित्रायिल्लो दिसता. तांच्यो कथा ह्यो स्वतंत्रेत्तर काळांतल्यो आशिल्ल्यान आनी दोनय लेखक भोवजन समाजांतले आशिल्ल्यान भोवजन मध्यम वर्ग आनी भोवजन निम्न वर्ग हांच्या जिविता कडेन संबंदीत समाज, भोवजनांचो जिविता कडलो संघर्श हो तांच्या कथांचो मुखेल गाभो म्हणूं येता. हे दोनय लेखक समकालीन आनी भोवजन समाजाचे घटक जाल्ल्यान दोगांय कडेन ह्या समाजाची मानसिकता, हो समाज, ह्या समाजांतली स्त्री ह्या सगळ्यां कडेन पळोवपाचो आपलो सो एक दृश्टीकोन आसा. ह्या निक्षांक धरून हो समाज दोनय लेखकांनी कशे तरेन चित्रायला ह्या समाजाच्यो वेगळ्यो वेगळ्यो विवंचना सूख-दुखवां माडपाक हे दोनय लेखक कशे तरेन सार्थकतायेक पावल्यात हाचेर तुळात्मक नदरेन उजवाड घालपाचो यत्न ह्या अभ्यासांत केला.

सारगर्भ उतरां

भोवजन समाज, तुळा, कथा, समकालिनता

समाज आनी साहित्याचो खूब लागीचो संबंद आसा. समाजांत घडपी घडणुको म्हणल्यारच साहित्यीकाचे आसपासचें वातावरण, रिती-रिवाज, परंपरा, मानसिकता हांचेर साहित्यकार साहित्यांत गांभीर्यान विचार करता. हाकाच लागून साहित्य हो समाजाचो हारसो अशेंय मानतात.

आज समाजांत पळयत जाल्यार आमकां जाती वेवस्था, आतंकवाद, भूमंडळीकरण, शोशण, स्त्री शोशण सारके विशय मुखेलपणान दिसतात. जाका लागून समाजाक भंयकर प्रस्नाक तोंड दिवचें पडटा. ह्या सगळ्या विश्यांक भिडटना साहित्य खूब मोलाचें थारता. साहित्य फकत तत्कालीन नासतना तें कालजिवी आसता. समाजशासत्रीय, इतिहासीक अभ्यासाकांक जसो लोकवेद हो दस्तावेज जाता तेच परी साहित्य हो एक दस्तावेज जावं येता.

साहित्यांतलो समाज नियाळटना ताका वेगळ्या वेगळ्या धरातराचेर नियाळल्यार तातूंत दिसपी भेद हे सुक्क्षम रित्या पळोवप सोंपें जातले. पुंडलिक नायक आनी एन. शिवदास हांच्यो कथा पळयतना तांणी हाताळिल्ले विशय हे भौसा कडेन लागींचे आशिल्ल्यान त्या कथांक भोवजन ही संकल्पना लायल्यार ती तुळा चड वेवस्थीत जातली अशें अभ्यासकाक दिसता.

भारताची लोकसंख्या पळयत जाल्यार सुमार 80% लोक भोवजन समाजाचें प्रतिनिधित्व करतात. हांगा भोवजन हे संकल्पनेचो विचार करतना भौसंख्य वंचीत हे नदरेंतल्यान करचो पडटलो. ह्या समाजाचो जर अंतरसोद घेतलो जाल्यार ह्या समाजांत आसपी सम-विशमता दिश्टी पडटा. हो समाज दोन पांवड्याचेर जगता. एक त्याच समाजा मदलो अंतरीक संघर्श, विवंचना आनी कलह घेवन जाल्यार दुसरो शोशीत वर्गाचो प्रतिनिधि जावन. हे दोनय लेखक ह्या समाजाचे भाग. त्या लेखकांच्या साहित्याचेर खोलायेन अभ्यास जातलो जाल्यार हे विचारधारेचो आस्पाव करून घेवप गरजेचें थारता. ही विचारधारा साहित्याक उपेक्षिताचे नदरेंतल्यान तपासता.

दोन वस्तूं मदलें साम्य आनी भेद सोदप म्हणल्यार तुळा करप. तशेंच दोन वा दोन परस चड साहित्यकृतींची तुळा करप म्हणल्यार तुळात्मक अध्ययन करप. जाका इंग्लिश भाशेंत कंपेरिटीव्ह लिट्रेचर अशें म्हणलां. तुळात्मक अध्ययना संदर्भांत डॉ. रवीनद्रकुमार शर्मा जैन म्हणटात, ''एक नदी की दो धाराएं जो कालांतर मे पर्याप्त दूर एवं भिन्न हो गयी है. उनके भेद कारणों का विशलेषण कर उनकी मूलभूत एकता स्थापीत करना'' (पान 16 मार्कणडेय). तांची ही व्याख्या नायक आनी शिवदास हांचो तुळात्मक अभ्यास करतना भोव म्हत्वाची दिसता.

भारतीय परिप्रेक्षांतल्यान गोंयां कडेन पळयल्यार गोंय हें सुधारीत राज्य. हांगाची संस्कृताय आनी विचारसरणी हेर भारता परस वेगळी. पाश्चात्य संसकृतीचो ह्या वाठाराचेर भरपुर प्रभाव आसा अशें मानतात. जाका लागून हांगाची संस्कृती हेर भारता परस भिन्न अशें मानतात. जेन्ना आमी नायक आनी शिवदास हांच्या साहित्याक पळयतात तेन्ना हे दोनय लेखक गोंय ह्या प्रादेशीक वाठाराक आपल्या साहित्याचो केंद्र बिंदू दवरतात. आनी हांगचो भोवजन समाज कसो हाची मानसिकता धरून आपल्या कथांतल्यान तांचें चित्रण करतात. ह्या तुळात्मक अध्ययना खातीर अभ्यासकान नायक हाची मुठय (1977), अर्दूक (1989) आनी शिवदास हाची गळसरी (1981, 2016 दुसरी आवृत्ती), भांग्रसाळ (2003) हे कथा संग्रह घेतल्यात.

नायक आनी शिवदास ह्या दोनय लेखकांनी गोंय मुक्ती पयलीचो काळ आनी गोंय मुक्ती उपरांतचो काळ आपल्या भुरगेपणांत पळयला. त्या काळच्यो सहवेदना तांणी हेरां कडल्यान जाणनू घेतल्यात. तेच खातीर तांच्या साहित्यांत समाजीक चेतना, विश्व दृश्टी, ग्रामीण जीवनाच्यो संवेदना आनी संघर्श प्रखरपणान जाणवता.

ह्या लेखकांचीं पात्रां भास, घडणुको ह्यो ह्या समाजा कडेन एकरुप जाल्ल्यो मेळटात. ह्या समाजाचें मूळसत्व हे लेखक मांडटात.

गोंयच्या समाजवेवस्थे कडेन आनी भोवजनाकडेन निगडीत कृशी संसकृतायेचे घटक तांच्या कथांनी अभिव्यक्त जातात. तांच्या कथांनी शेत, कुळागर, शेतकार, झाडां-पेडां, शोशक- शोशीत हांचो अस्पाव जाल्लो दिसता. हातूंतलेच शेती संसकृताये कडलें एक म्हत्वाचें प्रतीक म्हणल्यार बैल. शेता-भाटाचो मालक जरी वयलो समाज आसलो तरी प्रत्यक्शांत कश्टाचो वावर करपी सदांच भौस आसता. बैला बगर शेत जायना. बैल हें सामर्थ्याचें प्रतीक, बैल हें सधनतेचें प्रतीक देखून दोनूय लेखकांच्या साहित्यांत बैल येतात. बैलाचो जिविता कडलो संदर्भ घेवन हे लेखक बरयतात. बैल भौस विकूंक शकना. विकल्यार तो कर्म दळीद्री जाता. हाचें प्रतीक आमकां नायक हांचे खाटीक हे कथेंतल्यान दिसता. कुश्टा हो गरीब दुबळो शेतकार, जाचो पूत पूतू. बायल पूत ल्हान आसतनाच भायर पडल्या, शिरबो आनी पोवळो हे ताच्या जिविताचे सांगाती. ताचे खातीर ताचें सर्वस्व. ह्या बैलांक लागून तो ल्हान भुरग्या कडेनय लक्ष दिना. भुरगो आंगा पांगान वाडटा हें जेन्ना लक्शांत येता तेन्ना ताचे कडेन कसलेंच भांडवल नासता. तेन्ना नाईलाज जावन तो बैलांक विकता आनी पुताचें लग्न करता. सून आनी मांवांचें पटना. ज्या बैलांक विकिल्ल्यान सून घरांत आयिल्ली, तिच सून कुश्टाक खाटीक म्हणल्यार बैलाक मारपी म्हणटा. ज्या बैलाक पोसलो तो खाटकाक मारपाक विकप हें बऱ्याचें लक्शण न्हय, जाल्यार ताचो ह्या समाजाच्या मानसाचेरय परिणाम जाता. ते सुनेक तें लागिल्लें आसा, देखून तिका मांव क्रूरक्रमी दिसता. आनी ती ताका घरांतल्यान काडून वडयता. जाल्यार शिवदासाल्या रानबैल हे कथेंत ज्या गायगेर पाडो जातलो ही अपेक्षा दवरून कुश्टा दीस रात तिची सेवा करता. थंय एका घाळ खिणाक गाय रानांत व्हिता. पूण पाडो हाडना. कुश्टा सैरभैर जाता. ताका पुराय रानांत सोदता पूण तो मेळना. वर्सान जेन्ना तो मेळटा तेन्ना ताका धरपाक कुश्टा भाना विरयत जावन वता, तेन्ना तो रानांत मातिल्लो बैल ताच्या मरणाक कारण थारता. ह्या दोनय कथांतल्यान बैलां कडेन आशिल्लें भौसाचें भावनीक नातें स्पश्ट जाता.

भाटकार-मुंडकार हें नातें मुखेलपणान जाती वेवस्थेचेर आधारीत आसा. ह्या नात्याक लागून भोवजन समाजाचें शोशण जाता. भाटकार चडशे उच्चवर्गीय आसतात. जे मुंडकाराचें शोशण करतात. हेच तरेचें चित्रण आमकां जैत आनी भाटकार कथेंत दिसता. शेतां भाटांत कसपी मुंडकार आसता, पूण आयिल्लें फळ ताका मेळना. गुरवारपणांत जानूचे बायलेक हरवीं केळीं खायन दिसतात ताका लागून भाटांतल्यान केळीं हाडून खाल्ले खातीर भाटकारा कडल्यान पडिल्लो मार. त्या मारा उपरांत विजय आनी ताच्या सांगात्यांनी गांवांत केल्ली जनजागृकताय आनी ते उपरांत गरजेक येवन गांव जंय कामाक वचपाक मनाय करता त्याच भाटकारागेर जानून गरजेक केल्लें कामी आनी तेच खातीर परत खवळून आयिल्लो गांव आनी जानूचें गांवा कडल्यान जाल्लें मरण. हातूंत विजयाचीं संदीसादूपणा दिसली तरी प्रकर्शान भाटकार मुंडकार संघर्श दिसता पूण हांगा लेखक भौसांतल्याच जानूचें मरण दाखयता. आनी

ह्या संघर्शाक तोंड दिवपाचें प्रतिकात्मक जैत दाखयता. जाल्यार शिवदासाचे भाटकार कथेंत रामा गावडेचो पूत रमेश आपणाक घर बांदूक दिना आनी आनी आपले पारे मोडून घालता तेन्ना भाटकाराचोच खून करता. पूण हांगा तो खून सगळे कुळवाडी आपल्या आंगार घेतात ''आमी सगळ्या गांवकारानी भाटकाराक जितो मारला. आमी खुनी... आमी खुनी...गांव खुनी... न्हय रमेश...''(गळसरी 73). ह्या दोनूय कथां भितर जर पळयत जाल्यार भाटकाराचो खून हें शिवदासाचें प्रतीक आमकां भोवजन विद्रोह दाखयतना दिसता.

मनशाक भूक ही खूब म्हत्वाची. हे भुकेचो जर विचार करत जाल्यार तीन तरांनी करूं येता. तातूंत शारिरीक भूक, मानसिक भूक आनी पोटाची भूक ह्यो तीन मुखेल भुको म्हण पळोवंक येतात. ह्या तीनय भुकांक लेखक आपल्या कथांनी घोळयतना दिसतात. तातूंतली पयलीच भूक म्हणजे शरीराची भूक. हे भुकेंत मनीस मनिसपणाचें नातें विसरुंक शकता. ताका आपले हे भुके मुखार कोणच दिसना. नायक हाच्यो उच्चाबळ, बळजबरी ह्यो कथा हे भुकेचें वास्तव दाखयतात जाल्यार शिवदास हाची मीराचो भावोजी आनी राज्योगी, ह्यो दोनय कथा ह्या संदर्भांतल्यान आपल्यो भुमिका मांडटात. उच्चाबळ हे कथेंत प्रकाश कुळागरांत इंदू आनी अंजनी ह्या दोनय कामेच्यांक पळोवन आपल्या शारिरीक भावनांचेर ताबो दवरूंक शकना. हाका लागून तो आपले भयणिचेरूच हात घालता. म्हणजेच शोशकाक जेन्ना शोशीत वर्गाचेर आपलो हक्क दाखोवंक मेळना तेन्ना तो भारतीय संस्कृतींत दिल्ले नातें संबंदय विसरता. जाल्यार मीराचो भावोजी हे कथेंत शिवदास मीरा आनी ताच्या भावोजी मदले संबंद दाखोवन तेंय नाते संबंद कशे विसरतात ते दाखोवन दिता. जाल्यार बळजबरी हे कथेंत, गाढव गायचे फाटल्यान लागता तेन्ना प्रत्यक्षांत कांय घडू नासतनाय पुराय गांवसभा जाता. हे सभेंत शोशक म्हणजेच दादी सगळ्यां मुखार आपूण सत्याचो, दयेचो न्यातो जावन न्याय दिवपी जाता. पूण रातीच्या काळखांत गरीब, दुर्बळतेचें आनी शोशितांचें प्रतीक आशिल्ल्या जनीक आपली मलमत्ता आशिल्ले वरी भोगता. जाल्यार राज्योगी हे कथेंत ढोंगीपणा करपी स्वामी सगळ्या हुजरां देव धर्म करपी जाता. सगळ्यांक पावपी जाता. इतलें की ताका कोणेंय तो भोगी, जावं सूख भोगी म्हण सागिल्लें जाल्यार कोण विश्वासय दवरचो नाशिल्लो. पवित्र धर्मकार्याच्या नांवा खाला कमल जे ताचे नदरेंत पडटा ताचे कडल्यान ही भूक भागयता. ह्या दोनय कथांनी आमकां शोशक आनी शोशीत दिसतात. दोगय पुरूश प्रधान संसकृतायेचे प्रतीक जावन मुखार येतात. दोगांय कडेन समाजांतल्यो मानाच्यो सुवाती आसात. आनी ह्यो स्त्री पळयत जाल्यार त्यो भोवजन समाजाचें प्रतिनिधित्व करतात.

दुसरी भूक येता ती मानसिक भूक. दोनय लेखक मनशा मनशा मदली मानसिक भूक दाखोवंक यशस्वी थारल्यात अशेंच म्हणचें पडटलें. नायक हांची 'वळखफ्ही कथा हे मानसिक भुकेची एक बरी देख म्हण पळोवंक येता. 'काजुलोफ्हो बस ड्रायव्हर लेखकागेर जेवणाक येता. लेखक ताचो इश्ट जाता. ह्या इश्टागतींचें जेन्ना भावनीक नात्यांत रुपांतर जाता तेन्नाच ताच्या घरांत काजुलो म्हार म्हण कळटा. भारतीय जाती वेवस्था इतली खर आसा, ती फकत ब्राह्मण, क्षत्रीय, वैश्य, शुद्र ह्या पुरतीच मर्यादित ना, जाल्यार शुद्रां शुद्रां मदी आनी शुद्र अती शुद्रां मदींय हो भेद खूब प्रखर प्रमाणांत दिश्टी पडटा. देखूनच काजुलो म्हार म्हण जेन्ना घरांत कळटा तेन्ना ताका वाडटना आदीं आसपी स्टीलच्या चकचकीत ताटा सुवातेर पत्रावळीचें पान येता. हें पान म्हणल्यार फकत थंय घेतिल्ली सुवात न्हय, तर लेखक आनी काजुलो हांची मानसिक पातळेचेर तयार जाल्ल्या नात्या मदलें अंतर अशें म्हणू येता. हाचो लेखकाचेर

इतलो परिणाम जाल्लो दिसता. तो चौकांत धावन येवन हातुरणार पडून हुडक्या हुडक्यानी रडटा आनी म्हणटा ''काजुल्या, काजुल्या तूं म्हार कित्याक जालो रे...?'' (मुठय पान- 8)'' हें वाक्य एकाच वांगडा भारतीय जात वेवस्थेचें दर्शन घडयतनाच काजुलो आनी लेखकाचें मानसिक नातें कितलें घट्ट आशिल्लें ताचो दिश्टावो घडयता. जाल्यार शिवदासाची 'माय फस्ट अँडड लास्ट क्लायंटफ्ही कथा घर संवसार ह्या भावनेक मुकिल्लो क्लायंट काज्मिरो मोंतेराकडेन पावता आनी सांगता ''/यू नो आय वॉन्ट ए हॉलिडे होम अँड ए फॅमिली - केर टेकर फॅमिली'' (माय फस्ट अँड लास्ट क्लायंट पान- 139) म्हणत ते मानसिक सूख सोदपाचो यत्न करता. कारण ताचे कडेन पयसो आसा आनी ताणें विकत घेव येता तें दर एक सूख ताणें घेतलां. तो भोंवडेकारा वरी भोंवला, स्त्री सूख जाय तशें घेतलां पूण ताका हातूंत मानसिक सूख खंयच मेळना. एक आदार दिवपी, मनाक विसव दिवपी फामील ताका मेळना पूण जेन्ना मोंतेर ताका आपूण एक आत्मविश्वास दिता आनी ताका आपूण ताचो भुरगो म्हण भावनेचो स्पर्श दिता तेन्ना तो ''आय एम नॉट युवर क्लायंट : यू आर.. माय...'' (पान 141) म्हणटा. हीं उतरां ताची मानसिक भूक भागिल्ल्याची देख आसात. एक लेखक दुखांत करून कथेचो शेवट करता जाल्यार दुसरो लेखक सुखात्मीकेन कथेचो शेवट करतना दिसता.

हातूंत तिसरी भूक येता ती पोटाची भूक. वेंतभर पोटाची खळगी भरचे खातीर मनीस खंयच्याय थरार वचूक शकता. आनी तीच भूक जर जबाबदारी पेलपाची आसत तर तातूंत आनीकय खरताय दिसता. गरीबी, बेकारी हीं हे भुकेचीं मूळ कारणां आसतात. हे भुकेक चडशे फावटी बळी पडटा तो भोवजन समाज. हेच प्रतिकात्मकतेंतल्यान आयल्ल्यो कथा म्हणल्यार नायकाच्यो खळ आनी कासय ह्यो कथा. खळ हे कथेंत दुगेबाबल्या शेतांत मळणी चलता. घरांत उपाशी आशिल्ल्या भुरग्यांक पोटाक मेळटलें आनी खंयच काम नासून पांगो खळार येता. थंय तो दीसभर काम करता, पूण खळ करूंक ना म्हण ताका दिसवडो दिना. तो जेन्ना खोंपीत पावता तेन्ना भुरगीं पोट जमनीक लावन न्हिदिल्लीं आसतात. तें पळोवन तो खळा वयल्यान एक पोती घेवन येता आनी जेवण करून भुरग्यांक वाडटा. पूण दुसरे दिसा जेन्ना खळ जाता तेन्ना ताच्या मानसिक परिणामांतल्यान तो पिसो जाता. जाल्यार कासय कथेंत आयिल्ल्या खार्वी समाजाचे मान्यताये प्रमाणें हो समाज केन्नाच कासय खायना जावं विकना. कासय हें बरकत दिवपी प्रतीक आसा. ती खावप, जावं विकप म्हणल्यार दळदीर घरांत येवप. अश्या वेळार वासूच्या घरांत अठरा विश्व दळिद्र आसुनय आनी घरांत बायल भुरगीं उपाशीं आसुनय तो मेळिल्ली कासय चिरप्याक विकना. तिका घरा हाडटा तिची पुजा करता. पूण तिन्सांज जाता तेन्ना सकाळ धर्‍यां चुलींत पेटुंक नाशिल्लो उजो ताका आपल्या दळिद्रपणाची जाणीव करून दिता आनी हाकाच लागून मोन्यानी तो कासय व्हरून चिरप्या म्हर्‍यांत उडयता आनी आपलो हात मुखार करता. जाल्यार शिवदासाली भूंयकाप कथा परत गरीबी आनी भूक हाचेर उजवाड घालता. बाबलो जो कितलेशेच दीस काम नासतना उपाशी आसा. सूर्‍या सार्केल्या मनशा कडल्यान ताणें रीण घेतलां. अश्या वेळार ताचे कडेन रामराय गांवकाराच्या मरणाची खबर घेवन सूर्‍या येता आनी मरणाचो विधी करपाक बाबलो वता. थंय मेळिल्लो पयसो घेवन तो भूक शमोवपाची सपनां पळयत कोणाक कांयच वांटो दिनासतना थंयच्यान कूस मारता. पूण वाटेर ताका मारून ताचो पयसो सूर्‍या लुट्टा आनी परत ताका भुकेच्या खरतायेची जाणीव करून दिता. ह्यो तिनय कथा ह्या भुकेची तिवरताय दाखयतात. देव देवस्की, मान्यतायो एके वटेन आनी भूक एके वटेन तागडेंत घालत जाल्यार भुकेचेंच दालें चड जड आसतलें.

हाची जाण करून दिवपी ह्यो कथा थारतात. मनीस ह्या प्राण्याक जर शारिरीक भूक लागत जाल्यार ताच्या मुखार उरता ती नर जावं मादी, जर ताका मानसिक भूक लागत, तर तो हतबल जावं येता आनी वेंतभर खळगेचो जर प्रस्न आसत जाल्यार तो लाचार जावं येता हें वयल्या कथांतल्यान दिसता.

संवसार श्रद्धेचेर चलता पूण तेच श्रद्धेक जेन्ना दोळे धांपून पळोवप जाता तेन्ना अचळय ती समाजाक मारक थारुंक लागता. गोंयांतय अंधविस्वास दिसतात देखून दोनय लेखक आपल्या कथांतल्यान अधंश्रद्धेचेर उजवाड घालतात. 'म्हज्या जल्माची गजाल' ही कथा अश्याच अंधविस्वासाचेर आसा. तीन दोळे घेवन जल्मक आयिल्लो भुरगो शंकराचो अवतार मानतात हो प्रचार ताची स्वताची आवयच करता. आनी गांवांतले तशेंच पयस पयसुल्ले लोक ताच्या दर्शनाक येतात. इतलेंच न्हय जाल्यार ताका तपासपाक आयिल्लो दोतोर जाणें विज्ञाननिश्ठ नदर दवरूंक जाय, जाका खबर आसा तो भुरगो जगचो ना म्हण, तोय श्रद्धेन पयशे दवरता. जाल्यार त्या भुरग्याचो बापूय जेन्ना त्या भुरग्याचो रंग पळयता तेन्ना मीण करून हो देव जाला तुगेर अशें म्हणटा. नर आनी मादी संबंदातल्यान भुरगें जल्माक येता हें वैश्वीक सत आनी विज्ञान. खंयचोच बाबा हो सृश्टी नेम बदलूक शकना. पूण भुरगें जावपाची ओड बायलेक खंयच्याय थरार व्हरपाक शकता. शिवदासाचे 'मध्यान राती एक दिव्य पुरूश' हे कथेंत परत ढोंगी बाबाचे भकीक पडून अंधविस्वासांतल्यान बाबाचे शारिरीक भुकेचें बळी पडिल्लें रत्ने दाखयलां.

भारतीय समाज रचना बायलेक आपले काम वासने विशीं उक्तेपणान उलोवंक दिना. तिणें समाजांत रावतना मर्यादशील रावचें. घोव कसोय आसल्यार ताचे सांगाता रावचें ह्यो समाजाच्यो भावना. दोनय लेखक बायल मनशेच्यो Sexual desire मांडटना दिसतात. 'एक माड हुमोटतना' ह्या शिवदासाच्या कथेंतलें साल्सांव आपल्याक भाटकाराचो चेडो ताका जेन्ना आपूण लायक करता म्हण सांगता तेन्ना आपल्यो शारिरीक भावना उक्तेपणी व्यक्त करतना दिसता. जाल्यार 'पाज्जा' कथेंतली विठाबाय जिचो घोव तिका भुरगीं सोडून काय दिना ते भायर तिका काम करून पोसपाक लायता ती सदिका बरोबर पळून वता. तशेंच 'माड' कथेंतले साळू मिनाखाणीर रेस्पेदान रावता. पूण रातची ड्रायव्हराक आपली कूड स्वखोशयेन दिताना दिसता. हांतुतल्यान भोवजन स्त्री ही चड धिटायेची आसा हें दिसताच; तेच वांगडा आपल्या Sexual desire विशी उक्तेपण दाखयतना दिसता.

भोवजन समाजांतली स्त्री ही उपेक्षीत स्त्री मदीं आनी एका पांवड्यार उपेक्षीत जाता, ती म्हळ्यार उच्च वर्गा कडल्यान तिचें जावपी शोशणां मदीं मोन्या माऱ्यान – नली, आडवण कथेंतलें शालू ही पात्रां जांचें शोशीत वर्गा कडल्यान शोशण जाता हीं पात्रां कोणाच्या तरी घरांतल्यो वावराड्यो. तांच्या वावराक मोल ना. देख घेवचीच जाल्यार 'अंत एके जिणेचो' कथेंतलें नली भाटकारागेर दिसरात काम करपी. नलिचें जेन्ना लग्न थारता तेन्ना भाटकान्नीन कितें घाला ह्या प्रस्नाक दोन पवनांची सरपळी–आकान जाप दिली. आनी कितें? हांवें मात्सो आवाज वयर काडीत विचारलें. एक दोड, दोन तीन कापडां आनी दोन चार बारीक आयदनां – आकान सांगलें. म्हणजे आवय धूव दोगांय जाणां त्या घरांत इतलीं वर्सां वावुरतालीं ताचें फळ इतलेंच (पान 95 गळसरी). हें शोशण उच्च वर्गाकडल्यान जावपी शोशण. हे भायर घोवाकडल्यान न्हय न्हय तें आयकुवपी अर्दुकांतली उर्मिला, दादी कडल्यान अत्याचार सोंसपी जनी, यादू लग्न जातलो हे आशेर रावन ताका शारिरीक सूख दिवपी 'भोळें' कथेंतलें भोळें, जाचें यादून केल्लें शारिरीक शोशण, 'काणी एका माजराची' हे कथेंत आपल्या माना खातीर पुरूशप्रधान

सत्तेचें प्रतीक जावन आवयपण दिना आसतना आपल्याच भावजयेचें रघून केल्लें शोशण, हें स्त्री उपेक्षीतां मदींय उपेक्षीत उरता हें ठळकपणान दाखवता.

हे भायर दोनय लेखक आपल्या साहित्यांत शिक्षण हो मुखेलपणान मुद्दो घेतात. दोनय पुस्तकांचो उजवाडणेचो काळ पळयत जाल्यार गोंय स्वतंत्र जावन थोडोसो काळ लोटला. गोंयांत भाउसायब बांदोडकर हांणी गांवांगांवांत शाळा पावोवचे खातीर सरकारी पांवड्यार यत्न केल्यात आनी गांवांगांवानी सरकारी मराठी शाळा सुरू जाल्यात, ताचो संदर्भ ह्या दोनय लेखकांच्या साहित्यांत दिसता. फकत शिक्षण न्हय जाल्यार ते उपरांत जाल्ले भोवजन शिक्षकय आमकां शिवदासाचे कथांनी दिसतात.

मोग ही भावना आनी तांतूंतल्यान आयिल्लो विरह दोनय कथाकरांनी आपल्या कथांनी मांडला. खलाशी, 'आडवणफ'अर्दूक', 'आल्तड पल्तड', 'हांव हरलो हांव जिकलो' ह्या कथांनी तो दिसता. शिवदास आपल्या 'काळखांतलो गांवफ्हातूंत वेश्या वेवसाय 'मेघा' कथेंत स्किझोफ्रेनिया दुर्येंस, 'आल्तडचो बापूय पल्तडची धूव' हातूंत गोंयचो पोर्तुगीज काळ, 'जैताची एक खेळी' हातूंत क्रिकेट अशे विविधताय घेवन येवपी विशय मांडटा. जाल्यार 'महारूद्र' सारकी कथा गोंयांत कितल्याश्याच काळा सावन चलत आयिल्ल्या आनी गोंयचे वास्तवतेकडेन निगडीत आशिल्ल्या देवळां कोणाचीं? भौसाचीं काय ब्रह्मणांची? ह्या प्रस्नाचेर बोट दवरता. नायक भाग्योदय सारके कथेंतल्यान राजकी विश्मताय दाखयता. तांतूतल्यान समाजांत चलिल्लो भ्रश्टाचार उजवाडायता. 'बाजार' सारके कथेंतल्यान कथेचें फॉर्म बदलून कथा हाडटा. जातीवेवस्थे कडेन आदारीत कथा जश्यो 'वळख' 'कासय,' हीय विशेशताय घेवन येता.

निश्कर्श

- नायक आनी शिवदास दोनय लेखकांनी भोवजन समाजाकडेन समरस जावन साहित्य मांडलां. दोनय लेखकांच्या कथा आशयांत भोवजन समाज एक तर मध्यवर्ती आसता. ना जाल्यार शोशित वर्गाचें प्रतीक जावन येता.
- ह्या समाजाची प्रतीकां देखीक खोंप, बैल हीं कथांचीं प्रतिमा जावन येतात.
- गोंयच्या संसकृती कडेन, हांगाच्या मानसिकताये कडेन एकरुप जावन तांच्यो कथा समकालीन साहित्यांत येतात.
- स्त्री उपेक्षीतता, स्त्री शोशण, स्त्री कामभावना हांचेरय दोनय लेखकांनी बरयल्लें दिसता.
- पुंडलीक नायक हांचे दोनय संग्रह ग्राम जीवन घेवन निम्न वर्ग भौस चित्रायता जाल्यार शिवदासाच्या गळसरींत त ग्राम जीवनांतलो निम्न वर्गी भौस चित्रायता आनी भांग्रसाळ पुसतकांत ग्राम जीवना वांगडाच शारी मध्यम वर्ग चित्रायता, हाचे फाटलें कारण म्हणल्यार त्यो कथा लिखणेचो काळ अशें मानू येता. कारण भांग्रसाळ हें पुसतक 21 व्या शेंकड्यांत उजवाडा आयिल्लें आसा.

❑

आदारावळ

1. डॉ. मांद्रेकर, वृषाली. मार्कण्डेय एवं पुंडलीक नायक का कथा साहित्य. विद्या प्रकाशन. 2010.
2. लाड, विभा. हिंदी एवं मराठी महिला आत्मकथाकारों का तुलनात्मक अध्ययन. 2018 वर्सा गोंय

विद्यापिठाच्या हिंदी विभागांत सुपूर्त केल्लो पीएच डी थिसीस.
3. च्यारी, पुर्णानंद. पुंडलीक नायक आनी विजय तेंडुलकर हांच्या वेंचीक नाटकाचो तुलनात्मक अभ्यास. गोंय विद्यापिठाच्या कोंकणी विभागांत पिएचडी खातीर सादर केल्लो सोदवावर.
4. नायक, पुंडलीक. अर्दूक अपुरबाय प्रकाशन, गोंय 1989.
5. नायक, पुंडलीक. मूठय़. सेवा समिती प्रकाशन, गोंय. 1977.
6. एन. शिवदास. गळसरी. रुद्र प्रकाशन, गोंय. दुसरी आवृत्ती 2016.
7. एन. शिवदास. भांग्रसाळ. अस्मिताय प्रतिष्ठान, गोंय. 2003.



भांगरांतलें फुल : एके धुवेचें दायज आनी शेणिल्ली अलंकारांची भास

व्हिक्टर ह्यूगो गोम्स

म्हज्या प्रवासांतले कांय अर्थपूर्ण सोद उत्खनन वा संशोधनांतल्यान न्हय, तर काळजांत यादी सांबाळून दवरपी लोकांच्या विस्वासांतल्यान आयल्यात. जायते फावटीं, आदल्या काळाक परत जिवीत करपी हे लोकुच आसतात – वस्तू न्हय.

अशीच एक भेट प्रिया वरवीं जाली. तिणें एक फावट म्हाका एक परंपरीक उसाचो घाणो हाडून दिल्लो आनी अशें करतना विरून वचपी गोंयची परंपरा तिगोवन दवरपाचे, वांटून घेतिल्ले आमचे आवडीक लागून वर्सां उपरांत आमी परत एकठांय आयलीं – हे खेपे मडगांव. तिणें आपल्या वांगडा हाडील्ली वस्तू 'गोंय चित्रां'तली एक मोलादीक जोड जाली.

स्मृती आनी धातूची एक पोटली:

फिकट कपड्याचे पोटलेंत गुठलायल्ले तिच्या बापायन पिळग्यांनी पिळग्यो सांबाळून दवरिल्ले भांगराच्यो वस्ती करपाचे पोरन्या शेट कामाचे निमाणे अवशेश आशिल्ले. गोंयकार पूर्वजांनी वस्ती तयार करपाक वापरिल्ल्या पारंपारीक साधनांचो आनी हातान कोरांतिल्ल्या साच्यांचो पुराय संच. म्हाका काणी सांगतना तिचो आवाज थरथरतालो. ल्हान पिरायेचेर आवय–बापूय भायर पडल्या उपरांत प्रियान आपल्या धाकल्या भावाचो सांबाळ करपा खातीर शाळा सोडिल्ली. ती पार्ट टायम मालिश करपी आनी

मडगांवच्या हॉस्पिटलांत नर्स म्हूण काम करताली. ह्यो वस्तू केन्ना तरी तांच्या अर्थाक मोल दिवपी हातांमेरेन पावतल्यो अशी आस्त बाळगून तिणें अनेक वर्सां त्यो जतनायेन सांबाळिल्ल्यो.

शेटीची भास :

ते पोटले भितर आयज थोड्याच वळखूंक येवपी साधनां आशिल्लीं पूण दर एक परंपरीक शेट तांचेर एका तेंपार आदारून आशिल्लो: घटमूट पाट, ज्वाला नियंत्रीत करपाखातीर वापरिल्ली फुंकणी आनी कोळशाच्या उज्याचेर मोलादीक धातू वितळटाले तें आयदन, तन्नी वा सरखी पाचारतात ती भट्टी, तयार तारांचे पातळ तंतू तयार ओडपाखातीर वापरपाची बुराक आशिल्ली रेखांकन प्लेट, सांगी वा चिमटी, तांनी, घासणी, कांटो आनी दल वा सांचे, जे डिझायन काडपाक वापरताले. दरेक साधन बरोच काळ वापरिल्लें – अजूनय यादी प्रतिध्वनीत करतालें.

भांगरांत कोरांतिल्लो सैम :

थळाव्या गोंयच्या फुलांचे नाजूक, हातान कोरांतिल्ले छाप– मोगरीं, शेवतीं, रोजां, साळकां, गुलाब – दरेक फुल वेगवेगळें आनी एकठांय गुंथिल्लें लेगीत. चाफ्यांची आटी, हेर फुलांची आटी सारके भांगराचे नकसूद अलंकार. हीं फकत सजावटीचीं प्रतीकां न्हय; अस्तुऱ्यांचे केंस, कान आनी कपल सोबीत करपी दागिन्यांत रुपांतरीत जाल्लीं तीं सैमाक ओंपिल्लीं ल्हान ल्हान आर्गां. तेन्ना अलंकार हो जमनीचोच विस्तार आशिल्लो – दर एक कलाकृती गोंयच्या ऋतूचें, झाडापेडांचें, ताचे पवित्रतेचें जिवें पडबिंब.

तातूंतल्यान म्हाका एक सामकी पोरनी थळावी म्हण याद जाता, ''हाताचें काम हें देवाचें दान.''

बारीकसाणीन निर्माण केल्ले कले खातीर ही म्हण सामकी लागू जाता, जंय हातोड्याचो दरेक आघात आनी हातांची फिशालकाय एक दैवी डिझायन आनी पूर्वजांची सुक्ष्मताय दाखवयता.

एक धुवेचें अर्पण :

आपलो भाव कुटुंबीक दायज हातांत घेतलो, अशी प्रियाक आशा आशिल्ली पूण जिणेन ताका हेर कडेन व्हेलो. ''योग्य वेळार हीं सगळीं साधनां तुज्या हातांत पडलीं, अशें म्हाका दिसता'' तिणें म्हज्या हातांत पोटली दवरली. ''तुका कळटलें ताचें कितें करचें तें.'' तिणें प्रतिकात्मक ₹5,000 सोडून हेर कितेंच मागलें ना – खऱ्या मोला परस खूब उणें मोल.

आयज हीं साधनां गोवा चित्रांत सांबाळून दवरल्यांत – फकत एके पोरने कला परंपरेचीं साधनां म्हूण न्हय, तर एक मूक कथाकार म्हूण जी एके चलयेची शांत भक्ती, ना जावपी वंशाचें दायज आनी आमी एका तेंपार कोण आशिल्ले ताचे कडेन जोडपी नाजूक धाग्यांविशीं तीं उलयतात.

गोंयच्या सुवर्णकाराची संस्कृतीक अस्मिताय :

गोंयचे सोनार वा शेट – परंपरीक भांगराकार– फकत कारागीर न्हय तर विधी आनी संस्कृतीक अस्मितायेचे राखणदार आशिल्ले. तंत्रीक नदरेन जरी ब्राह्मण नासले तरी जायते जाण जानवें घालताले, गोत्र नेम पाळटाले आनी कांसरपालच्या कालिका सारक्या देवळांचे ते म्हाजन. तांणी 'शेट' ही पदवी

घेतली आनी आपली कला आध्यात्मिक सेवेच्या बरोबर दवरून स्वताक दैवज्ञ ब्राह्मण म्हणलें. तांचीं निर्मिती दिसपट्ट्या जिणेंत विणिल्लीं– चपलाहार आनी सरपळी सारके हार, नथ आनी चमकी सारक्यो नाकाच्यो वस्ती, केंसांचे अलंकार, कमरपट्टे आनी पांयजणां. दरेक अलंकार म्हळ्यार वेगवेगळे प्रसंग आनी यादी हांचे थर.

दागिने केन्नाच फकत सजावटीचे नाशिल्ले. ती बचत, समाजीक स्थिती आनी भावनीक दायज. तातूंत जल्म आनी लग्न हांचे चिन्न आसतालें, भुरग्यांची राखण जाताली आनी दुयेंस वा लुकसाणाच्या वेळार सुरक्षीतताय मेळटाली. बाळकांक लेगीत पांयांचेर ल्हान ल्हान पदकां आनी रुप्याचे पोड घालताले, तांचेर आशीर्वादाचीं चिन्नां कोरांतिल्लीं आसतात.

एक लुप्त जावपी कला :

प्रियान म्हजेकडेन सोंपयिल्ल्या साधनांचो आस्पाव मुळाव्या गजालीं परस चड आशिल्लो. हातोड आनी टिकलो हातोड सारकिले आकार दिवपी हातोडे, चिमटी, मेजपाचीं मापणी (कॅलिपर), पॉलिशींग चाकां (चक्री/घासणी), सोल्डरिंग साधनां (जोडणी), उब्या आराखड्याचेर छापपाखातीर मुद्रा, वाल वा वर्ती, वेगवेगळ्या मापाच्या रिंगांक आकार दिवपी दंड, भंगार वांकवपाखातीर वा वक्र करपाखातीर वापरतात ते लोह पट नांवाचे ल्हान लोखणाचे आकार, करवती – आनी तयार केल्ल्या वस्तींक चकचकीत करपाखातीर चमकणी. दरेक साधनांत आपलो वेगळो एक ताल आशिल्लो – एक काम करपाची पद्दत जातूंत कुशळटाय, पासियेंस आनी ध्यान लायिल्ल्यावरी केंद्रित जाल्लें लक्ष.

आनी तीं सगळीं ना जावपाक लागल्यात.

आतां भंगाराच्या वस्तीचे उत्पादन व्हड प्रमाणांत जाता. हातांनी तयार केल्ल्या वस्तींची सुवात माकनांनीं तयार केल्ल्या एकसारक्या वस्तींक सुवात मेळळ्या. पूण गोंय चित्रांत हीं साधनां जियेतात – फकत खणांनी वा आल्मारींनी न्हय, तर कथांनी त्या कथांच्या स्वाभिमानांत.

प्रियान म्हाका दिल्लो तो फकत संग्रह न्हय – तें कारागिरीचें, कुटुंबाचें, संघर्शाचें आनी बळग्याचें जिवें संग्रहालय. दायज सदांच मुकुट घालून वा फातरांनी कोरांतून येना हाचो तें उगडास करून दिता. केन्ना केन्नाय तें वेगळ्याच आकारांत येता, पोरन्या पितूळच्या साच्याचेर फुलाची नाजूक छाप जावन येता.

प्रियाचे जिणेची कथा आनीक एके पोरने म्हणी सारकी – ''भांगरान भरिल्लें घर भिकाऱ्याची झर.''

प्रियाच्या अर्पणांत हें सत्य आसा : भांगर चकचकीत आसूं येता, पूण खरें मोल म्हळ्यार त्याग, नम्रताय आनी याद.

❑

अध्यात्म

दामोदर घाणेकार

अध्यात्म म्हणजे कितें ? तें कित्या बाराबर खातात ? ह्या प्रस्नांक जापो आसात त्यो आमचे मदल्या कितल्या जाणांक समजतात ? कळटात ? अवगत जातात ? खंयचो बाबा, स्वामी, रुशी, मुनी, तपस्वी, बी स्पश्टीकरणा सयत समजावंक पावत काय ? आसूंय येता, नासूंय येता, म्हाका खबर ना.

पंढरपूराक एकदां श्रीगुरुचरित्र वाचनाचें सप्तक आशिल्लें. सात दिसां मदीं त्रेप्पन (53) अध्याय वाचपाचो तो व्हड सुवाळो. म्हाका कोणें तरी सांगतकच म्हजी प्रत घेवन गेलों. सांगाताक आसनूय हाडात म्हणिल्लें. थंय एका देवळांत श्रीगुरुचरित्राचें वाचन सुरू जालें. दर एक व्यक्ती आपापल्या आसनाचेर बशिल्ली. सगले जाण देवाक तोंड करून बशिल्ले, जाल्यार एक इश्ट आनी हांव मात तांकां फुडो करून देवाचे उजवे आनी दावे वटेन बशिल्ले. आमकां दर अर्द वरान उठून पांच मिणटां खातीर पांय सदळ करपाची मेकळीक दिताले. एक घांट वाजून जशी दर एकल्याची पाळी बदलिल्ल्याची सुचोवणी मेळटाली तशीच भायर वचपाचीय सुचोवणी घांट मारुनूच जाताली. अशीच एक अर्द वरान उठपाची सुचक घांट वाजली आनी सगल्यां बाराबर हांवूय उठलों. उठ्ठना हांवें पांय सदळ करपा खातीर मुखार हाडून ताणले. म्हणजे, stretch केले. तेन्ना म्हजीं पावलां मुखा वयले अस्तुरेक दिसलीं आनी ते अंयश्यांक तेंकिल्ले जाणटेलेन म्हणलें, 'आसनावर बसून पाय दाखवू नयेत.' फट्क करून म्हणलें, 'माहीत आहे. पण कोणत्या दिशेने दाखवले आहेत तेही महत्वाचे आहे.' हांवें पांय देवा वटेन दाखोवंक नाशिल्ले. तिणें वा तेवटेन बशिल्ले कोणेय व्यक्तीन आसना वयल्यान पांय ताणिल्ले जाल्यार तिचें विधान तिका लागू जावं येतालें. न्हय म्हाका आनी देवाचे दुसरे वटेन बशिल्ल्या इश्टाक!!

आमी जायत्या फावटीं हीच चूक करतात. पाठ केल्लें 'ओंकतात'. अध्यात्म अशें पाठ करपाचें नासता हें ते बायलेक अंयश्याव्या वर्सा कळचें हें आमच्या अध्यात्मांत मुरिल्ल्या पंडितांचें अपेस. कोणें तरी सांगलां, कोणें तरी आयकलां आनी पाठूय केलां. पूण कित्या खातीर वा बाराबर कितें आसता वा कितें लावचें हें कोण शिकयना अशें खरायेन दिसले बगर रावलें ना. अक्कलकोट हें स्वामी समर्थाचें स्थान. स्वामी समर्थ हो श्रीदत्तात्रयाचो तिसरो अवतार. पयलो, श्रीपाद श्रीवल्लभ. दुसरो, श्रीनरसिंह सरस्वती. पयले दोगूय आवयगेर जल्मल्ले. नरसिंह सरस्वती कर्दळीवनांत गुप्त जालो. ताणें सुमार सातशें 700 वर्सां ध्यान केलें. ताचे भोंवतणीं वारूळ जालें. त्या जंगलांत एक भिल्ल लांकडां मारतना ताच्या हातांतल्यान कुराड सुटली आनी वारूळ फुटून भितर पडली. ती स्वामी समर्थाच्या जांगडाचेर पडली आनी रगत येवंक लागलें. भायर सरून ताणें ताचेर हात ओडटकच रगत थांबलें. भिल्ल बावडो अजापलो आनी भियेलो. पूण ताची कसलीच चूक नाशिल्ली. स्वामी समर्थ हो श्रीदत्तात्रयाचो तिसरो अवतार जाल्ल्यान ताणें ताका आशिर्वाद दिवन आपली वाट धरली.

भारतभर जायत्या तिर्थांची आनी स्थानांची भोंवडी करून अखेरेक स्वामी समर्थ कायमचो अक्कलकोटाक रावलो.

आज अक्कलकोटाक अन्नछत्र चलता. दीसपट्टे शेंकड्यांनी लोक दनपरां आनी रातचे म्हाप्रसाद घेतात. दनपारच्या (12:30) साडेबारांच्या म्हाप्रसादा पयलीं अन्नछत्रांत रांदिल्ल्या अन्नाचें ताट घेवन 'अनंत कोटी ब्रह्मांडनायक अक्कलकोट निवासी पूर्ण दत्तावतार राजाधिराज योगीराज दिगंबर दत्तराज श्री स्वामी समर्थ महाराज की जय' अशा जयघोशांत त्या दिसाचे कद (सवळें) न्हेशिल्ले भजक रस्त्या पलतडी आशिल्ल्या स्वाम्याच्या देवळांत वचून निवेद्य दाखयतात आनी तशाच जयघोशान परततात. उपरांत पंगतीक बशिल्ल्यांक वाडटात. पंगती स्टीलच्या मेजार जातात, कारण उश्टें (पडलेंच जाल्यार) काडपाक/पुसपाक सोंपें. एकदां दोन पंगतींक वाडून जातकच (हांव चडश्यो पोळयोच घेतां कारण वाडपाक सोंप्यो... एक चतुर्थांश पोळी म्हणजे आमची व्हडले चपाते येदी) हांव तिसरे पंगतीक जेवपाक बसलों. म्हजे कुशीक एक बापूय. ताचे कुशीक ताचो सुमार सात-आठ वर्सांचो पूत. ताणें थोडें अन्न ताटांत सांडलें आनी उठलो. आमचें दोगांयचें जेवण चलतालें. इतल्यान एक वाडपी आयलो. ताणें पळयलें, कोणें तरी ताटांत अन्न सांडलां. ताणें तापून विचारलें, 'कोणें सांडलां हें?' 'पुतान म्हज्या,' बापायन भियेत भियेत जाप दिली. 'जेव तें सगलें. आमी जेवणा पयलीं लावडस्पिकराचेर सांगतात तें कितें ओगीच?' त्या बापायक पुताचें उश्टें ताट आनी आपलेंय बी जेवचेंच पडलें.

हांव जेवचे पयलीं प्रार्थना म्हणून जेवणाक सुरवात करतां. ही फाटल्या तिशेक वर्सांची संवय. उठ्ठना बोटां चाटून उठ्ठां. तुगेर आसूं, खाणावळींत आसूं, म्हजी पद्दत बदलना. तुमी म्हाका नांवां दवरलीं म्हणून हांव मात्तूय कांचवेवचों ना. कारण, हांव तत्वाक दस्सून आसां!!

अशें करपाचें अध्यात्मीक बी कारण नाआं. पूण practical मात आसा. मणिपालाक कोंकणी परिशदेचें काय संमेलनाचें सत्र आशिल्लें. जायते जाण उश्ट्यान बुडबुडिल्लीं बोटां घेवनूच हात धुवंक गेले आनी... आनी बाशी चोंदली. मागीर घेऽऽ रांक लागली. हेच खातीर बोटां-हात चाटचे अशें जायत्या वर्सां फाटीं हांवें शिटकायिल्लें. पण... लक्षांत घेतो कोण? असो प्रस्न आसा.

अन्नछत्र मंडळाचो अध्यक्ष अक्कलकोट संस्थानाचो राजा जन्मेजय आसा. (तुमी केन्ना राजाक काल्सांव घालून पळोवंक ना जाल्यार अक्कलकोटाक वचात. हाहाहा). ❑



‘संस्कृतीक जाण’ म्हणल्यार कितें?

दीपक बोरगावे
अणकार : शैलेंद्र मेहता

संस्कृतायेची संकल्पना समजूंक कठीण दिसली तरी पूण ती कठीण न्हय. ममहाराष्ट्र संस्कृताय; द्रविड संस्कृताय; भारतीय संस्कृताय; अस्तंती-इस्लामी संस्कृताय, उदेंत, कॅरिबियन, लॅटीन-अमेरिकन संस्कृताय- अशीं उतरां आमी आमी आयकतात वा वाचतात. देखून, मसंस्कृतायफम्हणल्यार कितें तें समजून घेवप गरजेचें.

मसंस्कृतायफ हो विशय व्यापक. तातूंत गट, व्यक्ती, सुवाती, देश, भौतिकता, अमूर्तताय अशो जायत्यो गजाली आस्पावतात. भास, मनीस मुल्यां, समजुती, अंधश्रद्धा, विस्वास, प्रतिमा, आदिबंध, प्रथा, रूढी, रिवाज, परंपरा, धर्म, जात, लिंग संबंद, समाजीक चौकटी/वेवस्था- अर्थीक, राजकी, वैचारीक, इतिहास, जिणे पद्दती आदी गजालींक ‘संस्कृताय’ ह्या नांवान संबोधीत करतात. जेन्ना खंयचेय गजालीचें वर्णन ‘संस्कृतीक’ अशें करतात तेन्ना इतिहास, परंपरा, धर्म, वैयक्तीक आनी सामुहीक समाजीक-राजकीय कृती हांचो उल्लेख जाता. हालींच्या काळांत तो ‘संस्कृतीक अणभव’ म्हूण उपभोगाच्या आकृतीबंधापुरतो मर्यादीत उरला. म्हणल्यार सांस्कृतीक नांवाची गजाल फकत मउत्सवफ करपाची गजाल, अशें आसा. आमच्या हातांत एंड्रॉयड फोन मेळ्ळ्या उपरांत फाटल्या दोन दसकांनी संस्कृतायेचो हो खेळ वाडला. व्हॉट्सॲपाचेर स्टेटस घालप, रील तयार करप, मनरिजवण

करपी विनोदी व्हिडियो करप, आमी खंय तरी कितें तरी मनयतात अशें सतत दिसप आदी गजाली वाडत आसात. हे सगळे अतिउद्योगीकरणाचे परिणाम. म्हालाच्या वर्चस्वाक लागून गिरायकवादी संस्कृताय निर्माण जाल्या. आयज क्रिकेट सारको खेळ लेगीत विकतात. सगळेंच विकतात. खरेदीदारय तुमच्या दारांत उबे आसात. उदक, निवळ हवे सारकिल्ल्यो मुळाव्यो सैमीक वस्तू कोणाचेच मालकीचे नात. पूण वैयक्तीक वापरा खातीर त्यो विकपाक लागल्यो. आधुनीक जिणेचे आयाम बदलूंक लागले. कोयराचे पाटले, केंसांच्यो जटा सोडोवपाक दादले–बायलांक वेगवेगळे सलून, मोबायल फोन उपरांत मोबायल कव्हर, लॅपटॉपा खातीर कव्हर, वेगवेगळ्या आकाराच्यो पोतयो, वेगवेगळ्या प्रकारचे अपरंपरागत कपडे, उदकाच्यो बाटल्यो – हजार गजाली ल्हवू ल्हवू आमच्या आधुनीक जिवितांत प्रवेश करपाक लागल्यो. हातूंतल्यान नव्यो वस्तू विकत घेवप, सजवणी करप वाडपाक लागलें. देखीक नाताळाचीं झाडां उबारप, घुडी उबारप, दिव्यांची माळ घालप, घरगुती देवांक वेगवेगळ्या डिझायनांचे मखरां विकतीं घेवप, वट पौर्णिमा दिसा वडाच्या झाडाची पुजा करप, चितळे श्रीखंड आदी गजाली प्रतिश्ठीत जाल्यो, हीं सगळीं सांस्कृतीक वेव्हाराचीं नवीं चित्रां. विसाव्या शेंकड्यांतय ह्यो गजाली आशिल्ल्यो. पूण तांचें प्रमाण आयच्या इतलें अफाट नाशिल्लें.

विसाव्या शेंकड्यांतली एक देख पळयात. पुण्यांतले तरणाटे 'व्हॅलेंटायन डे' मनयतना कांय संघटनांनी 'व्हॅलेंटायन डे' कार्डां विकपी दुकानांचेर हल्लो करून जळोवन दहशतवाद पातळायिल्लो. 'व्हॅलेंटायन' हो आमचो उत्सव न्हय. ती आमची संस्कृताय न्हय. ती किरिस्तांव संस्कृताय. देखून हे परकी उत्सव मनयप आमचे भारतीय संस्कृतायेंत बसना. अशें संघटनांनी ह्या सांगिल्लें आनी हे उजो लावपा फाटली प्रेरणा हीच आशिल्ली.

सादारणपणान मसंस्कृतायफ हें उतर उच्चारतना कला, संगीत, साहित्य, चित्रकला, नाच, शिल्पकला, चित्रपट, भेसभूशा, शिश्टाचार, जेवण आदी गजाली मनांत येतात. संस्कृतायेच्या विशयांतलो हो एक व्हडलो भाग. पूण फकत ह्यो सगळ्यो गजाली म्हळ्यार 'संस्कृताय' न्हय.

फाटल्या कांय दसकांनी संस्कृताय धर्माकडेन संबंदीत आशिल्ल्याचो अर्थ स्पश्टपणान जाणवता. कसलीच वेवस्थीत चिकित्साय करिनासतना इतिहासाचें विकृत महिमामंडन करप आनी ताका संस्कृताय म्हणप. असो हो प्रकार. आयुर्वेदाच्यो व्हडविकायो सांगप, शाळेच्या पाठ्यपुस्तकांनी व्रतां, हेर धर्मीक आनी अर्थ नाशिल्ल्या भोगावळींच्या उत्सवांचें म्हत्व शिकोवप, प्लास्टीक सर्जरी, पुष्पक विमान आदी सोद तशेंच आमीच सगळ्यांच्या आदीं विज्ञान सोदून काडिल्लें अशें काल्पनीक चित्र पुस्तकां आनी माध्यमांतल्यान लोकांच्या मनाचेर परत परत रंगोवप जाता.

संस्कृताय म्हळ्यार 'साक्षात प्रत्यक्षांत जगप.' हें प्रत्यक्ष जिवीत वयर सांगिल्ल्या सगळ्या ललित कला आनी हेर मनशाच्या वावरांतल्यानय साकार जाता. पूण ताचेपरसूय जगताना निर्माण जावपी अनेक प्रस्न वा त्यासंदर्भात विचारूंक येतात अशे जायते प्रस्न आनी ताची चिकित्सा हांका 'संस्कृताय' म्हणूं येता .

अठराव्या शेंकड्यांत 'संस्कृताय' ही संकल्पना विकसीत जाली. भारतीय नदरेन 'संस्कृताय' ही संकल्पना सादारणपणान सं +कृती म्हळ्यार 'बरी कृती' अशें म्हणूं येता. आतां 'बरें' आनी 'वायट' हीं 'सापेक्ष.' देखीक– वैजकी अर्थान ग्लुकोज हो ऊर्जा वाडोवपी पदार्थ. पूण गोडेंमूत जाल्ल्या दुयेंतींक ग्लुकोज धोक्याचे थारूंक शकता. एकल्याक 'बरी' आशिल्ली तीच गजाल दुसऱ्याक 'वायट' जावंक

शकता. देखून 'बरें' आनी 'वायट' हांची मोल पद्दत सापेक्ष आसता.

भारतीय भाशांनी 'संस्कृत' ही संज्ञा 'संस्कृत' भाशेंतल्यान आयली. मराठी आनी भारतीय भाशांनी ही संज्ञा प्रचलीत जाली. 'संस्कृताय' हे संज्ञापरस 'सभ्यता' ही संज्ञा चड योग्य. पूण ती रूढ जालीना.

अठराव्या शेंकड्यांत 'संस्कृताय' (culture) आनी civilization ह्या दोनूय प्रकारांचो 'cultivation' कडेन संबंद आशिल्लो. पूण उपरांत फरक पडलो. 'cultivation' ही संज्ञा शेतकी संस्कृतायेकडेन चड संबंदीत आसा. हातूंत जमनींत पिकां लावप, लायिल्ल्या पिकांची लागवड करून तीं वाडवप आदी अर्थ आसपावीत आसात. 'संस्कृताय' ही प्रवृत्ती भायल्या जगापरस भितरल्या संवसाराकडेन वता. कला, साहित्य, संगीत, राजकारण, समाजीक वावर आनी संस्कृतीकरण चळवळी ह्या चळवळींचो आद्यप्रवर्तक आशिल्लो फ्रेंच विचारवंत जॅक रूसो (1712-1778) हाच्या प्रभावाचो हो परिणाम आशिल्लो. ह्या काळांत 'संस्कृताय' ही एक व्यक्तिपरक अंतर्गत प्रक्रिया मानताले. 'संस्कृतायेंत' धर्म, कला, कुटुंब, व्यक्तीचें वैयक्तीक जिवीत अशो गजालींचो आस्पाव नाशिल्लो, पूण 'समाज' (society) ही अमूर्त गजाल आस्पावताली. ते प्रमाण ह्यो सगळ्यो गजाली व्यक्तीचे वैयक्तीक वागणुकेंतल्यान भायर सरतात. हाकाच आमी त्या व्यक्तीची खाशेली 'संस्कृतीक जीण' (cultural ceing) म्हणूं येता. 'Civilization' ही भायल्या घटकांपसून तयार जाल्ली आसता, जाल्यार 'संस्कृताय' ही व्यक्तीचे भितरले उदरगतीचो एक भाग. धर्म, कला आनी हेर समाजीक संस्थांकडेन आनी तांच्या वेगवेगळ्या प्रथा आनी मुल्यांकडेन ताचो संबंद आसता.

पर्यावरण, मळब, जमीन, दर्या, भोंवतण, पावस, हवामान, वादळ, रोग, न्हंयो, व्हाळ, दोंगुल्ल्यो, दोंगर, रानां, झाडां – पेडां, जनावरां, सुकणीं, जनावरां, माती, फातर आदी भायले घटक Civilization खाला येतात. तातूंतलो 'मनीस म्हूण ह्या भौतिक वातावरणाक कसो प्रतिसाद दिता हें 'संस्कृताय' हे घडणुके खाला येता. सिव्हिलायझेशन आनी संस्कृतायेच्या निसरपाच्या उताराचेर मनशान निर्मिल्ली गिरेस्तकाय, झुज, हिंसा, अराजक, उदरगत, नाश, धर्म, जातीवाद, इतिहास, सुदारीत–मागास जमातींमदलो संघर्श (देखीक– आमचे कडले दलीत आनी परदेसांतलो काळ्या लोकांचो संघर्श), सत्ता, राज्य (राज्य संस्था), शेक हांचोय हातूंत आस्पाव जाता. हें तशें नेमकेपणान सांगप कठीण. पूण एक गजाल नेमकेपणान सांगूं येता. 'civilization' ही एक भायली गजाल. उरफाटें, 'संस्कृताय' ही एक भितरली गजाल. तेच वांगडा काळाप्रमाणें संस्कृताय बदलता. वेगवेगळ्या भाशांनी तिचे वेगवेगळे इतिहास आसात. फाटल्या स–सात दसकांनी संस्कृतायेचो अभ्यास म्हूण उदरगत जाल्या. गिन्यानाचो एक वेगळो फांटो म्हूण तिणें आकार घेतला.

'संस्कृतीक' म्हणल्यार कितें? हाची जाप म्हळ्यार सण मनवप, सतत झगझगत रावप, वेगवेगळे कपडे घालप आनी सिनेमांतले नाच आनी गितां हातूंतल्यान फेसबूकार स्वताची स्टोरी तयार करून मिरवप हाका आयज 'संस्कृतीक' मानतात. ह्या लोकांचें प्रत्यक्ष आनी साक्षात जिवीत 'भयानक' आसता. खरें म्हणल्यार मानसशास्त्रीय नदरेन संस्कृतायेचें गडद आनी ठळक प्रदर्शनात्मक रूप सतत सादर करपी लोक गिरायकवादी संस्कृतायेंत आडखळून पडिल्ले असतात अशें म्हणूं येता. आयच्या लेट कॅपिटलिस्ट काळांत संस्कृताय चड विकृत जायत आसा. आनी ही विकृती हे वेवस्थेक फायदेशीर थारता. हे फाटभुंयेर आमकां केन्ना 'संस्कृतीक जाण' येतली? हो प्रस्न संवेदनशील मनशाक त्रास दिता.

❑

काणीकणी : मनीस जात– दाट कात

दादा हेगडे

''सारको गेंडया कातीचो खंयचो''.... आसाम–काजिरंगा वन्यजीव अभयारण्यात सफारी करतना पयलेच खेप गेंडो साप्प लागी सावन पळयलो. तेन्ना म्हाका म्हज्या आवयच्या ह्या उतरांची याद जाली. ती जायत्या फावट म्हाका उद्देशून ही उतरां म्हणी. त्या वेळावेल्या म्हज्या कांय कर्तुपांची याद करत, तर ती त्या वगतार जुस्त लागू जाताली हेंवूय पट्टा.

गेड्यांची कात दिसूंक जरी राठ आनी दाट दिसली, खरेंपणी ती खूप संवेदनशील आसता. त्या पासत ताका सूर्याच्या वताचो रखरख सहन जायना. दनपार जाता जाता तो रेबटांत लोळून आपल्या आंगभर रेबट आच्छादावन घेता. हत्ती फाटोफाट 5 कोटी वर्सा मायज धर्तरेर जिवो उरील्लो हो सस्तन (मॅमल) प्राणी. ताका उण्यात उणे तीस आनी चडात चड णव्वद फुटावेंलेंच स्पश्ट दिसता. ताची वास घेवपाची तीव्रता मात विलक्षण आसता. हे पासत तो वासाच्या आदारार आपणाचेर जावपी हल्ल्याचो बरे रीतीन अदमास घेवंक शकता. पुरायेन वाडील्ल्या गेंड्याचें वजन तीन ते साडेतीन टन आसता. शुद्ध शाकाहारी हो प्राणी मनीस जातीक कसलोच त्रास दिना. तरी लेगीत मदींसरा काय तेंप आपल्या 'एक शिंगा' पासत तो शिकारचोरा कडसून जीव वगडावन निर्वंश जावचे वाटेर आशिल्लो. त्याच्या शिंगाचो वखदी उपेग शास्त्रीयरित्या प्रोवार जावंक ना. काय जाण तें जुवानपणांत शेणिल्लें बळगे परत एक फावट ताकदवान करता अशें मानतात. खरेंपणी ताचे कुडींतल्या केरोटीन द्रव्यासुन तें शिंग तयार जाता. आमच्या बोटावेल्या नाखटा भशेन वाडटा. तें शिंग म्हळ्यार ताचे एकठांयील्ले केंस अशें लेगीत मानपी

आसात. रानवटी जनावर जावन लेगीत गेंडो मेळत थंय घाण करना. दिस भर आपल्या फामीली वांगडा 'जीतें' तण चरत रावपी तो आपल्या वाठाराची शिम आपल्याच मळान (विश्ठा) आखता. तो आनी ताची फामिल एक म्हयनो मायज ती शीम हुंपनात. म्हयन्या उपरांत वेगळो वाठार सोदतात. हें सगळे थारायतना रानांत रावपी गेंडे केन्नाच एकामेकां लागी केस्तांव करीनात.

संवसारभर विंगड विंगड अशें पांच तरेचे गेंडे पळवंक मेळटात. तातूंतले आफ्रिका खंडांत दोन भशेनचे आनी उरिल्ले दक्षिण आशिया खंडांतभारत, नेपाळ आनी काय उदेंतेआशियाच्या देसानी पळवंक मेळटात. सगळ्या गेंड्यांचें ज्या वेळार मेजप जालें त्या वेळार भारतीय (इंडियन) एक शिंगी गेंडयाचो आंकडो दोन तृतीयांश भरलो. वाडटे लोकसंख्येवांगडा हो लेगीत एक भारतीयांनी केल्लो विक्रम म्हणूं येता. पूण गेंडयाक दोन ते पांच वर्सां मदीं फक्त एक पिल जाता. तें जल्मूंक पंदरा ते अठरा म्हयने रावचें पडटा. नव्यान जल्मल्ल्या पिलाक व्हड जाय मेरेन वाघाच्या घुरये सावन राखचें पडटा. शिवराक आनी अहिंसक वृत्तीचो हो प्राणी आपूण जावन कोणाचे वाटेक वचना. पूण तो आनी ताचे फामिलीक कोणूय त्रास दिवंक सोदता अशें दिसत तर मात हल्लो केल्या बगर रावना. भारतीय गेंडो असल्या वेळार आपल्या सुळया दातांचो पयली उपेग करता आनी जाय तेन्ना शिंग वापरता. एका पोल्यार मारल्यार दुसरो पोलो दिना. तो सोमतोच घालो घालप्यांक आपल्या शिंगार घेता आनी जमनीर आपटीता. अश्या ह्या कुरूप, विद्रूप जीवाक पळवंक देस परदेसांतल्यान लोक हजारांनी दुडू मोडून येतात ही खरी अपूरबायेची गजाल.

सरभोंवतणी उक्त्या मळार वावूरपी भौशीक, समाजीक तशेच राजकी मनीस, तांचे खास गुण, वागप, उलवप, न्हेसप–दिसप नियाळपाची म्हाका आदीं सावन खाज!! ज्या वगतार हांवें गेंडो प्रत्यक्षांत पळयलो तेन्ना हांतुतल्या कांय जाणांची याद जाली. ह्या लोकांची कात पळोवंक जरी संवेदनशील दिसली तरी ती गेंड्याचे काती इतली दाट न्हय, ते परस बरीच चड राठ आसता हें होलमलें. निव्वळ भ्रश्टाचारी हे लोक लेगीत दिस रात 'दुडू खावपाची' एक लेगीत संद सोडी नात. हांकां आनी तांचे फामिलीक, तांच्या वांगड्यांक दुडूच जाय अशें ना. त्या वाट्याचें तितलेंच मोलादीक कितेंय मेळत तरी चलता. नोकरी वा चाकरेचो जागो, पद वा हुद्दो, पक्ष, पंगड, चोमो, मंडळ, संस्था अश्या जायत्या वाठारांनी ते चरत आसतात. हांतुतले कांय जाण तर मेळटा ते सुवातेर दिस रात चरतात. हे आपल्या वांगडा आपल्या फामिलिक लेगीत चरपाक आनी चोरपाक शिकयतात. बेकार–बेरोजगार जुवान, गाफील लोक तांच्यो अडी–अडचणी हो ह्या लोकांचो चरपाचो मेकळो जागो. हे पंगड, चोमे, मंडळ संस्था, पक्ष, गट, वादी असल्या नांवाखाला एकठांयतात. आप आपलो वाठार मापून घेतात. सादारण लोक जाका निर्जज्जपणां म्हणटात ताका ते कापाजदाद समजतात. हें लेगीत कोणूय नवीन तांच्या वाठारांत भितर सरत तर सुपारी दिवन तांचो काटो काडटात. एकामेकांचेर केशी घालप, धमकावप अशें सुरू करतात. आतां तर समाज माध्यम आनी स्मार्ट फोनाची कोलती हातांत पडील्ल्यान ताचो ते आपणाक जाय तसो उपेग करतात. एकामेकांक गाळी घालून, एकामेकांचे आवय बापुय, घोव, बायल, रखेल.... वयर काडून एकामेकांक जमनीर आपटीतात. तांका स्वताक शिंग जरी नासलें तरी हेरांक 'शिंगा लावंक' तें फिशाल आसतात. आदीं सावन रेबटांत लोळत आयिल्ल्यान हांका कसलेच घाणीचो वा रेबटाचो मात लेगीत पात्सो नासता. हांचो आकडो कमी जावच्या बगर वाडत आसा. हे फुडें असल्यां पसून पयस रावपी लोकांक वेगळें 'अभयारण्य' तयार करचें पडटले!! नवीन पिळगेक 'जीप सफारी'

करीत नानपयत जावपी ''सरळ जीण जगपी मनीस जात'' दाखोवची पडटली. ती तांका नियाळत रानात जंगल-राज न्हय लोकराज आनी देशांत, गांवा, शारानी लोकराज नांवान चलपी जंगल राज हातूंतलो फरक शिकतली!!!

हें सगळें जाणा जावन लेगीत समाजांत कसलीच क्रिया करीनासतना बुदवंताच्या घरा फोना सामकार बसून फक्त शेर्मांव सांगप जाता. निश्क्रीय बुद्धीवाद्यांनी ''हे अशेंच चलपाचें'' अशें मानून घेवप चड लूकसाण करता. ''आतां चड जालें, बदल जावंक जाय'' म्हणपी नवीन जुवान पिळगी तयार जावपाची गरज आसा. आनी जाली ना तर म्हजे आवयन त्या वेळार म्हाका ''गेंडया कातीचो'' म्हणिल्लें उतर आयज लेगीत पुरायेन सत थारतलें हें न्हयकरूं नज.

❑

। वर्णमुद्रा पब्लिशर्स ।

(वर्णमुद्राची अलीकडची प्रकाशित २२ पुस्तके)

८६) काचेचं मन, गणेश चौधरी, ५००/-, पत्रे
८७) मोझार्टचे रेक्विअम, गणेश वामन कनाटे, २७५/-, कविता
८८) पोपटपंची चतुर्की जान, सुनो पार्वती शिरी भगवान, संजीव खांडेकर, ३२५/-, दीर्घ कविता
८९) अक्षरांचा संग, महेश्वर लव्हेकर, ५००/-, लेख-टिपणे-अनुवाद
९०) अंतरंग, सना पंडित, २२५/-, ललित लेख
९१) अभिसारिका, सना पंडित, ७५/-, दीर्घ कविता
९२) समर ऑफ सेव्हन्टीनाईन, सुरेंद्र विठ्ठल दरेकर, ६५४/-, कादंबरी
९३) वीर जन्मला त्याची गोष्ट, शलाका घैसास, १००/-, बालवाङ्मय
९४) घरी जाता जाता, शलाका घैसास, १००/-, बालवाङ्मय
९५) यशवंत मनोहर ह्यांचे ललित वाङ्मय, डॉ. अनिल नितनवरे, ९२५/-
९६) झाडाची कविता, जितेंद्र कुंवर, ३५०/-, कविता
९७) झेन्नाच्या कविता, दिनकर मनवर, ३५०/-, कविता
९८) सायंवळ, जयश्री दाणी, ४२४/-, कविता
९९) जीवीचे जिवलग, हेमंत गोविंद जोगळेकर, ३७५/-, चरित्रपर लेख-टिपणे
१००) मृत्युपत्र, पंकज कुरुलकर, ६५०/-, कथासंग्रह
१०१) पल्याडी भाषा अल्याडी जीवने, पुरुषोत्तम देशमुख, २७५/-, लेख-टिपणे
१०२) समज-उमज, कल्पना मलये, १७५/-, कविता
१०३) ऋतुसमिधांच्या आर्द्रा, संतोष विठ्ठल घिसिंग, ४२४/-, कविता
१०४) अवतीभवतीची माणसं, संजय इंदुरकर, ४१५/-, लेख-टिपणे
१०५) भाषा, पंकज कुरुलकर, ४५०/-, कथा
१०६) ख्रिस्तायन, नारायण वामन टिळक-लक्ष्मीबाई नारायण टिळक-देवदत्त नारायण टिळक, संपा. डॉ. अनुपमा निरंजन उजगरे, ११११/-, खंडकाव्य
१०७) श्री. दा. पानवलकरांचे कथाविश्व, डॉ. कल्पना निशाणदार, ७५०/-, समीक्षा

मुख्य वितरक : वर्णमुद्रा पब्लिशर्स व डिस्ट्रिब्युटर्स शेगाव, जिल्हा बुलढाणा मो. : ९९२३७२४५५०
उपवितरक : १) पुस्तकवाला ॲण्ड कंपनी, पुणे मो. : ८६२४९७७०२९
२) मैत्री पब्लिकेशन, पुणे मो. : ९६५७२४०८२४
३) वाल्डन बुक स्टोअर, पुणे मो. : ९७६६९७५१६५
४) बुककट्टा अमरावती, मो. : ८३७८८९५९१६
मुख्य कार्यालय : वर्णमुद्रा पब्लिशर्स, पृथक, रामकृष्णनगर, शेगाव, जिल्हा बुलडाणा ४४४ २०३
E mail : varnamudra.editors@gmail.com Website : www.varnamudra.com Mo. : 9923724550

संजना पब्लिकेशन्सचीं नवीं प्रकाशनां



मोल :₹ 250/-



मोल :₹ 200/-



मोल :₹ .400/-



मोल :₹ 250/-

आमचीं पुस्तकां

- **संजना पब्लिकेशन्स,** 39, दत्तवाडी, सांगें, गोंय. 403 704
  sanjanapublications2@gmail.com मोबायल : 9552551425
- **गोवा कोंकणी अकादेमी**

आनी • **Amazon.in** चेर मेळटात

वर्णमुद्रा इ नेमाळ्याचो हो जानेवारी–फेब्रुवारी–मार्च 2026 चो अंक मालक, मुद्रक आनी प्रकाशक मनोज सुरेंद्र पाठक हाणीं वर्णमुद्राचे वेबसायटीचेर उजवाडायला आनी अंकाची मुद्रित प्रत रामकृष्ण सोसायटी, एस बी आय कॉलनी, दत्त मंदिरालागीं, शेगाव, जिल्ल्यो बुलढाणा (महाराष्ट्र) हांगासावन खासगी वितरणाखातीर उजवाडाक हाडल्या.

ईमेल : varnamudra.editors@gmail.com **वेबसायट :** http://www.varnamudra.com/

मुख्य वितरक

वर्णमुद्रा पब्लिशर्स व डिस्ट्रिब्युटर्स, शेगाव, मोबायल नंबर : 9923724550

वर्णमुद्रा इ नेमाळ्याच्या मुद्रित प्रतींचें आनी पुस्तकांचें गोयांत वितरण जाता.

संपर्क : दिनेश मणेरकार, मोबायल नंबर : 9552551425